# मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज जिवन एक नियाळ

## (Meena Kakodkar Hanchya Kathentalem Samaj Jivan Ek Niyal)

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON- 650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfillment of Master's Degree

MA in Konkani

by


YOGINI YUVRAJ MAYEKAR

Seat Number 22P0180041

ABC ID- 216178769673

PRN 23-809200


Under the Supervision of

Ms. SANIKA ASHOK GAONKAR


Shenoi Goembab School Of Languages And Literature

Konkani Discipline

Goa University


April 2024

# मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज जिवन एक नियाळ

**(Meena Kakodkar Hanchya Kathentalem Samaj Jivan Ek Niyal)**

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON- 650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters's Degree

MA in Konkani

by


**YOGINI YUVRAJ MAYEKAR**

Seat Number 22P0180041

ABC ID: 216178769673

PRN: 201809200


Under the Supervision of


**Ms. SANIKA ASHOK GAONKAR**

Shenoi Goembab School Of Languages And Literature

Konkani Discipline

**Goa University**


**April 2024**

Examined by:

Seal of the School

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, **"मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज जिवन एक नियाळ"** **(Meena Kakodkar Hanchya Kathentalem Samaj Jivan Ek Niyal)** is based on the results of investigations carried out by me in the Konkani Discipline at the Shenoi Goembab School Of Languages And Literature Konkani Department, Goa University under the Supervision of Ms. Sanika Ashok Gaonkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities / College will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University/college authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Mayekar

**Yogini Yuvraj Mayekar**

Seat no: 22P0180041

Date:

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **"मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज जिवन एक नियाळ"** **(Meena Kakodkar Hanchya Kathentalem Samaj Jivan Ek Niyal)** is a bonafide work carried out by Ms Yogini Yuvraj Mayekar under my supervision in partial fulfilment of the requirement for the award of the degree of (MA Konkani) in the Discipline (Konkani Discipline) at the (Shenoi Geoiembab School Of Languages $ Literature Konkani Department, Goa University), Goa University.

16/04/2024

**Sanika Ashok Gaonkar**

Date:

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

Dean of the School/HoD of Dept

School/Dept Stamp

Date:

Place: Goa University

# प्रस्तावना

कथा हो एक ल्हान सुटसुटीत असो साहित्य प्रकार आसा. कोंकणी साहित्या भितर कविता, कादंबरी, नवलिका, कथा, नाटक अशें हेर साहित्य प्रकार आसपावतात तातूंतलोच एक फामाद आनी सोबीत प्रकार म्हळयार कथा हो साहित्य प्रकार जातूंत कथानक हो साद्या आनी सोंप्या उतरांनी मांडिल्लो आसा. जातूंत कथानकाचो आवाट हो खूब ल्हान आसता. मोजक्योच घडणुको वा प्रसंग घेवन काणयेच्या रूपांत बरयल्लो अविश्कार म्हणल्यार कथा. जर कथेचो कथानक दीर्घ आसलो जाल्यार ती कथा म्हणू येना देखून कथा ही ल्हान आसता, जाचे संवाद कमीच कमी उतरांचें आसता.

समाज ही लोकांनी लोकांक खातीर केल्ली वेवस्था. जातूंत जेन्ना समाज म्हणटात तेन्ना मनीस हो समाजाचो म्हत्वाचो घटक थारता. एकादो मनीस जल्म ते मरण मेरेन खंय तरी समाजांत घातिल्ल्या विधी वा रिती रिवाजानी घुस्पिल्लो आसता आनी समाजांत चलत आयिल्ल्या ह्या चाली रितींक समाज ही संकल्पना दिसून येता.

साहित्य हो समाजाचो हारसो. समाजांत जें कितें घडटा तें साहित्यांत प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रुपांत दिसता. पूण मीना काकोडकार हांच्या कथांनी समाजाचें वेगवेगळें रूप दिसता. तांच्या कथा संग्रहांतल्या दर एका कथेंत समाज दर्शन दिसून येता, म्हळयार तांच्यानी आपल्या साहित्यांतल्यान समाजाक एक संदेश दिवपाचो यत्न साहित्यांतल्यान केल्लो आसा.

मीना काकोडकार ही कोंकणींतली जेश्ठ लेखिका तांच्यानी कथा साहित्या बरोबरच कादंबरीच्या आनी कोंकणीच्या मळार कलाकार म्हूण वावर केला. तांचे कथा संग्रह म्हळयार दोंगर 'चंवल्ला', 'आमी' आनी 'सपनफुलां'. तशेंच वास्तू ही कादंबरी तांच्यानी बरयल्या. म्हज्या सोदवावरा खातीर हांवे मीना काकोडकरांच्या तिनूय कथा संग्रहांचेर अभ्यास केला. मीना काकोडकरांच्या कथांचेर अभ्यास करपाचो म्हजो मुखेल हेतू म्हळयार तिणें सर्वसामान्य मनशांची दुखां, तांची चित्रणां खूब बऱ्या तरेन

चित्रायल्यात. तशेंच तांचे संघर्शात्मक साहित्य म्हज्या काळजाक भावता. ह्याच कारणाक लागून हांवेन तांच्या कथा संग्रहाचेर अभ्यास केल्ला.

तांच्या कथेंतलो समाज अभ्यासाक घेतिल्ल्यान तांच्या सपनफुलां आनी आमी ह्या कथा संग्रहांत चड प्रमाणांत समाज दर्शन आयिल्ले दिसता जाल्यार तांच्या दोंगर चंवल्ला ह्या कथासंग्रहांत समाजीक दर्शन कमी प्रमाणांत आयला. पूण म्हज्या सोद प्रबंधिकेंत ग्रामीण मानसिकता हो उपघटक आशिल्ल्यान हांवेन दोंगर चंवल्ला होय कथासंग्रह अभ्यासाक घेतला. ह्या प्रबंधिकेन हांवेन एकंदर स प्रकरणां केल्यात. तांच्या कथांचेर समाजीक नदरेंतल्यान अभ्यास करतना समाजीक दर्शन, स्त्री- पुरुश संबंद, लोकसंस्कृताय वा लोकउत्सव, अंधविश्वास, रूढी परंपरा, आर्थीक जीण आनी स्थिती तशेंच बदलते कुटूंबीक विचार भेद तशेंच समाजीक मुल्ल्यां, जिवन मुल्ल्यां, ग्रामीण जीवन, मानसिकता, अस्तुरी प्रतिमा आनी बाल अवस्था सारकिल्ले विशय तांच्या साहित्यांत आयल्यात.

तांच्या कथांनी शारी जीण कशी आसता आनी ग्रामीण वा गांवगिरी जीण कशी आसता आनी ग्रामीण जीणे कडेन कशें तरणें मन ओडटा हांच्या विशीं तांच्या 'दोंगर चंवल्ला' ह्या कथा संग्रहांत जाणवता. हो पुराय कथा संग्रह गांवगिरी जीण, थंयची लोकसंस्कृताय, एका अस्तुरेची जीण, बाल मानसिकता हाचेर आधारीत आसा. तशेंच ती कमींच कमी उतरांनी आपल्या कथा संग्रहांतल्यान खूब कितें सांगपाचो यत्न करता हें दिसून येता. तातूंतल्यान पुराय पणांत समाजाचें दर्शन घडटा. तशेंच गांवगिऱ्या वाठारा कडेन मन भुलोवण्योय कथा तांच्या कथा संग्रहांत आसपावतात. ज्यो खंय तरी गांवा कडेन एकरुप जावपी नातें हाच्या बद्दल उक्तावपी कथा आसात. तशेंच समाजांत मनशांचो भेद कशे तरेन केल्लो आसा हाचेर तिणें बडी मारल्या. तांच्या कथांनी पळयत जाल्यार आंगळे - वेगळे विशय लेगीत मेळटात, देखीकः भुरग्यांचेर आदारून, बायलेचेर आदारून कथा, पूण तातूंत लेगीत 'समाज' आयिल्लो दिश्टी पडटा.

तांच्या कथांची हींच वेगळेपणां जाणून घेवपा खातीर ह्या सोद प्रबंधिकेंत अभ्यास केल्लो आसा.

## उपकाराची उतरां

"मीना काकोडकार हांच्या कथेंतले समाज जिवन एक नियाळ" ही सोद प्रबंधिका तुमच्या मुखार सादर करतना म्हाका मना काळजासावन खोस भोगता. ह्या खोशयेच्या खिणांक हांव सगळ्यांत पयली मना काळजासावन उपकार मानता. ते म्हजी मार्गदर्शक प्रा. सानिका गांवकार हांच्या कडल्यान म्हाका तांचे भोव मोलादीक मार्गदर्शन म्हाका लाभिल्ले आसा. ज्या ज्या वेळार म्हाका तांचो वेळ जाय आशिल्लो त्या त्या वेळार तांच्यानी म्हाका आपली कामां कुशीक दवरुन तांच्यानी म्हाका गरजे वेळार तांचो मोलादीक वेळ दिलो आनी अभ्यासा संदर्भांत म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो दिल्यो. तांच्या उत्तेजाक लागून हांव ही सोद प्रबंधिका पुराय करपाक पावले देखून हांव तांचे उपकार मानता.

तशेंच हांव मनापासून उपकार मानता कोंकणींतली जेश्ठ लेखिका सौ. मीनाबाय काकोडकार हांचे कारण तांच्यानी आपलो फाव तो मोलादीक वेळ काडून म्हज्या प्रस्नांच्यो जापो सुटाव्यो केल्यो. ह्या सोदवावरा खातीर संदर्भ पुस्तकां खातीर हांवे गोंय विद्यापिठ, सॅण्ट्रल लायब्ररी ह्या संस्थांच्या वाचपघरांचो आदार घेतिल्लो देखून तांच्या जाळवणदारांचे हांव मनापासून उपकार आठयता. तशेंच हो सोदवावर करतना म्हज्यो चुको तपासपी आनी म्हाका केल्ल्यो सुचोवण्यो आनी विचारांचे आदार करतल्या म्हज्या वांगड्यांक हांव दिनवासता. तशेंच ह्या सोदवावराक म्हाका ज्या लोकांचो प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रुपान आदार घेवचो पडलो त्या सगळ्यांचे हांव मना सावन उपकार मानता.

योगिनी युवराज मयेकार

थळ: गोंय विद्यापिठ

विद्यार्थी

## सारांश

ह्या प्रबंधिकेंत, मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज जीवन एक नियाळ ह्या विशयाचेर अभ्यास जातलो. कोंकणी साहित्याच्या मळार 'मीना काकोडकार' हें नांव खूब म्हत्वाचें आसा आनी तांच्यानी कथा, कादंबरी, निबंद तशेंच बाल साहित्य हे साहित्य प्रकार हाताळ्यात. 'सपनफुलां', 'आमी' आनी 'दोंगर चंवल्ला' हे तांचे कथा संग्रह. तांच्या साहित्याचेर आयज मेरेन समाजशास्त्रीय, समिक्षणात्मक पद्दतींनी संशोधन जाला असो आसपाव मेळटा.

विशय मतींत दवरूनच ह्या कथा पुरतेंच मर्यादीत रावन ही प्रबंधिका पुर्णतायेन व्हेला. हो विशया वेंचून काडपा फाटलें कारण म्हळ्यार गोंय विद्यापिठांत आयज मेरेन ह्या विशयाचेर पुरायपणांत अभ्यास जावंक ना. तशेंच लेखक आपल्या कथा साहित्यांत कसले तरेचे विशय हाताळटा ते खोलायेन जाणून घेवपाचें आशिल्लें. जेन्ना हांव लेखकाच्यो कथा वाचपाक लागले तेन्ना कळून आयलें, कांय कथांचें कथा बीज खूब सुंदर आसा.

**सारगर्भ उतरां-** मीना काकोडकार, कथा, समाज, जिवन, मुल्ल्यां, मानसिकता.

# मांडावळ


| प्रकरण | विशय | पान क्रमांक |
|---|---|---|
| | प्रस्तावना | I |
| | उपकाराची उतरां | III |
| | सारांश | IV |
| | मांडावळ | V |
| 1. | **विशय प्रवेश** | 1- 7 |
| | 1.1 फाटभूंय | |
| | 1.2 हेतू | |
| | 1.3 परिकल्पना | |
| | 1.4 मर्यादा आनी आवाठ | |
| | 1.5 सोद वावराची पद्दत | |
| | संदर्भ | |
| 2. | **समाजाची संकल्पना आनी व्याख्या** | 8 – 18 |
| | 2.1 समाजाची संकल्पना | |
| | 2.2 समाजाच्यो व्याख्या | |
| | 2.3 समाज हे संकल्पनेचो उगम | |
| | 2.4 भारतीय समाज | |
| | संदर्भ | |
| 3. | **मीना काकोडकार : वळख आनी कार्य** | 19 – 24 |
| | 3.1 कुटुंबीक फाटभूंय | |
| | 3.2 भुरगेंपण | |
| | 3.3 शिक्षण | |
| | 3.4 साहित्यीक वावर | |
| | 3.5 भोवमान आनी पुरस्कार | |
| | संदर्भ | |
| 4. | **मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज दर्शन** | 25 – 51 |
| | 4.1 स्त्री-पुरुश संबंद | |
| | 4.2 लोकसंस्कृताय आनी लोकउत्सव | |

4.3 अंधविश्वास आनी रूढी परंपरा
4.4 आर्थीक वेवस्था
4.5 बदलते कुटुंबीक विचारभेद
संदर्भ
5. **मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलीं समाजीक मुल्ल्यां** **52 – 82**
5.1 कथेंतलें समाज जिवन
5.2 बदलतीं जिवन मुल्ल्यां
5.3 ग्रामीण जिवन आनी मानसिकता
5.4 कथेंत आयिल्लें बायलांचें विश्व
5.6 बाल विश्व
संदर्भ
6. **निश्कर्श** **83 – 87**
**आदारावळ** **88 – 90**
परिशिश्ट 1 : लेखिका – मीना काकोडकार हांची चित्रां 1 – 1
परिशिश्ट 2 : मीना काकोडकार हांचे कथा संग्रह 2 - 2
परिशिश्ट 3 : लेखिका मीना काकोडकार हांची जानेवारी 27 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत 3 – 6

# प्रकरण: पयलें

## 1. विशय प्रवेश

1.1 सोद वावराटी फाटभूंय

1.2 सोदवावराचो उद्देश

1.3 परिकल्पना

1.4 मर्यादा आनी आवाठ

1.5 सोद वावराची पद्दत

# 1. विशय प्रवेश

## 1.1 सोद वावराची फाटभूंय

आयज आमी उलयतात वा बरयतात ती भास फाटल्या कितल्याश्याच पिळग्यां पासून चलत येवन आयज आमकां मेळ्ळा. भास ही थीर नासून काळा प्रमाण, जायत्या प्रभावांक लागून बदलता आनी विकसीत जावन फुडले पिळगे मेरेन पावता. देखून दर एका भाशेक आपलो वेगळो इतिहास आसता. भास ही मनशांक म्हत्वाची कारण, मनीस भाशेंतल्यान व्यक्त जाता. तो आपले उमाळे मांडपाक वेगवेगळें माध्यम वापरता, तातूंतलें एक म्हणल्यार साहित्य, भाशेक जसो इतिहास आसा तसोच त्या भाशेंतल्या दर साहित्य प्रकाराक लेगीत एक खाशेली फांटभूय, एक इतिहास आसा. गोंयच्या तशेंच गोंया भायर रावपी कोंकणी मनशांनी कोंकणी साहित्यांत आपलें मोलादीक योगदान दिल्लें दिसता. कोंकणी लेखकांनी साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार हाताळ्ळयात हातूंतलो एक म्हळ्यार 'कथा' हो साहित्य प्रकार.

9व्या ते 10व्या शेंकड्या मेरेन ही भास थीर रूप धरून आसली आनी उपरांतच्या काळार कोंकणींत साहित्य निर्माण जालें. पूण पुर्तुगेज आयले आनी जें साहित्य आसलें तें ना केलें. कोंकणी साहित्याक पुनरजिवीत करपाक पाद्रिंनी लोकांच्या जिबेर घोळपी साहित्य तिगोवन दवर पाखतीर वावर केलो. दुसरें म्हणल्यार कोंकणी कथेचें मूळ रूप आमकां आमच्या लोकवेदाच्या लोक काणयांनी मेळटा.

पुंडलीक नायक हे आपल्या 'समकालीन कोंकणी लघुकथा' ह्या कथा संग्रहांच्या प्रस्तावनेंत सांगतात, 1930 च्या अदमासाक यूरोपियन शॉर्ट स्टोरी आनी भारतीय काणी हांचो संगम जावन लघुकथेचो जल्म जालो. युरोपियन शॉर्ट स्टोरीची प्रेरणा हेर भारतीय भासांक इंग्लीशींतल्यान लाभली, जाल्यार कोंकणी भाशेक ती इंग्लीशी बरोबर पुर्तुगेज आनी फ्रेंच भाशेंतल्यान लाभली. अशें तरेन ते आमची लेकवेदांतली काणी आनी पाश्चात्य लघुकथेचो मेळ घालतात. 1877 वर्सा वामन रघुनाथ शणै हांचो नल्म जालो, तांका जेन्ना कोंकणी भाशेचो दिश्टावो जालो, तेन्ना तांणी कोंकणी विशी अभ्यास करून ती गिरेस्त

करपाचें थारायलें. शणै गोंयबाबान कोंकणींत साहित्य रचना केली. आनी कोंकणी देवनागरी लिपयेंतल्यान आधुनीक कथेचे मुळावण घालून दिलें. 'म्हजी बा खंय गेली' ही तांची कथा नर्वे गाँय ह्या मासिकांतल्यान उजवाडाक आयली. उपरांत तांच्यो आनीक कथा छापून आयल्यो जश्यो 'वासशेणैली पोपाय', 'पितूबाबालो तांब्यापटो', 'बाबूमामालो पणस' आनी 'खर्णवीर'. ह्या तांच्या कर्थेतल्यान ते जिणेचें तत्वगिज्ञान सांगतात आनी झाडां-पेडांचे मानवीकरण करून तांच्यो व्यथा मांडटात. शणै गोंयबाबाचो कोंकणी कथे खातीरचो हो मुळावो वावार थारलो.

उपरांत शणै गोंयबाबाच्या वावराक प्रतिसाद दिवन, 1935 वर्सा, 'ओंबळा' हो जयवंत कुलकर्णी हांणी गोंय, कारवार आनी मंगळूर अश्या १४ कथाकारांच्यो कथा संपादीत करून संपादीत कथा संग्रह मुंबंयत उजवाडाक हाडलो. ताच्या फाटल्यान 1956 वर्सा चंद्रकांत केणी हांणी 'भूयचार्फी' हो प्रतिनिधीक कथा झेलो उजवाडायलो. '1956 ते 1961 मेरेन म्हळ्यार गोंयची सुटका जाय मेरेन 'नवे गोंय', 'साद' 'प्रजेचो आवाज', मीर्ग, 'साळीक', 'विद्या', ह्या नेमाळ्यांनी कोंकणी कथेक उत्तेजन दिले. सुमार शंबरां वयर कथा ह्या काळांत उजवाडाक आयल्यो.'' आयज लेगीत लेखक आपल्या साहित्याखातीर नेमाळ्यांक श्रेय दितात.

1961 वर्सा गोंय मुक्त जालें. आनी कोंकणी कथेची खरी वाटचाल सुरू जाली. कोंकणी कथा आशय-विशय आनी तंत्राच्या नदरेंत फुल्ली. चंद्रकांत केणी हांणी लघुकथेपरस ल्हान कथिका हो प्रकार हाताळ्ळो तांचो 'घर्तरी अजून जियेताली' (1964), उपरांत 'आशाढ पावळी', 'अळमीं', 'व्हंकल पावणी', 'कथिका', 'मेघ मल्हार', 'जंय वता थंय', 'बहुरत्ना वसुंधरा', 'कथाभारती', 'रुपां आनी रुपडीं', 'सरभरस' हे तांचे स्वतंत्र कथा झेले उजवाडाक आयले. तशेंच 'कोंकणी कथा' (1985) हो 25 कथाकारांच्या कथांचो संग्रह तांणी संपादीत केला. 'व्हंकलपावणी' ह्या तांच्या कथा संग्रहाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार लाभला.

गॉय मुक्ती उपरांत त्या काळावयल्या तरणाट्या पिळगेन कोंकणी कथेक आपल्या विचारांतल्यान आनी लिखर्णेतल्यान गती दिल्ली दिसता. हातूंतले कांय कथा लेखक म्हणळ्यार दामोदर मावजो, पुंडलीक नायक, शीला नायक कोळंबकार, मिना काकोडकार, दत्ता नायक, अच्युत तोटेकार आदी.

कोंकणी कथेचे दायज आनीक गिरेस्त करपाक कोंकणीं मोग्यांनी हेर भासांतल्यो कथा कोंकणींत अणकारून हाडल्यो. साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त हे कथा झेले आयज आमकां कोंकणींत वाचपाक मेळटात. हातूंत कर्तार सिंह दुग्गल ह्या मूळ पंजाबी लेखकाच्या कथांचो अणकार माया खरंगटेन 'चान्या रातीचो दुखांत' नांवान 2015 वर्सा केलो. रमेश लाड हाणीं 24 कथांचो संग्रह 'मोटव्यो कथा' ह्या नांवान 2003 वर्सा उजवाडायलो. प्रेमचंदाच्यो 14 हिंदी कथांचो अणकार करून एन. शिवदासा हांणी 'मंत्र आनी हेर कथा' नांवान 2014 वर्सा उजवाडायलो. तशेंच वृषाली मांद्रेकार हांणी मूळ ओडिया भाशेंतले बरोवपी प्रतिभा राय हांच्या 21 कथांचों अणकार करून 'उल्लंघन' ह्या नांवान कथा झेलो उजवाडाक हाडलो. मूळ बरोवपी रॉबीन रॉय चौधरी हांच्या कथांचो 'निकोबारच्यो लोककाणयो' नांवान माया खरंगटे हिणें 2006 वर्सा अणकार केला. फुडें सुनेत्रा जोग हिणें सुधा मुर्ती हांचो मूळ इंग्लीश कथा झेलो 'आजयेक वाचूंक शिकयतलें, आनी हेर काणयो' (2012) ह्या नावांन अणकारीत करून उजवाडायलो तशेंच सुधा मुर्ती हांच्यो बन्यांतल्यो बऱ्यो काणयो वेंचून त्यो हांगा, थंय आनी वचत थंय' (2020) ह्या माथाळ्या खाला अणकारल्यात.

अशेच आधुनीकं जीण चित्रावपी कथा लेखक म्हणल्यार, युवा पुरस्कार फावो जाल्ले हेमंत अय्या. 2017 वर्सा तांचो 'कथाकार' हो कथा झेलो उजवाडाक तशेंच नरेश नायक हांचो 'गांवमन' (2010) कथा झेलो आयलो. तांका 2014 वर्साचो साहित्य अकादेमीचो युवा साहित्य पुरस्कार तशेंच 2023 वर्साचो युवा साहित्यीक पुरस्कार फावो जाला. संजय बोरकार 'मंगळसुत्र' (2011), प्रितेश परसाई 'प्रारब्ध' (2012), सतीश दळवी 'सुजाता' (2014), उल्हास प्रभू नास्नोळकार 'भावतरंग' (2016), गोरख शिरसाट हांच्या कथेंत सावड्ड्या गांवांतले जिवीत दिसता 'ब्लॉक' (2022) ह्या कथा झेल्यांत

दिसता. तशेंत तन्वी कामत बांबोळकार ही 'शॉर्टस' (2023) ह्या कथा झेल्यांत कथुली हो प्रकार हाताळटा. हे कांय आयच्या पिळगेंतले नवोदीत कथाकार.

कोंकणी कथेची वाट सुगूर करताना, आयज कोंकणी साहित्यीका मर्दीं हुस्को दिसता तो म्हणल्यार, कोंकणी कवितेच्या मळार जशें पायलेक 25 कथाकार मेळटा तशेंच कथेंत मेळप खूब कठीण आनी देखून कथेचे मळ पडींग पडचें न्हय, नवे आशय-विशय घेवन कथाकार जल्माक येवचे म्हण हालींच साहित्य मंथन सत्तरी आनी कोंकणी भाशा मंडळ हांच्या जोडपालवान 2022 वर्सा 'कथां लेखन कार्यशाळा' घडोवन हाडली जातूंत नवोदीत कथा बरोवप्यानी वांटो घेतिल्लो. तांका स्वता दामोदर मावजो, वसंत सावंत आना प्रकाश पर्वेकार ह्या कथाकारानी मार्गदर्शन केलें. उपरांत ह्याच हुसक्यान 2023 गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी अध्यन शाखेन 'पयलें युवा कथा साहित्य संमेलन' घडोवन हाडलें. जातूंत सुमार वीस कथा लेखकानी बांटो घेतिल्लो.

अशें तरेन वयर आयज मेरेनच्या कोंकणी कथेंत कोंकणी लेखकांनी केल्लो म्हत्वाचो वावराचो दिश्टावो जाता. आमच्या लेखकानी आमच्या भोंवतणेचे विशय हाताळून एकंदर कोंकणी समाजाक कथेंत पडबिंबीत केलो. काळ बदल्लो तसो नव्या जाणिवेच्यो, आशय आनी विशयाच्यो कथा कोंकणींत आयिल्ल्यो दिसतात. आयज मेरेचो कोंकणीचो प्रवास पळयल्यार ह्यान फुडें कोंकणी कथा अशींच फुडें सरत रावतली हातूंत दुबाव ना.

## 1.2 सोद वावराचो उद्देश

समाजीक जिणेंची वळख जातली, समाजीक मुल्ल्यां अभ्यासप, समाज हो कशें तरेन म्हत्वाचो वांटो थारता हांचेर चर्चा, मीना काकोडकार हांच्या साहित्याच्या खाशेल्या आंगांचेर उजवाड घालप जातलो, मीना काकोडकार हांच्या साहित्याचेर खोलायेन अभ्यास करप, एक बायल लेखिका कशें तरेन आपली

संवेदनशिलता आपल्या लिखाणांत मांडटा हाचो बोद घेवप. मीना काकोडकार हांच्या कथा साहित्या विशी वळख जातली.शिक्षित आनी अशिक्षित समाजाचें दर्शन जातले.

## 1.3 परिकल्पना

समाज ह्या विशयाचेर खोलायेन अभ्यास जावपाची गरज आसा, समाजांत चलपी विचारसरणेंक लागून सर्व सादारण मनीस आनी ताचेर जाल्लो परिणाम हांचेर विचार करपाक जाय, तशेंच समाज कित्याक म्हत्वाचो थारता हें जाणून घेवपाक जाय, आपलो सैम आनी संस्कृतायेचो म्हत्व पटोवंन घेवपाक जाय, समाजीक विचार सरणी हाचो बोद घेवपाक जाय, लोकसंस्कृताय तिगोवन दवरपाक जाय, ह्या सोदवावराचो वापर विद्यार्थ्यांक मदी जावपाक आदार जातलो. आनी समाजशास्त्राची वळख विद्यार्थी मदी निर्माण जातली.

## 1.4 मर्यादा आनी आवाठ

मीना काकोडकार साहित्यकान साहित्याचे वेगवेगळे साहित्य प्रकार केळयल्यात. प्रस्तूत सोदवावर तांच्या कथा साहित्य प्रकाराचेर जातलो. संशोधनांत चड भर समाज जिवन, अस्तुरी प्रतिमा, बदलती मुल्या आदी आनी मीना काकोडकार हांच्या कथेचे साहित्यीक घटकाच्या आदारीत आसतले. तांच्या कथेंतलें समाज जिवन मांडटना लोक, साहित्य आनी लेखक हांचें नातें सुसंबंदीत कशें दिसता ताचेर खोलायेन अभ्यास जातलो. कथेंतले प्रस्न, संघर्श, पात्रांची मानसिक्ता ह्या आंगांनी अभ्यास जातलो. तांचो कोंकणी कथेंच्या मळार योगदान ही विशयाची व्याप्ती जातली. तांच्या कथेंतलीं भाशीक खाशेलपणां, तांचे कथानक मांडपाची पद्दत, वातावरण, निवेदन शैली, म्हणीचो खोलायेन अभ्यास जातलो.

ह्या अभ्यासा खातीर निवडिल्ले कथा संग्रह म्हळ्यारः दोंगर चंवरला, आमी आनी सपनफुलां ह्या तीन कथा संग्रहांच्या आदारान कथेंत समाज जिवन कशें चित्रीत जाला हांचेर समाजीक नदरेन खोलायेन अभ्यास जातलो. आनी हीच म्हज्या सोदवावराची मर्यादा आसतली.

## 1.5 सोद वावराची पद्दत

समाजशास्त्रीय संशोधन पद्दत, वर्णनात्मक संशोधन पद्दत, मुलाखत.

## संदर्भ


1. मावजो, दामोदर. *कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय*. कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.
2. वेरेंकार, श्याम. सरदेसाय, माधवी. म्हाळशी, कमलाकर. *(संपादक) कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृती*. मडगांव गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.
3. नायक, सुशांत. *कथामंथन सिध्दांतीक आनी इतिहासीक विवेचन*. कवळें, फोंडें-गोंय: सानवी प्रकाशन, 2018.
4. मंगळवेढेकर, राजा. *कथा आणि कथाकथन*. 430/31 शनिवार पुणे 30: साधना प्रकाशन, 1971.
5. जोशी, सुधा. *कथा: संकल्पना आणि समीक्षा*. खटाववाडी, गिरगाव, मुंबई: मौज प्रकाशन गह, 2000.
6. कोंकणी विश्वकोश खंड- 1. *कथा*. गोवा विश्वविद्यालय. ताळगांव- गोंय. पान क्र. 345.

# प्रकरण: दुसरें

## 2. समाज: संकल्पना, व्याख्या आनी भारतीय समाज

2.1 समाजाची संक्लपना

2.2 समाजाची व्याख्या

2.3 भारतीय समाज

2.4 समाज- उगम

# 2. समाज: संकल्पना, व्याख्या आनी भारतीय समाज

## 2.1 समाज : संकल्पना

"समाज ही एक वेवस्था. हे वेवस्थेचो मनीस हो केंद्रबिंदू. जल्म ते मरण मेरेन मनीस जिवनांत मानवी संस्कृतायेंत विवीध रिती- रिवाज आसात. समाजा भोंवतणचे सैमसृश्टींत म्हत्वपूर्ण घटना घडटात. मनशान निर्मीत आनी सैमीक घडणुकांचो मनशाचेर वेगवेगळ्या तरेन परीणाम जायत आसता."[1]

समाज हो एक व्यापक गट, म्हळयार तो हेर खंयच्याच गटाचो उपसमुह न्हय. हो व्हड गट ल्हान ल्हान गट आनी ताच्या भितरल्या उपसमूहांचो आसता. तातूंत जायत्या ल्हान व्हड समाजांचो आस्पाव जाता. दर एक समाज तुळेन स्वावलंबी वा स्वावलंबनशील आसता, म्हळयार समाजांतल्या लोकांची उदरनिर्वाहाची गरज भागोवपाखातीर तो समाज संघटीत केल्लो आसता. कुटुंब, अर्थ, धर्म, शिक्षण, राज्य अशो वेगवेगळ्यो समाजीक संस्था हीं समाजाच्यो वेगवेगळ्यो गरजो भागोवपाची यंत्रणा.पिळगे पिळगेक आपलें अस्तित्व तिगोवन दवरपाची तांक समाजाक आसा. हाचो अर्थ समाज स्वताक सांबाळपी. समाजांतले व्यक्ती जल्माक येतात आनी मरतात; पूण समाजीक वेवस्था अखंड उरता. दरेक पोरनी पिळगी समाजीकरण आनी शिक्षणांतल्यान त्या समाजाचें जिवीत जगपाक नव्या पिळगेक शिकयता. दरेक व्यक्तीची सविस्तर वळख आसल्यार समाजाविशीं म्हायती मेळना. दर एका समाजांतल्या लोकांक एकचाराची भावना आसता. दर एका समाजांतल्या लोकांक आपूण एक आनी हेर समाजा पासून वेगळे अशें दिसता. समाजाचें स्वतंत्र अस्तित्व तिगोवन दवरपाखातीर तशेंच ताचो संघटीत स्वभाव तिगोवन दवरपाखातीर अशी एकचाराची भावना गरजेची आसता.

सद्याचे जागतीकीकरणाचे प्रक्रियेक लागून समाजाची मर्यादा, अस्मिताय आनी अस्तित्वाक जायत्या तरांचे धक्को सोंसचे पडटात. जागतीकीकरणाच्या ह्या प्रवृत्तीक लागून महाशक्ती, वेपारीवाद आनी भांडवलशायेच्या उदयाक लागून थळाव्या उत्पादकता, कामगार बळ आनी संस्कृतायेंत आमूलाग्र बदल जावपाक लागल्यात. संवाद साधनां आनी माध्यमांक लागून सगळो संवसार एका पांवड्यार

पावला. थळावी भास, संस्कृताय आनी लोक जिणेच्या निकशा प्रमाण समाजाची व्याख्या करप आतां कठीण जालां. रणजीत गुहा सारक्या समाजशास्त्रज्ञांनी 'उपअध्ययन' कोटिकमाची चौकटी मुखार दवरून वंचित, किनारी आनी परिधीय आदिवासी, गरीब शेतकार आनी मजूर हांच्या समाजाचो वेगळो इतिहास आसचो अशें सुचयलां. एकूणच एकविसाव्या शेंकड्यांत समाजाची संकल्पना द्रवीड उरतली आनी तिची व्यापक व्याख्या करप शक्य जावचें ना.

प्रस्थापीत विचारधारा आनी ते विचारधारेक तोंड दिवपाचो प्रयत्न समाजांत सतत जातात. नव्या विचारांच्यो आनी आचारांच्यो नव्यो पद्दती समाजांत रुजवणेंत येतात. कालांतरान तातूंत बदल घडून येता आनी शाश्वत तेंच समाजांत मूळ धरून उरता. देश, प्रदेश, वाठार, गांव, घर हांचे भितरल्यो आंतरीक सिमा- रेशा बदलत आसतात. धर्म, जात, समाज आनी भाशा हांकां लागून समाजाक एक वेगळेंपण आनी खाशेलपण फावो जाता.

'समाज' अशें म्हणटात तेन्ना 'समाजांतले लोक' अशें अभिप्रेत आसता. तशेंच 'संस्कृताय' म्हणटात त्या वेळार 'लोकांचें वर्तन' असो ताचो अर्थ जाता. समाज सहज वळखुपाक येता. कारण ताचें भितरले आनी भायले आंग विशिश्ट विशेशतायांनी भरिल्लें आसता. हो लोकसमूह पुरातन आसूं येता. भटको विमुक्त वा एका विशिश्ट पारंपारीक वेवसाया कडेन नातें सांगपी आसूं येता. 'समाज' ही एक म्हत्वाची संकल्पना. भारतीय समाज, हिंदू समाज, कुणबी समाज, गम्रीण समाज, आदिवासी समाज अशें तरेन 'समाज' हें उतर वेगवेगळ्या

अर्थांनी वापरतात.

## 2.2 समाजाच्यो व्याख्या

"Society is a web of social relationships" – MacIver

समाज हें समाजीक संबंधांचें जाळें जावन आसा जंय मनीस एकामेकांचेर समाजीक संबंधावरवी अवलंबून आसा.

"It is not the group of people, it is a system of relationship that exits between the individuals of the group." – Rayt

रायट हांणी मनशाच्या आंतरसंबंदांक म्हत्व दिल्लें आसा. समाजान समानतायेचे गुणधर्ण आस्पाविल्ले आशिल्ल्या कारणान समाज एक विशीश्ट वळख घेवन मुखार वता.

" A society is a group of people who share a culture and think of themselves as united." – Dressler and Wills

समाज हो समान संस्कृताय आशिल्लो आनी आमी सगळे एक हो सदाकाळ मंत्र दिवपी फांटो जावन आसा. ही व्याख्या समाजाच्या एकाच घटकाक धरुन आदारिल्ल्यान समाधानकारक ना अशें म्हणपाक जाता.

'It is not a group of people, it is a system of relationship that exists between the individuals of the group.' समाजाची ही व्याख्या रायट हांणी केल्या. हांगा मनशाच्या आंतरसंबंदांक म्हत्व दिल्ले आसा. 'समाज' हो फकत मनशाचो पंगड वा चोंबो न्हय. एका परस ज़ड व्यक्तींचो आसपाव ह्या पंगडांत जाता आसलो तरी त्या समाजांतल्या व्यक्ती मदीं जायते समानतायेचे गुणधर्म आसपाविल्ले आसतात. एका परस चड आशिल्लीं समान सुत्रां आनी तांचे भितर उपजत आशिल्ल्या बऱ्या वायट गुणांक लागूनच तो समाजां पासून वेगळो थारता.

'The persons, collectively considered, who live in any region or at any period; any community of individuals who are united together by a common bond of nearness

or intercourse; those who recognise each other as associates, friends, and acquaintances.'

समाज ही एक अशे तरेची वेवस्था जंय मनशाचे परस्पर संबंद आनी सहयोग प्रस्थापीत जाल्ले आसतात. एका विशिश्ट काळांत खंयच्याय एका प्रदेशांत राबितो करून रावपी ह्या लोकपंगडांत भौशीक आपलेपण आसता. वांगडी, इश्ट आनी वळखीची व्यक्ती अशें आपसांतलें नातें हांगा म्हत्वाचें आसता.

धर्म, वंश, वर्ण, जात, पोटजात, बोलीभास, पारंपारीक वेवसाय, घरां, जेवणखाण, भेस, चालीरिती, नितीमुल्यां, लोकउत्सव, श्रध्दा, अंधश्रध्दा, सामुहीक वर्तन, राबित्या खातीर वेंचिल्लो वाठार अशे कांय समान धागे तांचे भितर आसतात. हे नदरेन जे एफ गिलानी हांची व्याख्या म्हत्वाची दिसता. ते म्हणटात: 'A society is the largest relatively permanent group of people who are common interest, common territory, common mode of life and a common, "esprit de crops' or" belongingness' whereby they distinguish the myselves from outside.'

(समाज म्हळ्यार बाह्य जगता पसून स्वताक जाच्या आधारान वेगळो करपाक जाता असो सामुहीक उद्देश, सामुहीक भू-भाग, सामुहीक जिवनपद्दत आनी सामुहीक आत्मीयताय आनी भावनेंतल्यान सहभागी जावपी व्यक्तींचो व्हडांत व्हड चिरकालीन आसपी समूह म्हणल्यार समाज.)

विशिश्ट वाठारांत रावपी लोकपंगड दीसपट्ट्यो येवपी अडचणी आनी संभाव्य धोक्यां पासून आपल्या समाजाक सुरक्षीत दवरता. परकी धर्म, जात आनी हेर लोकसंस्कृतायेच्या संपर्का पसून आपल्या समाजाक ते आडावन दवरतात. आपल्या समाजांतल्या व्यक्तीं खातीर आशिल्ले नियम आनी अटी हातूंतल्यान ते समाजहीत राखतात. हे नदरेन फुडली व्याख्या म्हत्वाची थारता. 'People in general

living together in organised communities, with laws and traditions, controlling the way that they behave towards one another.'

ग्राम वा नगर म्हणटकच अठरा पंगड जाती मेळून हेरांक तातूंत स्थान नासतालें. जण एका धंद्यानी स्वतंत्र जात आसून त्या जातींचो गांव जातालो. जण एकली जात ही आपआपल्या धंद्याची वतनदार आसताली. जाका 'वृत्ती' म्हणल्यार वतन ना असो मनीस गांवांत हक्कान रावपाक शकनासलो. हेर गांवांतलो कोणूय बेकार आर्य मनीस गांवांत रावपाची इत्सा व्यक्त करता आसत जाल्यार गांवांतल्या वृत्तीवंतांची म्हणल्यार वतनदारांची ग्रामसभा आपोवन तांणी एकमतान- भोवमतान न्हय- परवानगी दिली जाल्यार ताची स्थापना गांवांत जाताली तिवूय उपरी म्हण. उपरीचो मिराशी म्हणल्यार पिढीजात ग्रामस्थ जावपाक खूब पिळग्यो वचच्यो पडटाल्यो.

**2.3 समाजाचो - उगम**

समाजशास्त्र हें आधुनीक शास्त्र जावन आसा. जरी ताची सुवात 17व्या शेकड्याच्या सुरवातीक जाली, तरी समाजाचो इतिहास हो प्राचीन काळासावन अस्तित्वांत आसा. जेन्ना आमच्यो सगळयांच्यो गरजो एक हें मनशाक कळळे, तेन्ना मनीस एकठांय आयलो आनी समाजाची निर्मिती जाली. उपरांत मनशान समाजाखातीर मुल्ल्यां तयार केलीं. काळ, परीस्थिती बदलत गेली आनी उदरगती सयत मनीस लेगीत बदलत गेलो. पूण जीण जगपा पासत समाजाचीं गरज आसा हो विचार बदललो ना. एकंदर, काळाप्रमाण मनशान जगप बदल्लें पूण सामाजीकताये कडेन एकनीशठ रावलो.

प्राचीन काळासावन साबार विचारवंतानीं मानवी समाजाचो अभ्यास करुन आपल्या पुस्तकांनी मांडला. ग्रीक तत्वज्ञानी प्लेटो (इ.स.पूर्व 427 ते 347) हांणे आपल्या 'Republic' ह्या ग्रंथान तात्कालीन समाज जिवनाचो विचार नागरी समुदायाच्या संदर्भांतल्यान मांडला. रोमन विचारवंत सिसरो हांणे 'De

office' ह्या ग्रंथान राजशास्त्र , कायदो, तत्वगिन्यान आनी समाजशास्त्र ह्या सगळ्या विशयांचेर विस्तृत चर्चा केल्ली आसा. त्या भायर भारतांत वेद, उपनिषद, पुराणां, रामायण, महाभारत, मनुस्मती आदी धार्मीक ग्रंथानी मानवी समाज जिवनाचेर चर्चा केल्ली आसा. मनशान समाजीक वर्तन हांगा स्पश्ट जाता. देखून मानवाच्या परस्पर संबंधांचो अभ्यास करपी शास्त्र अशें आनी समाजशास्त्राक म्हणटात.

जेन्ना आमी समाजशास्त्राक शास्त्र अशें म्हणटात, तेन्ना तो एक विज्ञानीक दृश्टीकोन जाता. विशयाकडेन खंयच्या दृश्टीकोनांतल्यान पळोवचें हाची जाणीव शास्त्रांतल्यान फाव जाता. समाजशास्त्र ही संज्ञा सगळ्यान पयलीं ऑगस्त कॉम्त ह्या फ्रेंच तत्वज्ञान ताच्या 'Positive Philosophy' ह्या ग्रंथान 1839 वर्सा वापरली. तांकांच समाजशास्त्राचो जनक अशें म्हणटात. 'Sociology' हो इंग्लीश शब्द 'Socious' ह्या लॅटीन आनी 'logos' ह्या ग्रीक भाशेंतल्यान शब्दांसावन तयार जाला.

जेन्ना शास्त्र ही संकल्पना आमी वापरतात, तेन्ना शास्त्रान सत्य गरजेचें आसता. अर्थात, ती गजाल सदांकाळ आनी सगळ्या परिस्थितीत उपयोगी थारता. तशेंच तें शास्त्र स्थीर रावंक शकना. तें न्हंयवरी व्हांवत रावता.

समाजशास्त्र ह्या सगळ्या गजालींक घेवन मुखार वता. समाजाचें मन, मनाचो थाव आनी समाजाच्या दिसपट्ट्या वागणूकेचो अभ्यास ह्या शास्त्रान जाता. ह्या शास्त्रा अंतर्गत समाज, समाजीक जीवन, समाजीक घटना, समाजीक संस्था, समाजीक संबंध ह्या संज्ञांचो अभ्यास जाता. समाजशास्त्राचो अभ्यास हो मनशान प्रवाहीक केल्ल्या प्रस्थापीत आनी तात्कालीन संबंधांचे अध्ययन करपी जावन आसा. हें शास्त्र व्यापक तशेंच भोवआयामी जाल्ल्यान रितींचो, नितींचो अभ्यास हांगसर जाता. समाज मुखार वतलो, समाजाक वळण लागतलें आनी समाजाक आपलें अस्तित्व टिकोवन दवरपाक जाय जाल्यार समाजाचो शास्त्रीय पध्दतीन अभ्यास जावप गरजेचें आसा, तेन्नाच हें समाजाच्या निर्मणे फाटलें सत्य मुखार वतलें.

## 2.4 भारतीय समाजाची संकल्पना

भारतांत 29 राज्याच्यो भासो 29 भासो आसा, त्या भायर तांचे वेगवेगळे धर्म, समाजाचे वर्गीकरण जाल्ले पळोवंक मेळटा. उच्च वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग. हो भेद जातीच्या मळार पळोवपाक मेळटा, हो भेद भास, राज्य ह्याय मळार पळोवपाक मेळटा, विचारांनी भेद दिसता, जाती भेद, लिंग भेद तशेंच ग्रामीण आनी शारांतले जिवीत हातूंत लेगीत भेद जाल्लो मेळटा. दोन राज्य एकठांय येता जशें परी दक्षिण भारत आनी दक्षिण भारत तांचो समाज एक येतना तांच्या मदी भेद. हांगसर नात्याक खूब म्हत्व आशिल्ले दिश्टी पडटा जें आमकां युरोपियन परंपरेन पळोवंक मेळना.

जाती वेवस्था चड प्रमाणांत आमकां पळोवंक मेळटा ते म्हळयार हिन्दू समाजांत. गोंय पुरते जर भारतीय नदरेन पळयल्यार क्रिस्तांव आनी मुस्लमान हांचे मदी दिसता. सकाळ फुडे न्हावप हे ब्राम्हण समाजाकडल्यान घेतला. तशेंच ते हेर लोकानीय आपणायला. शेती करपी लोक मांजे न्हातालो. सकाळ फुडे तुळशीक उदक घालप.

ब्राम्हण हांका देवळांत देवाऱ्यांत वचून पुजा करपाक पुराय हक्क आसता पूण हेर समाजाक तो आसना. तशेंच व्हावत्या उदकांत न्हावप हेय भारतीय समाजांत म्हत्वाचे. जंय जाती भेद पध्दत आसता थंय बसपाक लेगीत एक एक पध्दत आसता. भाटकारा मुखार मुंडकार वयर बसचो ना तो सकयल बसतलो. बसपाची लेगीत पध्दत वेगळी आसता, ते सदांच उकणे बसतात. जाती प्रमाण वागपय जाता.

घराक पळयत जाल्यार लेगीत वेवस्था दिसता, बायल सकयल दादलो वयर हे दिसता. बायल लग्न जावन दादल्यागेर वयता, दादलो बायलेगेर वयता हे खूब कमी प्रमाणांत पळोवंक मेळटा.

चली लग्न जावन येता तेन्ना घरांतल्या ल्हान ल्हान चल्यांक वा देराक वा व्हड दादल्याक म्हत्व दिवपाक जाय, तांचो मान राखपाक जाय, तांका आदर करपाक जाय. एका समाजांतले लोक त्याच समाजांतल्या चलयेकडेन लग्न जातात. जशें की देसाय देसायाकडेन जातात. तातूंत लेगीत वयर सकयल आसता. पूण चली सकयल्या जातीची आनी चलो वयल्या जातीचो आसपाक जाय.

भारतीय समाजदेवाक मानता तसोच नशिबाक मानता. नशीब आनी देव ही सामकी म्हत्वाची संकल्पना. जल्म तें मरणा उपरांतूय विधी म्हत्वाच्यो आसता. जल्मा उपरांत बारसो, लग्न हे सगळे म्हत्वाचे. लग्न आवय- बापूय ठरयता. आवय- बापायन लग्न ठरवप ही प्रथा म्हत्वाची. मरणां उपरांत क्रिस्तांव समाजांत मीस आसता. समुह म्हत्वाचो, तातूंत पयली कुटूंब येता. तूं कोण? नात्यांचे जाळे पळयता. जती पळयता. ब्राम्हणांत लेगीत कितलीशीच नाती येतात, पोट जात म्हत्वाची आसता. धर्म सामको म्हत्वाचो. समाजांत हजारांनी जाती येता, वर्ण येता. समाजाच्या पारंपारीक व्यवसायाचेर जाती ठरता. जातींचेर लग्न ठरता. वयल्या जातीचे जेवण हेर जातीचे लोक करना. हातूंतल्यान तांची जात कळटा. रावपाची तरा, कपडें, अलंकार हातूंतल्यान जात कळटा. हे सगळे म्हत्वाचे. कोणूय जर तर जातीचो नेम मोडटा जाल्यार ताका कायमचो वा काळा पुरतो जातीभायरो करता वा घालपाचो हक्क जातीच्या मुखेल्याक आसता. वर्ग म्हत्वाचो ठारता. उच्च वर्ग, मध्यम वर्ग आनी सकयलो वर्ग. वर्गा प्रमाणे रावप हे म्हत्वाचे. आता मात्सो बदल दिसता शहरी जिवीत दिसता.

### 2.4.1 भारतीय समाज वेवस्था

वेवस्था ह्या संज्ञेचो अर्थ आमी सदचे जिणेंत वापरतात तोच हांगाय वापरचो पडटलो. ह्या शब्दाचो अर्थ आमी दिसपट्टे जिणेंत जोडपा वा गरजे पुरती रचना ह्या अर्थान घेतात. देखीक, जेन्ना आमी खंयच्या मनशाक विचारतात, “तूं मुखार शिक्षण घेता तेन्ना पयशांची वेवस्था कशी करतलो?” , तेन्ना आमकां ह्या प्रस्ना दोन गजाली दिसतात. पयली म्हळ्यार, शिकप म्हत्वाचें आसा. आनी दुसरी म्हळ्यार शिक्षणा पासत पयसो लागतलो ही गजाल आदींच खबर आसा. हाचोच अर्थ, ज्यो गजाली थारायिल्ल्यो आसातात, तांकांच उध्देशून वेवस्था आसता. वेवस्था सारकी जाली ना जाल्यार आडखळ निर्माण जावंक शकता. देखून जाणीवपुर्वक वेवस्था जावप म्हत्वाची आसता.

जेन्ना एखादी गजाल पुराय करपाक थारावीक क्रिया सगळे मनीस सारक्याच पध्दतीन वर्सान वर्स तश्याच पध्दतीन करतात, तेन्ना ताका उध्देशून लेगीत वेवस्था ही संकल्पना विचारांत घेवपाक जाता. प्रत्तेक घटक पुराय वेवस्थे कडेन एक कार्यान जोडिल्लो आसा. हें कार्य समाजीक पांवड्यार म्हत्वाचें आसा. कारण साबार क्रियाशील मनीस एकठांय येवन ही वेवस्था घडयतात.

## 2.4.2 सामाजीक नेम

वर्तनाचेर मर्यादा घालपा पासत समाजान नेमांची गरज आसता. हे नेम सामाजीक गरजांची पूर्ती करतात. मनशाच्यो गरजो भागोवपा पासत साबार गट समाजान निर्माण जातात. दर एकलो समाजान आखूंक दिल्ल्या नेमां प्रमाण वागता. जर नेम नाशिल्ले जाल्यार समाजान सुसुत्रता उरची नाशिल्ली. दर एकलो आपणाक जाय तसो वागपाक लागिल्लो जाल्यार समाजरचना काबार जातली आशिल्ली. देखून एकठांय येवन समाज जिवन जगपाक हे नेम गरजेचे आसात. हे कांय नेम म्हळयार लोकाचार, लोकनिती, रूढी, कायदे, संस्कार, विधी, शिश्टाचार आदी. सामाजीक विचारधारेंतल्यान प्रत्तेक मनीस घडटा. ही विचारशक्त तो भोंवतणच्या वातावरणांतल्यान आत्मसात करता. हातूंतल्यान मनीस शिक्षीत जाता. पूण हे नेम प्रामुख्यान संबंधात्मक आनी नियंत्रणकारी अश्या दोन प्रकारचे आसतात. देखून ह्या नेमांचें स्वरूप आदार्शात्मक आसलें तरी वास्तवीकतायेक धरून ह्या नेमांची बांदणी जावप म्हत्वाची आसता. जेन्ना जेन्ना समाजान परिवर्तन येता, तेन्ना तेन्ना हे नेम बदलत तितलेच गरजेचे आसा. दरेक पिढी एका वेगळ्या विचारांतल्यान मुखार वता. देखून त्या त्या काळाप्रमाणे ते ते विचार आपणावप गरजेचे आसा. काळ, थळ खंयचेय आसलें तरी नेमांचें पाळप हें समाजान रावपी कोणाकूच चुकना. समाजान ह्या पासत भोवमानात्मक तशेंच दंडात्मक येवजण लेगीत करून दवरल्या. देखून समाजाच्या दरेका क्रियेंत सामाजीक नेमांक म्हत्वाची आनी विशिश्ट सुवात आसा.

## संदर्भ


1. पर्येकार, डॉ. प्रकाश. गोंय विद्यापीठांत सादर केल्लो, *महाबळेश्वर सैल हांच्या कादंबऱ्यांचें समाजशास्त्रीय अध्ययन*. प्रबंध, ऑक्टोबर 2014.
2. भांडीये, गौरांग. गोंय विद्यापिठांत सादर केल्ली " *विष्णू सुर्या वाघ हांच्या वेंचीक कोंकणी नाटकांचो समाजशास्त्रीय अभ्यास*. प्रबंधिका, मे 2022.
3. फेर्नांडीस, फातिमा. गोंय विद्यापिठांत सादर केल्ली, *मीना काकोडकार हांच्या 'सपनफुलां' आनी 'आमी' ह्या कथासंग्रहांतलें समाजदर्शन*. प्रबंधिका, एप्रिल 2016.
4. मायी, डॉ. सुनील. *समाजशास्त्राची ओळख*. पुणे- महाराष्ट्र; डायमंड पब्लिकेशन, मे 2008.
5. वेरेंकार, श्याम. *(संपा)कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. मडगांव-गोंय; कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003.
6. बेहरे, सुमन. *समाजिक विचारवंत*, नागपूर, 2002.
7. साळुंखे, सर्जेराव. *समाजशास्त्रातील मूलभूत संकल्पना*. पुणे, 2003.
8. मावजो, दामोदर. *कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय*. कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.
9. https://jcmephc.blogspot.com/p/blog-page_78.html?m=1

## प्रकरण: तिसरें

### 3. लेखिकेची वळख आनी कार्य

3.1 कुटुंबीक फाटभूंय

3.2 भुरगेंपण

3.3 शिक्षण

3.4 साहित्यीक वावर

3.5 भोवमान आनी पुरस्कार

# 3. लेखिकेची वळख आनी कार्य

## 3.1 कुटूंबीक फाटभूंय

मीना काकोडकार हांचो जल्म पाळोळे ह्या गावांत काणकोणच्या गायतोंडे घराब्यांत जाल्लो. तांच्या आवयचें नांव श्रीमती मूकुद कामत आशिल्ले पूण असोळण्या लग्न जाल्या उपरांत ती हिराबाय दुर्गा गायतोंडे जाली आनी हिराबाय म्हूण वळखूंक आयली. तांच्या बापायचें नांव दुर्गा गायतोंडे आशिल्ले. ते इलॅक्ट्रीकल इंजिनियर आशिल्ले तशेंच तांकां चित्रां काडपाची खूब आवड आशिल्ली, त्याच बराबर ते लेखनूय करताले. मीना काकोडकार हांची आवय ही एक मासिकांत बरोवप करताली. तांच्या आज्याचें नांव कृष्णा गायतोंडे आशिल्ले आनी आजयेचें नांव रूक्मिणी गायतोंडे आशिल्ले. घरांत मीना ही एकलीच चली आशिल्ल्यान तांका तांच्या घरच्या कडल्यान बरेवपाक जाय तशें प्रोत्साहन आनी तेंको मेळिल्लो, देखून तांका साहित्य रचपाक तेन्ना आदार मेळ्ळो आनी तोखणाय लेगीत मेळ्ळी. तांच्या घरच्यांची तांका कसलीच आडखळ आयली ना. तशेंच मीनाची आजी आपली कला वापरून चिकडमातयेंच्यो ल्हान मुर्त्यो करताली.

कलाकृतीक ल्हानपणा पासून तांच्या घरांतूच तांका पोसवण मेळिल्ली आसा आनी घरांत वाचनाचे आनी बरोवपाचे वातावरण आशिल्ल्या कारणाक लागून तिच्या लिखाणाच्या वावराक बरी पोसवण मेळ्ळी. तांचे लग्न सुरेश काकोडकार हांचे लागी जाले. तेवूय प्रकाशन तशेंच लिखाणाचो वावर करताले. तांका दोन पूत आसात तिच्या व्हडल्या पुताचें नांव मनगिरीश आनी दाकल्या पुताचें नांव योगेश काकोडकार.

## 3.2 भुरगेंपण

मीना काकोडकारांचो जल्म 21 सप्टेंबर ह्या दिसा काणकोण वाठारांतल्या पाळोळ्यां ह्या गांवांत जालो. कामाक लागून तांच्या बापायची बदली पणजे आनी मडगांव शारांत जाली. " तांचे सुटयेंत काणकोण तांच्या गांवांत वचप जाताले. थंय गायतोंडे वाड्यार ती रावताली. थंय भुरग्यांचे वाचप बरोवपाची

नाटकुल्यांची तोखणाय खूब जाताली. तांच्या वाड्यावयली भुरगीं एकठांय येवन नाटकुली करताली. रामायण, महाभारत, शिवाजी वा हेर काणयांचो आदार घेवन एक नाटकुले तयार करप जाताले. सगळीं थंयसरली भुरगीं मेळून तें बरयताली. तांच्यानीच बसोवप आनी तांच्यानीच सादर करप. तांच्या नाटकांक दोन आण्याच्यो तिकेटी लायताले आनी गांवचे सगळे मेळून, जाणटें नेणटें ह्या नाटकाक येताले. कांय जाण दोन आण्या परस चड दिताले तें पयशें जमोवन ती पुस्तकां विक्ती घेताली. वाड्यावयल्या घरच्या वावप घराक भेट दिताली. आपल्या पयश्यांनी पुस्तकां घेवप ही तांच्या खातीर खूब अभिमानाची गजाल आसताली."

"ल्हान आसतना तांच्यानी बरयिल्ल्या निबंधांची घरांत खूब तोखणाय जाताली. आवय तांकां ल्हान आसतना काणयो सांगताली आनी तिच्या काणयांचो प्रभाव पडून मीना बरोवपाक लागली. तांचो बापूय चित्रां काडटालो आनी जेन्ना ती गांवांत वता तेन्ना ती फातोडेर उठून रानांनी वताली. थंय शेवण्यांचो निकतोच चिंवचिंवपाचो आवाज आनी बळान्यो उडटाल्यो, माकड उठून उड्यो मारताले. सैम, रैन निकतेच उठिल्ल्या वरी आसताले आनी अशें तरेन हो सोबित सुंदर सकाळचो दृश्टावो रानांनी पळोवपाक मेळटालो. तशेंच दर्यावेळो खूब नितळ आसताल्यो. दर्या देगेर ती ल्हान कुल्ल्यो धरताली, रेंवेंत खेळप रांपणकार रांपणी ओडटाले तेन्ना खूब नुस्तें कशें धरतात, ओडटा, उडयता हें सगळें तांकां पळोवपाक मेळटालें."

"ल्हान मीना आनी तांचो बापूय कोबाले धरताली. तांकां जाळयेच्या पांजऱ्यानी दवरुन बापूय तांचे चित्र काडून तातूंत रंग भरतालो. तांच्यानी ती सगळीं फुलपाखां एका साडयेर चित्रायली आनी ती भेट म्हण तांकां दिल्ली."

कथा बरोवपा कडेन कशी पावली ताचे विशी सांगतना लेखिका सांगता "आमच्या घरांत जावा आशिल्ली ल्हानपणा पासून ती तांकां सांबाळटाली तेन्ना ती तांकां काणयो सांगताली. त्यो काणयो मातयेक जुळून आसताल्यो. तिच्या काणयांनी देंवचाराची वर्णना आसताली. ती त्यो खूब काल्पनिक्तायेन सांगताली. उपरांत ती तिच्यो काणयो आनी तांची काल्पनित्ता हाचें मिश्रण करताली

आनी शाळेक येतना वतना त्यो काणयो ती आपल्या अरूणां ह्या इश्टिणीक सांगताली. हाचे वयल्यान तांकां जें कितें सांगपाक जाय हाची बिजां मनांत किल्लताली" ते भायर मनाच्या संवेदना विशी सांगतना ती म्हणटात "अरूणागेर एक कीर आसलो तो पांजऱ्यांत गुंवडायो मारतालो. तें तांकां पळोवपाक खूब बरें दिसतालें. ती आपल्या आवयक सांगताली, तांच्याय घरांत एक पोपट हाडचो. पूण आवयन जाप दिली, पोपटाक आमी पांजऱ्यांत घालूंक जायना. ताणी वाऱ्यार उडचें ताका बंद दवरुंक जायना उपरांत शाळेंतले बाईन आत्मचरित्र बरोवंक मीनाक सांगलें आनी तांच्यानी पांजऱ्यांतलें पोपटोचे आत्मचरीत्र बरयल्ले. आत्मचरित्र बरयतना तांका दिसलें आपूणच तो पांजऱ्यांतलो पोपट जालां आनी गुंवडायो काडपाक लागलां. तेन्ना तांका त्या पोपटाचें दुख समजलें. तो पांजऱ्यांत खुशाल ना आनी त्या खिणांक तांका त्या पोपटाचो कायाप्रवेश जालो. पांजऱ्यांत तो दुखी आसा हें पयलेच फावट तांका समजलें".

ही तिच्या जिवितांतली आनी एक घडणूक जातूंत दुसऱ्या दुखाचो कायाप्रवेश घेवपाचो पयलो अणभव आनी हाचेवयल्यान फुडें लिखाण करतना खूब फायदो जालो ज्या व्यक्तीचेर बरयता त्या व्यक्तिक तांची दुखां ध्यानांत धरुन बरोवंक जाय. आनी एक जिणेंतलो म्हत्वाचो खीण जाका लागून साहित्य बरोवपाक प्रभावशाली जावचें कारण म्हळयार "ल्हान आसतना तांच्या घरांत टॉमी नांवाचो कुत्रो आशिल्लो. सगळी जाणां ताका खूब बरी करताली आनी तांचो जाल्यार तो चड 'म्हालगडो' आशिल्लो कारण तांच्या वांगडा खेळपाक भावंडा नाशिल्ली म्हूण ती त्या टॉमीक घेवन खेळटाली. तो पाखलो आनी ती गोंयकार असो खेळ खेळटाली. उपरांत तांच्या बापायक समजलें ताका रॅबीज जाल्या कारण तो घरच्यां कोब्यांक फाफसून उडोवंक लागिल्लो. तशेंच भोंकपाक लागलो म्हण ताका कळयनासतना कुत्र्याक मारपाक पाखल्याक हाडलो आनी ताणें कुत्र्याचेर गुळी मारली आनी तो गेलो. पूण गुळी लागल्या आसतनाय तो टॉमी उठून उबो रावलो तो पुराय रगतान बुडिल्लो. बापायन आवयक सांगलें मीनाक भितर व्हर म्हण पूण ती गेली ना थंयच घट्ट जाल्यावरवी उरली. ताच्या बापाय लागी आर्म आशिल्लें त्या आर्मान तांच्यानी कुत्र्याचेर गुळी घाली. पूण ताका मारतना लेगीत तो आपूणच रडटालो." हाचेर तिणें बरप केल्लें आसा अशें ती सांगता.

### 3.3 शिक्षण

मीना काकोडकार हांचे शिक्षण पयली तें चवथी मेरेन मुस्टिफंड शाळेंत जाले. ताच्या उपरांत पांचवी तें सातवी मेरेनचें कस्तुर्बा मातुसरी हांगा जाले. फुडलें पिपल्स हायस्कूल पणजे कन्या शाळेंत जाले. मुखार एस. एस. सी मेरेनचे शिक्षण न्यू ईरा स्कूलांत जाले. उपरांत कांय तेंप ती धंपेंत शिकिल्ली आनी तिणें बी एस सी ही पदवी मुंबयच्या विल्सन कॉलेजींतल्यान घेतली तशेंच तिणें फायन आर्टसाचें शिक्षण घेतलां.

### 3.4 साहित्यीक वावर

तिणें बरयल्ली पयली कथा राष्ट्रमताचेर प्रसिध्द जाल्ली ती म्हणल्यार 'रानफुल'ताच्या उपरांत 1972 वर्सा 'दोंगर चंवल्ला' हो कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. 1990 वर्सा सपनफुलां हो कथासंग्रह प्रसिध्द जालो. 2011 वर्सा 'आमी' कथासंग्रह बरयलो. 2014 वर्सा 'वास्तू' ही कादंबरी रचली आनी 'शब्दसूर' हो ललित निबंध संग्रह बरयला. तशेंच भुरग्यांचें साहित्य उजवाडायलां 'साळकांतलो जादूगर', 'टिंग टिंग टाय टिंग', 'नाडपुरची नाडकथा', तशेंच बालकथा आनी देखदिण्यो काणयो बरयल्यात. तिच्या कथाचो अणकार मराठी, कन्नड, ओडीसा, मल्ल्याळम, तमीळ, तेलुगू, इंग्लीश, पोर्तुगीज ह्या भासांनी जाला. आंतरराष्ट्रीय चित्रपठ महोत्सवांत दाखसल्ल्या 'सावरिया डॉट कॉम' ह्या कोंकणी चित्रपठाचे संवाद लेखन तिणें केला. तिका चित्रां काडची खूब आवड आसा.

### 3.5 भोवमान पुरस्कार

तिणें रचिल्या कथांक जायती इनामां फावो जाल्यात. कोंकणी भाशा मंडळ पुरस्कार (1978), नरसिनवा दामोदर पुरस्कार (1979), गोवा कला अकादमी पुरस्कार (1980), कुळागर प्रकाशन पुरस्कार (1990), केंद्रिय साहित्य अकादमी पुरस्कार (1991), डॉ. टी.एम. ए. पै फौंडेशन पुरस्कार (1992),

कथा पुरस्कार (1993 आनी 2003), गोंय सरकाराचो यशोदामिनी पुरस्कार (2002), गोंय राज्य सन्मान (2007), रंग सन्मान पुरस्कार (2008-09), गोंय राज्य पुरस्कार (2010), पद्मा बिनानी वात्सल्य पुरस्कार (बाल साहित्य) (2011), शश्वती पुरस्कार (2012-13), जनगंगा पुरस्कार सवर्या डॉट कॉम (2008-09), विमला पैय पुरस्कार, 20व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचें अध्यक्षपद (2011). हे तिका मेळिल्ले कांय म्हत्वाचे पुरस्कार आसात.

**संदर्भ**


1. 27 जानेवारी 2024 दिसा घेतिल्ली मुलाखत, श्रेयस, विद्यानगर कॉलनी, 1158, विद्यानगर, मडगांव गोंय सांजेच्या 3:30 वरांचेर

## प्रकरण : चवथें

## 4. मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज दर्शन

4.1 स्त्री-पुरुष संबंद

4.2 लोकसंस्कृताय आनी लोकउत्सव

4.3 अंधविश्वास आनी रूढी परंपरा

4.4 आर्थीक जीण आनी स्थिती

4.5 बदलते कुटुंबीक विचारभेद

# 4. मीना काकोडकार हांच्या कथेंतलें समाज दर्शन

## 4.1 स्त्री-पुरुश संबंद

ह्या उप प्रकरणांत जो विशय घेतिल्लो आसा तो स्त्री आनी पुरूश संबंद आसा. स्त्री-पुरुश संबंद म्हणटना तो संबंद घोव- बायलेचो, भयण-भावा मदलो, आवय-पूता मदलो तशेंच बापाय- धूवें मदलो वा मोगी-मोगिका हांच्या मदलो जावंन आसा. र हातूंत भितर फकत घोव आवी बायल म्हणजेंच स्त्री आनी पुरूश हांच्या मदलो संबंद आनी नातें जें आसा ताचो अभ्यास केल्लो ना तर वयर मांडिल्ल्या हेर संबंदाचो अभ्यास केला. भेदाचो सोद अभ्यासपाचो यत्न हांगा केल्लो आसा. भेद हें वेगवेगळ्या तरेंचे आसूं येतात. जांव तें विचारांचे, आंतरीक एकामेकाक समजप.

### 4.1.1 दादल्या- बायले भितरलो संबंद

दादलो आनी बायल ह्या नात्या मदीं सदांच दादलो हाका सदांच उंचेलो मान समाजांत दिल्लो आसता. दादलो म्हळ्यार सगळ्यांत श्रेश्ठ आनी बायल हिका सदांच सकयल वा दादल्याकून उणाक ह्या दर्ज्यान पळोवपाची शमता आसा. आनी अशेंच तरेन स्त्री आनी पुरूश हांचे नातें मुखार वतना दिश्टी पडटा. तशेंच दिसभर कामाक वचपी दादलो कशें तरेन स्त्रीचेर दुभावता हें चड प्रमाणांत आयिल्ले दिश्टी पडटा.

लक्ष्मणराव सरदेसाय म्हणटा "मीना बायचें नदरेक लोकांची दुख्खां दिसतात. वयल्या परस सकयल्या तळांची आदीक दुख्खां मीना बायक जाणवता. तीं कळवळटा. त्या दुख्खांचेर फुंकार घालता."
मीनाच्या कथांनी ह्यो गजाली पळोवपाक मेळटा. जंय गरज नासतना लेगित मनांत रिगोवन बसपी सुबण्णा दिसता जाल्यार बायलेन इतले वायट करुन कोडू यादी दिल्यात. पूण ताचे सदांच बरें सांगपी

वळख कथेंतलो लतुचो बापूय वा घोव बायले मदी समजिकाय बाळगून एका मेकाकडेन बरे तरेन उलोवन भासाभास करुन घर उबें करपी प्रकाश आनी लता. ह्या तिच्या कथेंतल्या पात्रांनी स्त्री पुरुशाच्या संबंदाविशी समाजाक देख दिवपाचो यत्न केल्लो दिसता. सपनफुलां कथासंग्रहांत पांच कथा आसात त्यो म्हळ्यार तिच्या तूं चल्ली तिल्लम्मा, पप्पा तूं हांसता, वळख, नवो जल्म, चंदनाचो रुख जाल्यार आमी संग्रहांत ह्या दोन कथानी अस्तुरी दादल्या वयर बरे तरेन चित्रायिल्लें दिसता.

कथेंतली एक देख घेतली जाल्यार "तूं चल्ली तिल्लम्मा" कथेंत तिल्लम्मा आनी तिचो घोव काम करूंक गोंयांत आयिल्ली आसतात. तिल्लम्माचो सगळो जिव आपली खोंप बांदप आनी ती बरें तरेन सांबाळप हाचेर आसलो, पूण तिच्या घोवाचो तिचेर खूब मोग आसलो. त्याच बरोबर ताच्या मनांत आशिल्ली. "संद मेळटा तेन्ना, शांतम्माचो दादलो संगम्मागेर आनी संगम्माचो दादलो गंगव्वागेर वता हें ताका खबर आशिल्लें आनी आपल्या फाटल्यान अशें कितेंय घडत आसत काय ह्या विचारान तो खासाविस जातालो." (*सपनफुलां* पा. क्र. 52) सत्यपालाच्या ल्हान चल्याचेर तिचो जिव आशिल्लो. म्हण जाणां जावन लेगित तिचो ताका दुभाव येतालो. आपूण तिका भुरगें दिवंक शकना म्हण ती आनी कोणाकय भुल्ली अशें तो समजता. तशेंच एक दिस ताका घरांत विडयेचें पोंत मेळटा आनी सुबण्णा तांच्या घरांतल्यान तिणसांजचो येवन परतता हें तो पळयता. ही खबर आपल्या बायलेन आपणाक सांगली ना म्हण तो दुखी जाता. तिचो आनी कोणायलागी संबंद आसत काय हें चिंतून चिंतून सकाळी फुडें गोळ घेवन मरता. हांगा तिल्लम्मा ताका इतली विश्वासी आसून लेगीत तो तिका दुबावता ताच्या दुबावाफाटली चड व्हड कारण आसना पूण ताणें आपल्या मनांतलो दुभाव तिका विचारून पयस काडपाक जातालो पूण तो आपल्या भितर घुसमटून रावता आनी निमाणें मरपाचो निर्णय घेता.

जाल्यार "पप्पा तूं हांसता" कथेंत सुमीची आवय दुसरें लग्न जावंक सोदता. ह्या तिच्या निर्णयाक सगळी सांगात दितात. "आतां तुका समजुचें ना तें सुमी. व्हड जालेकूच सांगनासतना लेगीत कळटलें." (*सपनफुलां* पा. क्र.77) ती आपल्या मनांतले उमाळे सुमीक उगतावपाचो यत्न करता तेन्ना तिका तें अशें विचारता "तूं पप्पाक बिसरली " (*सपनफुलां* पा. क्र. 77) तिचो मोग ताच्या बापायवाटेन उणो जाला म्हण ती लग्न जाता. तशेंच परत लग्न जायनासतना राविल्ल्या आवडू आकाची देख दिता. पूण ताची आवय ताका सांगता, एका बायलेक सदांच एका सांगात्याची गरज आसता. तो तिचो सांगात आता तिका परतून मेळ्ळो म्हण ताचे लागी लग्न जावन आपले फुडले जिवीत सारपाक फुडें सरल्या . बायलेन आपल्या जिवीतांत सदांच फुडें सरपाक जाय पूण हो निर्णय घेतना कांय नाती दुखावतात हें लेखिकेन सांगलां.

तशेंच "वळख" ह्या कथेंत लतूची आवय आनी बापूय मोगान लग्न जाल्ली आनी लग्नाचे दोन वर्सां मेरेन सगळे बरे तरेन चलताले. पूण लतू जाल्या उपरांत तिचो संवसारावयलो ध्यान उडून वता आनी मुंबईत वचून हिरोइन जावपाचे आपलें आदले सपन पुराय करुंक वता. तशेंच ते म्हयन्यांचें म्हयने मुंबई वचून रावता. कोणाचे कांय आयकना आनी घोव लेगीत ताका कितेंय म्हण ना. एक दीस ते झगडून घरांतल्यान भायर सरुन वता आनी वाटेर अपघात जावन मरता. "तें अजाण भुरगें डॅडीच्या उतरांतल्यान मम्मीक वळखचेलो यत्न करता. ताचें सुपुल्लें काळीज बावन वच्चें न्हंय देखून तर ताका रचून फटी काणी सांगता." (*सपनफुलां* पा. क्र. 97) तो ताच्यो बऱ्यो खबरो आपले चलयेक तिच्यो ज्यो कोडू यादी आसात त्यो सदांच ताच्या मनांत उरतल्यो. पूण रेश्माचो वायट परीणाम ताचेर जावंक दिवचो ना.

निरूपा हें ल्हानपणा पासून दुसऱ्याचें सांगणे आयकून व्हड जाल्ले आसता. आपलो स्वताचो ताणें केन्नाच निर्णय घेतिल्लो नासता. "नवो जल्म" कथेंत निरुपा हें सदांच भिवकुड्डे आसता. पूण जेन्ना ताच्या गर्भ धरता तेन्ना तें ताचें लागीं उलयता. पूण जेन्ना ताच्या घरकाराक आनी मायक कळटा ताच्या पोटांत चली आसा म्हण तेन्ना ती आपल्या पुताक सांगून निरुपाक गर्भपात करपाक तयार करता. आनी निरुपा तेन्ना आपलो निर्णय घेता. ह्या चली भुरग्याक आपूण मारचे ना पूण ताका जल्म दितले. तशेंच

पोरसांत सालदाटी केळ्यांचो रोंपो जाला. तो कोणूच मारचो ना म्हण सांगता. आपल्या भुरग्यांखातीर आपूण जावन स्वताचो निर्णय घेता.

जायूक शिकपाची खूब आवड आशिल्ली, शिकून ते पी. एच. डी करुन दोतोरकी मेळोवंक सोदतालें हेंच ताचें सपन आशिल्ले. इतल्यामदी ताचे लग्नाचें थारता आनी लग्नां उपरांत ती पुराय करतले हाची आस्त तें दवरता. पूण घरच्यानी आनी घोवान सांगल्या उपरांत तें सगळें सोडून दिता. संगिताचे रियाज करपाचे लेगीत सोडटा आनी घोवच्या बिजनस पार्टीनी इंतलें गुल्ल जाता की तें आपले सपन तें विसरता. " म्हजी सपनां पूर्ण जालीं नात ही एकच खंत सोडली जाल्यार म्हज्या संवसारांत हांव पुरायेन सुखी आसा. कितली सहज सांगले हांणे " (*सपनफुलां* पा. क्र.125) आनी तें सपन पुराय ना जाल्ल्याची खंत ताच्या मनांत उरता. लग्न जाल्या उपरांत पुराय तरेन तें आपलें स्वताचें व्यक्तित्व विसरुन संवसारांत पडिल्ले आसता. आपल्या घोवाचें आनी घरच्यांचे आयकून तें शिकपाची रुची तें थंयच सांडता आनी एक वेगळेच जायू जावन जियेता.

लता आनी प्रकाश नवें घर बांदपाक येवजितात आनी आपणाक ज्या तरेच्यो सादन सुविधा जाय त्यो एकामेका लागीं उलोवन समजून घेवन निर्णय घेतात. "प्रकाशाक डिस्कशन करुंक लता आसा. तें शिकला, चार कडेन भोंवला कितेंय मत उगतावपाची तांक लतांत आसा." (*आमी* पा. क्र. 39) प्रकाश लताक हुशार आनी शिकिल्ले मानता. घर बांदपाक निर्णय घेतना आपल्या बायलेचें मत तितलेंच म्हत्वाचें ताका दिसता. तें सांगता ती वस्त ध्यानांत घेवन सगळे वेवस्थीत करतात पूण तांच्या प्रमाणे ताच्या बापायन तांच्या आवयचें एक लेगीत सांगणे आयकूंक नाशिल्ले. आनी केन्नाय विचारिल्लें अशें पासून ताका दिसना. ताच्या आवयक फक्त रांदपाची आनी घरच्यांचो सांबाळ करपांत व्यस्त जाल्ली आसताली. पूण प्रकाश आनी लता एकामेकाक समान अशें लेखतात आनी दोगांयच्या निर्णयाक एक सारकें म्हत्व दितात.

जाल्यार "शीण" ह्या कथेंत अप्पा आनी निर्मला दोगांय बरोबर आसतात. पूण जेन्ना निर्मल मरता तेन्ना अप्पा एकसुरो पडटा. ते आपल्याक एकसुरो सोडून गेले म्हण शिणटा कारण तिचे सदांच म्हणणे आशिल्ले "निमा सदांच म्हणी, परक्यांचेर शीण न्हंय. आपलेपण आसता थंय शीण आसता. " (*आमी* पा. क्र. 67) शीण हो दुसऱ्यांचेर केन्नाच आसना ज्या कोणाक आपले मानतात त्या मनशांचेर आसता.

ह्या तरेन घोव बायलेमदी ज्या तरेचे वेगळेपणां आनी विचारंचे भेद तशेंच काय कडेन एकामेका वांगडा मेळून काम करतात हें दाखयलां.

### 4.1.2 भयण- भावामदलो संबंद

"बापूय न्हय तो आमचो?" ह्या कथेंत भाव- भयणिभितरलो समजीकायेचो संबंद दाखयिल्लो आसा. गांवांत जेन्ना सगळ्या भुरग्यांमदी तातूंतल्या व्हडल्या भुरग्यान आपल्या धाकल्या भावंडांक सांबाळची आसता ती वृत्ती ह्या कथेंत मांडिल्ली दिसता. जेन्ना शिरी शोभल्याक विचारता "शोभल्या आमकां बापूय ना गो?" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र 52) तेन्ना शोभले ताका समजावंन बऱ्या भाशेन सांगता "सगल्यांक बापूय आसतात पिशा" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र 52 ) हांगा आवय- बापाय उपरांत आवय वरी समजावंन आपल्या भावाक सांगपाचे विचार ह्या कथेंत मांडिल्ले दिसता. जाल्यार "आमी" ह्या कथेंत एक सुमी नांवांची चली आपले शिक्षण पुराय करुन कामाक वता आनी घरांत परिस्थिती खूब गरीब आशिल्ल्या कारणांत सगळ्यांक शिकोवप शक्या नाशिल्ले देखून सुमी आपल्या भावान शिकून दोतोर जायसर आपल्या लग्नाची जाप लेगीत तें आपल्या बापायक आनी आवयक दिनाशिल्ले. हांगा आपल्या फाटल्यान आपल्या भावाचो विचार करपी एका भयणीची मानसिकता दाखयल्या.

"गजाल एका जगूची" ह्या कथेंत जगूच्यो सोयरीको ताच्या जल्मपत्रिकेक लागून ताचो बापूय खंयच्याय चलये वांगडा सोयरीक जुळपाक दिना. तशेंच आपल्या भावाचें लग्न बेगीनच्या बेगीन जावचे म्हण सरू जंय सोयरीको जुळयतात अशें कडेन वचून जगूचें नांव बरयताले. "भावाचे सोयरीके खातीर

आयिल्लें." (*आमी* पा. क्र 78) हांगा चली जेन्ना लग्न करून दिली सुद्दा जाल्यार ताका आपल्या भावंडा विशी जी खंत आसता तें सोयरुच्या स्वभावांतल्यान जाणवता.

## 4.2 लोकसंस्कृताय आनी लोकउत्सव

संस्कृतायेची व्याख्या मांडटना "लोकसंख्येच्यो कला समजती आनी संस्था सयत सगळ्यो जिणें पद्दती जी पिळगें पिळगेंतल्यान चलतात. संस्कृतायेक एक पुराय समाजाची जिणें पद्दत अशें म्हणटात अशें म्हणून तातूंत लोकजमात, गितां, लोक संस्कृताय, भेस, भास, धर्म, संस्कार, कला आदी ह्या संहितेंचो वा घटकांचो आस्पाव जाता." दोंगर चंवल्ला ह्या कथासंग्रहांत दोन कथा आसात ज्यो लोकसंस्कृतायेचेर आदारिल्ल्यो आसात त्यो म्हळयार दोंगर चंवल्ला आनी आवडू ही कथा जातूंत चड प्रमाणांत आपली लोकसंस्कृताय दिगोवन दवरपाचो काम केला.

"दोंगर चंवल्ला" ही कथा पुराय ग्रामीण जीण तशेंच आमची संस्कृती आनी सैम ह्या बद्दल आसा. जंय भानूदास ह्या चल्याक शिगम्याची आनी आपल्या संस्कृतीचो भोव अभिमान आशिल्लो दिसता.

"असा गड्या तू खेळोजी.....

तोण्यांचा डाव मांडोनी.....

जयरंग तालगडी.....जयरंग तालगडी" (*दोंगर चंवरल्ला* पा. क्र. 14)

अशें करीत भानूदास शिगम्या वाटेन आशिल्ली उमळशीक आनी उमेद व्यक्त करता.

'जीजूचें बावलें- तारीकडें पावलें! शेबोय.!!' (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 15) हांगा भानूदास कशें तरेन रुपडीं घालून शिगमो आयलो ही खोशी व्यक्त करतना दिसता अशें तरेन भानूदास हात हालत नाचतना दिश्टी पडटा.

"....धोलार पडटा बडी आनी शिगमो दारांत येता रे SS पैल्यान वैतात नडी आनी उमेद घरांत फुलता रे SS कूदत येतात गडे आनी भगत विडो मागता रे SS गायत येतात चेडे आनी मेळ दारांत नाचता रे

SS...." (दोंगर चंवल्ला पा. क्र. 16) कशें तरेन तुवालो बांदून नाचपी गोपाळदाद गेलो तरीय लेखिका त्याच तंत्रेन गुल्ल जाल्या हाच्या विशीं सांगिल्ले आसा.

".....कळकीच्या बनामध्ये,

कोमल जळामळा थंयसान कोमल गेला,

थंयसान गे गेलां,

चिताऱ्याच्या घरी

चिताऱ्याच्या मुलीन

चितरंगी केला......." (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 16)

शिगमो येवन गेलो तरी शिगम्याचो गांज आनी शिगमो गितां कशें तरेन तोंडार घोळटात आनी लोक गांवांनी कशें तरेन शिगमो मनयतात हाच्या विशी लेखिका आपल्या कथावरवी व्यक्त करता. तशेंच तांच्या मनांतलो एक हुस्को ती व्यक्त करता की आताच्या काळांत ही आमची संस्कृती पिळग्यान पिळगी अशींच उरची हाची खंत लेखिका आपल्या कथांनी उक्तायता.

"आवडू" ह्या कथेंत आवडून आपली संस्कृताय गोंयचो चाली रिती, आमच्या संस्कृतायेची पदां, रिती-रिवाज कशें तरेन जोपून आनी सांबाळून मुखार व्हरपाचे काम केला हें दिसून येता. "हाणा गे कुदळ, काडा एक धेंपा तिंतू रोया रोपा तुळशीचा गे बाये तिंतू रोया रोपा तुळशीचा...." (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 75 $ 79) आवडूची ती गितां पुष्पाच्या कानार पडूंक लागिल्ली. तिणें गायिल्ली ती धालो गितां ताज्या कानार घोळत आशिल्ली. "......हे तुळशीची, पांचवीं चार पानां पती गेला रानां तुळशीचा गे बाये पती गेला रानां तुळशीचा......" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 80)

पयलीच्या काळार लोक मनोरंजनाचे साधन म्हूण फुगडी, धालो, लोकगितां वा आदी सारकिल्या साधनांचो उपेग करताले आनी मनरुजवण करतालें. तांच्या मनांतले उमाळें उत्फर्कें, तांची दुख्खा

आनी उमाळें पयलीं ती ह्या गितांच्या माद्यमांतल्यान गावन सांगताले. तशेंच आपली संस्कृताय, लोकउत्सव, सण- परबो तिगोवन दवरपाचें काम मुखार व्हरताले. आपल्या फाटल्यान ह्यो विदी कोणें तरी मुखार व्हरपाक जाय म्हूण तीं ही लोकगितां, लोकउत्सव, धालो, फुगड्यो सारकिल्यो गजालीं आपल्या मुखावयल्या पिळगेक शिकोवन दवरताली. पूण आता हें खंय तरी कमी जाता आनी हाचो सगळ्याचो जागो  हेर गजालीनी घेतला हाच्या विशीं लेखिका आपल्या कथांनी मांडटा.

**4.3 अंधविश्वास आनी रूढी परंपरा**

एक भावार्थ जाका नशिब वा जादू म्हणपाक शकता आनी हाचेवयल्यान कितेंय बरें जावपाची शक्यताय आसा अशें ताचे मानप आसा. मीनाच्या कथेंत अशें तरेन विश्वास दवरपी कांय कथा आसतात जी आपल्या विश्वासान वेगळे कितें करतात.

धर्मान आनी समाजांत धरून कांय रिती रीवाज आनी रूढी परंपरा दिल्यो आसात. कांय कथांनी पात्रां तें पाळटाच जाल्यार कांय पात्रां तें फाटी दवरून समाजाक नवे विचार दिवपी विशय घेवन फुडें आयिल्लें पळोवपाक मेळटात. मीना काकोडकार हांच्या आमी कथासंग्रहांत अंधविश्वास आनी रूढी परंपराचे विशय चड प्रमाणान आयिल्ले मेळटात. रूढी परंपरा ह्या प्रकरणांत आमी संग्रहांतल्यो चार कथा आसपावल्यात त्यो म्हळ्यार गडत तिनसना, आपले परकी, कुंकुमार्चन, शीण जाल्यार सपनफुलांतली तूं चल्ली तिल्लमम्मां ही एक कथा घेतल्या.

“आपले परकी”  कथेंत बनूची आजी आतिबाय समाजान घातिल्ल्यो परंपरा मानून घेता आनी लग्न जाल्या आपले धुवेक परकी कथेंत बनूची आजी आतिबाय समाजान घातिल्यो परंपरा मानून घेता आनी लग्न जाल्या आपले धुवेक परकी अशें मानता.  “चल्यांनी बरप शिकपाचे........चलयांनी रांदूक शिकपाचें .....चलयो परकी....चल्यांक वागणूक वेगळी चल्यांक वेगळी वागणूक.....” (*आमी* पा. क्र.

32) कळोवपाची व्हडलीशी गरज ना अशें ती समजता. लग्न जाल्या उपरांत आवय बापायची चलये कडेन आनी चलयेची आवय- बापाय वटेन जापसालदारकी सोंपली अशें तिचें चिंतप आसा. घरांतल्या पेटयेंतली खेळणी आपल्या नातीक दिवचे बदला आपल्या चल्याच्या जावंक नाशिल्ल्या भुरग्या खातीर सांबाळून दवरता आनी आपली भलायकी इबाडल्यार लेगीत आपले चलयेक सांगचे अशें तिका दिसना. चली ही दुसऱ्याली वस्त ही श्रध्दा बनूची आजी मानताली आसता.

"कुंकूमार्चन" हांगा हिन्दू मर्दी घोव जितो आसतना बायल मेली जाल्यार तिणें पुण्य जोडलें आनी कपलार कुकूम दवरून गेली अशें म्हणटात. आनी घोव वचून ती जिवी आसल्यार आदल्या जल्माच्या पातकाचें प्राचिन करता अशें लोक उलयतात. "रांडाव जीण म्हळ्यार खंयच्या जल्माचे पातक " (*आमी* पा. क्र. 52) एकादे घोव मेल्ले बायलेन आपल्या कपलाक कुकुम लावपाक जायना, माथ्यांत फुलां माळपाक जायना, मणी घालपाक जायना तशेंच तिणें भांग भरचो न्हय तशेंच घोव मेल्या उपरांत तिणें ताच्या मडा मुखार आपल्या हातांतली काकणां फोडची आसता, तिच्या गळयांतलो मणी लेगीत काडटात वा आदी अशे तरेन तिणें आपणें आपलें विधवापण निबोवचें आसता असो समज आसा. जालयार कोणाच्या लग्न कार्याक आनी देव देवस्पणाच्या विधी वेळार तिणें वांटो घेवचो म्हय आनी आपूण फुडें धांवचे न्हय हाच्या विशी तिणें आपल्या कथांनी बेस बऱ्या पद्दतीन मांडिल्ले आसा.

समाजांत ह्यो कुड्डयो रूढी परंपरा आपणायल्यात. त्यो समाजांत चालूच आसात आनी आयज मेरेन समाजांत दिसतात.

तशेंच "शीण" ह्या कथेंत मनीस मेल्या उपरांत ताच्या नांवान कावळयाक वाडी घालपतात वा वाडटात. ताणें रोकडोच काकोळ उश्टायलो जाल्यार संवसारांत आनी ताची कसलीच इत्सा उरूक ना असो समज आसा. "काकोळ व्हेला आं........बरें जाले वैनीच्या मनांत आनी कांय उरले ना" (*आमी* पा. क्र. 73) जरी काकोळ बेगीन व्हेलो ना जाल्यार संवसारांत ताच्यो इत्सा उरिल्ल्यो आसात अशें मानप ह्या

कथेंत आसा. अंधविश्वासाची आनी एक देख घेतली जाल्यार गजाल एका जगूची हांगा लग्न पत्रिकेक जूळ सारकी पत्रिकाआशिल्ली चली मेळना आनी पत्रिका जुळ्ळी ना जाल्यार ताका चली पसंद पडना. म्हण लग्न जूळना आनी सोयरीक बरी आसल्यार नक्षत्रांचो गोंदळ जाता. "राहू केतूचीं ...आडमेळीं आसात" (*आमी* पा. क्र. 82) नक्षत्रां सारकी जुळनात, बऱ्यो बऱ्यो सोयरीको जल्म पत्रीकेक आनी नक्षत्रांक लागून तुटिल्ल्यो पळोवपाक मेळटात.

मनशाच्या मनाचेर वेगळोच परीणाम घडोवपी गडत तिनसना ह्या कथेंत एक वेगळो विशय हाताळिल्लो आसा. एका ल्हान भुरग्याचो आत्मो येवन निलाकडेन उलयता. तीं रावतात त्या बंगल्यांत आदी कितें जातालें तें सगळें तिका सांगता आनी तो सद्दा तिका मेळूंक येता. तिचे कडेव आपल्यो घुलयो दिता. ही अंधश्रध्देचेर पुरायपणान आदारील्ली कथा जावन आसा. भूत आनी आत्मो ही संकल्पनां आयज लेगीत कोणेच पळोवंक ना. पूण कांय प्रमाणान लोक ती आसतात अशें म्हणटात. तूं चल्ली तिल्लम्मा कथेंत तिल्लम्मा आपल्या खोपिंचो घपप्रवेश करतना घरामुखार आंब्यापानां लायता आनी तें शुभ म्हण मानतात "आंब्या पानां बांदल्यांत......सगळे बरें जावचें म्हण.....हत्ती म्हळ्यार पयशे. देवलक्ष्मी आसता." (*सपनफुलां* पा. क्र. 50) अशें ती आपल्या घोवाक सांगता. तशेंच हातांनी ती घराच्या वण्टीचेर हत्तीचे चित्र काडटा आनी अशें हत्ती घरांत आसल्यार पयशें येतात. जंय देवी लक्ष्मी आसता. अशें ती ताका सांगता. जिणेंत घडपी ल्हान ल्हान घडणूकांक धरून रुढी परंपरा ह्यो आयिल्ल्यो पळोवपाक मेळटा. मनशाच्या मनाचेर जाल्लो परीणाम मनीस ज्या समजांत जियेता त्या समाजाचो प्रभाव ताचेर आसता. ताकाच धरून ती चलता. आपल्या जिणेत बरे वायट जाल्यार त्या समाजाचो प्रभाव ताचेर धरून ती आपली जीण जगता हें तिच्या कथानी आयिल्ले दिसता.

### 4.4 आर्थीक जीण आनी स्थिती

आर्थीक ह्या उतराचो अर्थ घेतल्यार पयश्यांचे वेव्हार आसा. घरचो, समाजाचो, देशाचो वेव्हार पयशांचेर चलता. आनी तें आयच्य। समाजाची एक व्हड गरज जावन आसा. आयच्या समाजांत पयशें हेंच सगळें म्हणटात. पयशांचेर मनशाची जीण चलता आनी पयशें ना जाल्यार तो पुराय तरेन बाबडो जावन उरता. पयली एकामेकाक दिवण घेवण करप जातालें पूण आताच्या काळार हाचो सगळ्याचो जागो पयशांनी घेतिल्लो आसा हें कळून येता.

## 4.4.1 बदलते उद्देगिकरण

नव्या नव्या तंत्राक आनी वस्तूक लागून उद्देगिकरण वाडिल्ले पळोवपाक मेळटा. हाका लागून शहरानी कामां वाडल्यात. शहराच्या आकर्शणाक लागूंव मनीस आपलो गांव, घर सोडून शहरांत येवन रावता. तशेंच गांवचो वेवसाय सोडून शहरांत येवन रावतात. तशेंच गांवचो वेवसाय सोडून शहरांच फेकट्रीनी कामा करतात. गांवानी काम केल्ल्या परस शहरांत काम केल्यार चड पयसो मेळटा, ह्या पयशांक आकर्शित जावंन गांवांनी काम करचे साणून शहरांत लोक चडा प्रमाणांत आकर्शित जातात. शहरांत गती चड आसता आनी थंयच्या जिवनाक लागून लोक शहरांनी रावतात. आनी सुटयेच्या दिसांनी हें लोक आपल्या मूळ घरां परततात. मीनाच्या कथांनी लोक गांवघरां सोडून दुसरें कडेन बिराड करून रावून आपलें घर चलोवपी कश्टाळू मनशांची जीण आयल्या. लक्ष्मणराव सरदेसाई म्हणटात वेव्हाराच्या तापान मन भरलेले वा स्वार्थ केंद्रीत जाल्यात, सर्व सामान्य मनशाक ज्यो व्याथा दिसनात त्यो लेखिकेक जाणवतात. मीना काकोडकरांच्या कथांनी बदलते उद्देगिकरण चड प्रमाणांत आयिल्ले ना. पूण मोजक्याच कांय कथांनी आयिल्ले दिसता. "तूं चल्ली तिल्लम्मा" ह्या कथेंत कामाक लागून आपलें गांव सोडून गोंयांत येवन रावपी मनशां दिश्टी पडटात. जाल्यार चार वणटी ह्या कथेंत कामाक लागून आपलें घर सोडून शहरालागी नवें घर बांदतात. अश्या तरेचे दर्शन तिच्या कथेंनी आयिल्ले दिश्टी पडटा.

तिल्लम्मा आनी तिचो घोव दोगांय कामाक लागून आपलो गांव आपलें घर सोडून गोंयांत येवन रावतात. त्याच तरेन लता आनी प्रकाश आपल्या गांवांतलें घर सोडून शारालागी नवें घर बांदपाक सोदतात. लताक दिसता घर शहरालागी आसल्यार कामाक वचपाक सोंपें जातलें आनी आपलें नवें घर उबारतना ताच्या मतींत एक विचार येता "थंयचे कित्याक बांदिल्ले? कर्माक? त्या परस शारांत चार जागे घेवन उडोवपाचे त्या काळार सवाय भितर जागो मेळटालो. " (*आमी* पान- 40) तशेंच ताचें म्हण्णे आसता शहरांत घेतिल्ल्यो सुवात्यो जाल्यार आयज तांकां घर बांदपाक सोंपें जावपाचें चड खर्च जावचो नाशिल्लो. तशेंच तिल्लम्मा आपल्या गांवच्या वांगड्या बरोबर उगत्या मळार आपली नवी खोंप उबारता आनी थंय आपलो संवसार सुखान सारपाचे चिंतता.

ह्या दोनूय कथा घडणुकांचेर नियाळ केल्यार हे दोनूय घराबे आपले स्वताचें घर सोडून दुसरें कडेन रावतात. एक घराबो कामा- धंद्याक लागून येवन आपली वस्ती करता जाल्यार दुसरी आपणाक शहराक लागी म्हण स्वताचें घर सोडून रावपाचे चिंततात जरी तांची मोख वेगळी आसली तरी तांचे कारण एकूच आसता.

### 4.4.2 शारीकरण

गांवापरस शाहरांत लोकांक चड सवलती आनी चड फायदो मेळटा देखून सगळें लोक आपल्या गांव सोडून शाहरा वाटेन चडा प्रमाणांत वळटना दिश्टी पडटात. लोक थंयसरल्या घरांक भुलतात. देखूनच तांका आपलें घर सोडून आलीशान सारख्या बंगल्यानी आनी फ्लॅटानी रावपाची उमळशिक लागता. तशेंच गांवांत ल्हान ल्हाव वेवयाय करून चड कांय येणावळ मेळना तेन्ना अशा वेळार लोक आपले गांवधेदे सोडून व्हडल्या कामांक वा धंद्यांक आकर्शित जातात हें आमकां मीना काकोडकरांच्या कथांनी जाणवता.

कामाक, शिक्षणाक वा शाराच्या आकर्शणाक लागून लोक शाराक लागी वतात आनी उपरांत थंयच स्थायिक जातात तांका काम धंदो सोपेंपणी मेळिल्लो जाय देखून तें शारांत रावपाक आयल्यात.

तूं चल्ली तिल्लम्मां, चार वण्टी, कुंकूमार्चन ह्या तीन कथानी शारीकरणाचो आसपाव मेळटा.

"तूं चल्ली तिल्लम्मां" ह्या कथेंत ती कामाक आनी पयश्यांक लागून आपलो गांव सोडून गोंयांत येतात आनी काम सोदतात. तांका गांवांत काम नाशिल्ल्या कारणाक लागून ती शारांत आयिल्ली आसतात. जाल्यार चार वण्टी ह्या कथेंत लेगीत शाहरीकरणाचो संदर्भ आयला. नोकरी करतल्या मनशांक शहर हें म्हत्वाचो वांटो जावन आसता. तांचे चंडात चड काम शहरांत आसता. उपरांत असलें लोक शाहरांतूच कायमचें रावतात. तशेंच घोव नशिल्ली बायल आपली जिण घोवा शिवाय कशीं सारता हाच्या विशीं लेखिका भाश्य करता. "कुंकूमार्चन" कथेंत घोव गेल्ली बायल आयिल्ली आसा. हांगा जी सून आसा ती आपल्या मांयक समाजान बांदून दवरिल्ली रिती रिवाज पाळू नाका म्हण सांगता. जरी ती गांवांनी राविल्ली जाल्यार ह्या विशयाक धरून जी तांणी परंपरा मोडल्या ताचेर व्हड चर्चा जाता आशिल्ली पूण शहरांत जाल्ल्या कारणान हाचें फुडें वचून तिणें आपल्याक जाय ते तरेन न्हेसूंक वागूंक हरकत नासता.

मनशाची उदरगत जावन ताका सादन सवलती मेळचे खातीर आनी सोंपेपणान आपली कामा जावचें खतीर शाहराक लागी येता. शारांतली जिण पळोवन मनीस आकर्शीत जाता, आनी आपूणय त्या जिवनाचो भाग जावन रावपाक सोदता. अशें तरेन कांय कथेंतली पात्रां कथांनी आयिल्ली आसा.

### 4.4.3 आर्थीक स्थिती

समाजांत रावतलो वा जगततलो जाल्यार मनशाक पयशांची गरज लागताच. हांगा आर्थिक समस्या वा पयशें कमी आसप हाचो उल्लेख लेखिकेन आपल्या कथांनी केल्ले आसा. पात्रांचो आर्थिक स्थितीक लागून केल्लो संघर्श पळोवपाक मेळटा. जंय घरांत कोण जोडपी ना म्हूण पोटां खातीर आर्थीक संघर्शा

खातीर ल्हान भुरग्याक आपली शाळा सोडची पडल्या आनी परंपारीक वेवसाया कडेन वळचें पडला. तशेंच कोणाक आपलो गांव सोडून दुसऱ्या गांवांनी आपलें पोट भरता खातीर वा धंदो करपा खातीर दुसरेकडेन वचून रावचें पडला हाची दखल घेवन मीना काकोडकरांनी परिस्थितीचें वर्णन आपल्या कथांनी तांच्यानी केल्ले आसा. हांचे उदाहरण म्हूण घेतले जाल्यार "अशीं सपनां अशीं जीण.......", कथेंत रामुलो हो भुरगो खूब शिकून आपल्या पांयांर उबो रावपाक सोदता तेका आपूण खूब शिकून आपलें सपन पुराय करपाचें आसता पूण आनंदू ताचो बापूय जेन्ना पडून ताची कमर मोडटा तेन्ना घरांत जोडपी कोणूच नासता हें तो चिंता आनी आजो आसा तो जाणटो आसा हें चिंतून ताका आपल्या खांदार सगळो भार घेवचो पडटा. घरची आर्थिक परिस्थिती सांबाळपाक लागून आनी घर चलोवच्या पासत धा वर्साचो रामुलो आपलीं शिकपाची सपनां कुशीक दवरून आपलें घर चलोवपाक आनी घर सांबाळपा खातीर आज्याच्या आदारान शेतांत पावल दवरता.

ह्याच वरवी "तूं चल्ली तिल्लम्मा" हें कथेंत तिल्लम्मा आनी तिचो घोव घाटमात्यावयल्यान कामाचो सोदान येवपी जोडपे जें थंय खोंप बांदून रावतात. आपलो संवसार बरो चलचो, तंच्यानी कांयच पयसो मोडिनासतना आपलें स्वाताचें घर उबे केल्ले आसता. हाच्या वयल्यान कळून येता की पयशें नाशिल्ल्यान ती आपल्या आपूणच एक ल्हानशीं खोंप तयार करता आनी तिचो घोव भूती घेवन कामाक वता.

जाल्यार हाचें उरफाटें घरांत घोवाक जोड बरी आसा म्हण घरच्यांनी सांगल्या उपरांत आपल्यो इत्सा मारपी जायु मेळटा. "चंदनाचो रुख" कथेंत बायलेन कामाक वचप जाल्यार तें फक्त घरची परिस्थिती सांबाळपाक वचप अशें दाखयला. पूण मांव, मांय आनी घोवाक घरची आर्थिक परिस्थिती बरी आसा म्हूण सांगल्या उपरांत घरांतल्या सूनेन कामाक वचपाची गरज ना म्हण सांगल्या.

चल्याची इत्सा पुराय करपा खातीर सुमीची आवय- बापूय वावूरता हें "आमी" ह्या कथेंत आयला .ह्या कथेंत तांची घरची परिस्थिती खूब गरीब आसता पूण परिस्थिती वायट आसून लेगीत विखट परिस्थितीक तोंड दिवपी आवय बापूय आपल्या चलेची शिकपाची इत्सा पुराय करता, पोटाखातीर खूब त्रास काडटात पूण निमणें कडेन तांका यश मेळटा हें सांगिल्ले आसा.

"चार वण्टी" हया कथेंत आपलें आदलें घर आसूंन लेगीत आपले स्वताचें घर बांदपाक सुरवात करतात. पूण म्हारगाय वाडिल्ल्यान खर्च चडां प्रमाणांत जाता आनी तांच्या घराचें काम दोन म्हयन्या खातीर अर्दकुटेंच उरता. ती दोगांय कामाक वचूंन सुद्दा घर बांदपाक तांका खूब त्रास जाले. अशें थोडें थोडें काम करून करून निमाणें कडेन तांचे घर उबे जाता. आदले घर मोडपाक पाविल्ले आसता हें प्रकाशाक खबर आसता तरी आसतना तो तें घर सारके करीना आनी आपल्या नव्या घराचो घर प्रवेश करुन सुशेगात रावता आनी आदलें घर मोडून सकयल पडटा.

"तिस्मारखाँ" हांगा 'तो' म्हण पात्र आसा जाचें नांव स्पश्ट सांगिल्ले ना. तो तिडसुवाद ह्या स्वभावावयल्यान समजता. तो आपल्या चलयेक कितलीय बी सोयरीक आयल्यार सुद्दा नकार दिता. तशेंच आपल्या चलयेचो कोणाचेर मोग आसा म्हण सांगल्यार ताका ती सोयरीक पसंद पडना. त्यो सोयरीकेक तो ठुकराया. आनी चली पळून लग्न जावन आयल्या उपरांत ताका बरें तरेन आपणायता. बरी वागणूक दिता. हेंच तो पयली आपल्या पयले आनी दुसऱ्या चलयेच्याय लग्ना वेळार करता उपरांत कळून येता की तो ही सगळीं नाटकां खर्च वाटानपाक करता म्हूण. हांगा आर्थिक परिस्थिती मूळ कारण जाता. चार चलयोचआशिल्ल्यान तांच्या लग्नाक खूब खर्च येतलो म्हूण तो अशें करता.

ह्या उपघटकांत परिस्थितीक बळी पडिल्ल्या मनशांचें वर्णन मीना काकोडकार हांच्यानी आपल्या कथांनी केल्लो आसा. जंय शिक्षण घेवपा खातीर फाटल्यान जोडपी नसधारो व्यक्ती, स्वताचें घर उबें करपाच्या हावेसाक लागून जाल्ले त्रास तशेंच आपल्या पोटा पाणया खातीर भायर सरून येवपी लोकांचे उत्फर्क उमाळें कथेंच्या माद्यमांतल्यान मीना काकोडकार हांच्यानी सांगल्या.

### 4.5 बदलते कुटूंबीक विचारभेद

घराब्यांत वेगवेगळी मनशां आसतात, जी आपल्या तरेचे विचार घेवन जगतात. कांय जाण समाज बदलपाचें चिंतात आनी तो बदलपाखातीर यत्न करतात जाल्यार कांय अशीं मनशां आसात जी आपलें आदलें विचार घेवन जगतात. कोणूय तें बदलपाचो यत्न केल्यार तांका तें आवडना. कांय अशीं मनशां आसात जसो समाज बदलता त्या तरेचो बदल आपणायतात आनी मुखार वतात.

दिलीप बोरकार म्हणटात "आपल्या कथांतलयान मीना आमचें भोवतणी वावुरतलीं जितीं मनशां तांच्य विवेचंना, सुखां- दुखां, तांचे आगळेपण, तांचो स्वभाव आनी व्यक्तित्व वेगवेगळ्या खिणांतल्यान चित्रायतात."

तांच्या सपनफुलां संग्रहांत धा कथा आसात त्यो म्हळ्यार सुकण्या पिला रे, आडांगी, अशीं सपनां अशी जीण, जनेलाच्या हेवटेन तेवटेन, ब्लोसम फोल्स....., पप्पा तूं हांसता, वळख, नवो जल्म, चंदनाचो रुख, मुक्त आयज बंद जीण, जाल्यार आमी संग्रहांत  सात कथा आसात ज्यो पारिवारीक विचारभेदांत येतात. त्यो म्हळ्यार आपले परकी, चार वण्टी, शीण, गजाल एका जगूची, तो एक तिस्मरखा, वस्त्रहरण, एका दिसाची गजाल. तशेंच दोंगर चंवरल्ला ह्या कथासंग्रहांत सात कथा आसात जशें की मास्तर म्हणटा, तश्योय गाळी, गांयडोळ, बापूय न्हय तो आमचो, तळमळ, मोगरे कळे निळे निळे आनी सुकण्या पिला रे ह्या कथांनी घराब्याच्या कांय कारणाक लागून विचारभेद जाल्लो पळोवपाक मेळटा.

"अशीं सपनां अशीं जीण" ह्या कथेंत तीन पिळग्याचें मनीस आनी तांचे तीन तरेन चिंतपाची वृत्ती दिश्टी पडटा. "व्हडल्या आबो, म्हाका बरप खूब आवडटा" (*सपनफुलां* पा. क्र. 34) एके वाटेन रामुलो हो ल्हान धा वर्साचो भुरगो आसता जाका खूब शिकून आपली सपनां पुराय करपाची आसता, तो खूब हुशार आसता. जाल्यार दुसरें वाटेन ताचो बापूय आशिल्लो जाका सदांच दिसचें आपल्या चल्यान तरी खूब शिकचें कारण ताका आपल्या बापाय फाटल्यान शेती करची पडिल्ली कारण घरची परिस्थिती विकट आशिल्ली आनी बापूय बरो नाशिल्लो देखून ताका बापायचो धंदो मुखार व्हरपाक खातीर आपल्या सपनांचेर उदक सोडचे पडिल्ले आसता. "आमगेलो रामुलो हुशार जाला एक दिस तोय बी व्हडलो सायब जातलो...." (*सपनाफुलां* पा. क्र. 34) हांगा बापायची आपल्या चल्यान शीकून व्हडलो कोण तरी जावपाची वृत्ती दिसता. तशेंच "व्हडलो सायब करपाचें चिंतचें पयली ताका हांतीत जोत धरूंक शिकय" (*सपनफुलां* पा. क्र. 42) हांगा ताच्या आज्याक शेवग्याक खबर आसा की जर रामुलो शिकून कोण व्हड मनीस जालो जाल्यार मागीर तो शेती वेवसायक तोंड करतलो आनी शेतांत पांय घालपाक विट्टलो. ताका शेत करपाक लज दिसतली. देखून तो आनंदू आनी रामुल्याच्या सपनांचेर परत परत आड येत रावतालो आसता.

"जनेलाच्या हेवाटेन तेवाटेन" ह्या कथेंत निवेदकाक दिसता की आपली आवय बापूय आपणावटया अडेची माया करतात आनी आपल्या भावाक आपल्या परस चड मोग आनी माया दितात. हातूंत एका अपंगूळ चलयेक दिसता की आपूण एका बंदखणींत आसा, घरांत बंदखण आसा आनी त्या बंदखणींत तें फसला आनी सगळीं जाणा ताका विसरल्यात अशें ताका दिसता. "आमच्या बंगल्यांत फाटलेवटेन म्हजी कूड." (*सपनफुलां* पा. क्र. 44) घर म्हणचे परस ताका घरांतल्या फाटल्या कुडींत दवरतात अशें म्हणपाक योग्य थारता. ताका घरांतल्या कसल्याच बऱ्या कार्याक मेतेर जावपाक मेळना ना. ताची आवय ताचें कडेन दिसांतल्यान एक फावट येता, सोयरी खबरीक येल्ल्या वरवी आनी वता. "तशी मम्मी सद्दां सकाळी म्हजे कुडींत येता 'हॅलो लव्ह हॅलो स्विटी'......करीत पोलो तेंकयता." (*सपनफुलां*

पा. क्र. 44) अशें म्हणून थोडीशीं माया करता आनी परत वता हाच्या वेल्यार एका चलयेच्या मनार जावपी अवतिकाय दिसून येता. तशेंच ताच्या आवय बापायक दिसता की ती हाय क्लास सोसायटींत रावतात आनी जायती समाज कार्या करतात पूण त्याच सोसायटींत तांका आपल्याक एक अपंगूळ चली आसा म्हण सांगपाक लज दिसता अशें ताका दिसता. आपल्याक एक अपंग चली आसा हो उणावपण लिपोवपाक ती आपल्या रगताच्या चलयेक एका फाचल्या कुडींत दवरतात हें सांगला. “आमकां लज दिसपासारकें कांय ना बाबा तातूंत. कोणाच्या हातांतल्यो गजाली न्हंय ह्यो! ताच्या नशिबांत ताका हें प्राप्त जालां! ” कोणाच्या नशिबांत कितें आसा आनी कितें आयला ताका कोणूच बदलपाक शकना, ताका घरांत बंद करुन दवरले म्हूण कसलोच फायदो ना हें ह्या कथेंतल्यान कळटा.

रगताचें नातें आनी राग हया गजालींचेर ब्लोसम फोल्स कथेंत आयला. प्रभाकराचो बापूय ताचेर रागार आसता. कारण तो सोरो पियेवन येवन आपल्या आवयचेर हात उबारता आनी आपल्या बापायच्या गोमटेक धरूंक वता. पूण जेन्ना तो भायर पडटा तेन्ना ताचें तोंड पळोवन ताका घट्ट धरुन रडचे कशें दिसता. पूण लोकांक लागून वोगी रावता, आपल्यो भावना भितरूच दवरता पूण मडें व्हरपाक उकलतना ताच्या पोश्यांत मोगरी पडटा तेन्ना तो खूब रडटा आनी आपलो पूत मर मेरेन आपल्या म्हऱ्यांत आयलो ना हें चिंतून काळजाचे उलास सोडटा.

“पप्पा तूं हांसता” ह्या कथेंत सुमीचें आनी आवयचें वेगवेगळे चिंतप पळोवपाक मेळटा. आपली आवय दुसरेंपणांत लग्न जाता हें आयकून सुमीक खूब त्रास जाता तेन्ना तें आपल्या आवय प्रस्नाचेर प्रस्न विचारीत रावता. ताचेर आवयन निर्माण केल्ल्या मानसिक्तेचो खूब कठोर परीणाम जाल्लो पळोवपाक मेळटा. पूण हांगा आवयचें चिंतप वेगळें आयिल्लें दिसता. “बायलमनशेक दादल्याच्या आदाराची गरज आसता....” (*सपनफुलां* पा. क्र. 77) पूण तें आयकूपाक सोदना. तेका आपल्या आवयचो खूब राग येता तें तिचेर आपलो राग उक्तायता लेगीत कारण ताका दिसता आपूण राग केल्यार

आवय वयची ना पूण आवय वचपाक भायर सरता तें आनी तिका कोणूच आडयना अश्या वेळार सुमीक आपल्या आज- आज्याक नाजाल्यार आवयक दोगां भितरल्या कोणाक एकल्या कडेन रावपाचो निर्णय घेवचो पडटा. तेन्ना तें आपल्या आज्याक वेंचता आनी आवय बरोबर वचपाक न्हयकारता.

"वळख" ह्या कथेंत लतुचो बापूय आपली बायल कशीं हें ताका तिची सगळीं कर्तुबा जाणा आशिल्लो पूण तरी आसतना तो आपल्या चलयेक आपल्या बायलें विशीं काय वायट सांगनासतना ज्यो बऱ्यो गजाली आसा त्योच सांगतालो. ताची बायल रेशमा मुंबईय आपली सपनां पूर्ण करपाक म्हळ्यार हिरोइन जावपाक गेल्ली आसता पूण वतना वाटेक अपघात जाता आनी मरता. पूण तो लतूक सदांच बऱ्यो गजाली सांगतालो देखूव लतूक सदांच दिसचे की आपली आवय बरी म्हूण. "एक आसली मम्मी आनी एक आसलो डॅडी, मम्मी आसली परी वरी गोरी गोरी दोळे कशें घारशें, केंस कशें पिंगशें पिंगशें" (*सपनफुलां* पा. क्र. 95) हातूंत ती आपल्या आवयची व्यक्तीरेखा आनी सुंदरताय व्यक्त करता. ह्यो सगळ्यो गजाली तें आपल्या आवय कडल्यान आयकता पूण ताका आपल्या आवयची वायट कर्तुबा खबर नासता. की कशें तरेन ती लग्नाच्या दुसऱ्याच वर्सा आपल्या चलयेक आनी घोवाक सोडून मुंबई आपली सपनां रंगोवपाक वता. हांगा आपल्या बायलेची कोडू वृत्ती आसून लेगीत तो आपल्या बायलेच्यो गोड गोड गजाली आपल्या धूवेक सांगता कारण ताणी आपल्या बायलेचेर उपाट मोग केल्लो आसता.

"नवो जल्म" ह्या कथेंत निरुपा हें एक सादें चली आसता जें दुसऱ्यांक खातीर जगतालें आसता आनी आपलें स्वताचें अस्तित्व खंय तरी विसरून वता पूण जेन्ना ताची मांय आनी घोवाचें चिंतप वेगळें जाता तेन्ना तें स्वताच्या अस्तित्वा खातीर आनी आपल्या गर्भांतल्या भुरग्या खातीर आवाड उठयता "फाटलो फुडलो सगळो विचार करुन पळगतकीर अबॉर्शन करपूच बरोबर जातलें, अशें आईचें म्हणणें"

(*सपनफुलां* पा. क्र.115) निरुपाच्या पोटांत चली भुरगें आसा हें कळना फुडें ताची मांय ताच्या घोवाक भुरग्याचो गर्भपात करपाक लायता. पूण निरुपा पयल्या फावट आपल्या भुरग्याखातीर आपलो आवाज मोठो करतना दिसता आनी आपल्या मांयच्या निर्णयाक पयल्या फावट न्हयकारतना दिसता. चलो वा चली हाच्या भितर भेदभाव जाल्लो ह्या  कथेंत दिसता जंय चल्याक खंय तरी घराचो दिवो कसो मानपाची वृत्ती दिश्टी पडटा आनी चली हिका सदांच कमी दर्जाची मानतात. जंय दोनूय एक समान आसता. हें चिंतून तें ह्या भुरग्याक जल्माक हाडपाक सोदता. निरुपाची आवय स्वता आपूण एक चली आसून लेगीत चली आनी चलो हांच्या भितर असमानताय करतना दिसता.

"चंदनाचो रुख" ह्या कथेंत जायूं ही चली खूब हुशार आशिल्ली आनी तिका संगिताच्या मळार तशेंच शिक्षणांत खूब आवड आशिल्ली, ताका पी.एच. डी करपाची आसता पूण लग्ना उपरांत जेन्ना ताच्या घरची आनी घोव शिकपाची गरज ना म्हूण सांगता तेन्ना तें फाटी सरतना दिसता. "लग्ना उपरांत रोकडेंच संगीता जालें....फाटोफाट हरीश जालो...सगळयांचे मत  डॉक्टरेट मेळोवन कितें फरक पडचेलो आसा!" (*सपनफुलां* पा. क्र. 123) मनशान आपली सपनां जी पळयल्यात तीं पुराय करपाक जाय. लग्न संवसारांत एकदां भितर पावल दवरल्या उपरांत मागीर आपली सपनां पुराय करपाक वेळ मेळना आनी आपली अशीं स्वतंत्र जीण जगपाक मेळना हाचो हुस्को ह्या कथेंत मांडला.

"मुक्त आयज बंद जीण" ह्या कथेत सदां हो काकीबायच्या देराचो चलो आसता पूण तिका ल्हानाचो व्हड काकीबायन केल्लो आसता. काकीबायच्या शिवाच ताचें एकूय काम अडनाशल्ले पूण जेन्ना तो व्हडलो जाता तेन्ना तो आपलें घर सोडून पणजें रावतालो आनी काकीबायक एक पत्र लेगीत बरयनासता पूण जेन्ना ताची बायल बाळंत जाता तेन्ना तो आपल्या आवयक व्हरता. तशेंच जेन्ना ताची आवय बरी ना जावन तिका आरीचें जाता तेन्ना ती हांतरूण धरता तेन्ना अशेंच आपल्या बायलेक त्रास पडटा म्हण सदा काकीबायक आपल्या स्वार्था खातीर पत्र बरयता आनी तिका आपूण व्हरपाक येता

म्हण सांगता. आपणाक हाडला हाचें वयल्यान ती समजता "तशें न्हंय गे....आई अशी हांतुणार पडल्यार .....तिजे सगळे करून ऑफिसांत वचप म्हळ्यार सरुक थोडे त्रास पडनात आईचें सगलें करूंक कोणय दवरतलो म्हळ्यार हाली तेंपार खंय मेळटा कोण? तूं आसल्यार आमकां तितलोच आदार" ह्या कथेंत सदाचें स्वार्थीपण सांगला जंय काकीबायची गरज सदाक फक्त गरजें पूरतीच पडटा आनी आपल्या स्वार्थीपणांक लागून तो काकीबायक व्हरपाक येता नाल्यार ताका तिचो उगडास सुद्दां येना आसता. तशेंच दुसरें वाटेन ह्या कथेंत मोनजाचीचें म्हत्व आनी तांचे आपल्या धनया खातीर प्रेम हाच्या विशी सांगला की कशें तरेन मनशां खातीर कितलेंय केले जाल्यार तो आपल्या स्वार्था खातीर आपल्या मनशाक विसारता पूण मनशाच्या जाग्यार जर मोनजात आसली जाल्यार ती मर मेरेन आपलो मोग दाखयता ती आपल्या मनशाक केन्नाच विसरना.

"चार वण्टी" ह्या कथेंत लता आनी प्रकाश आपल्या भुरग्यांचो फुडार बरो जावचो म्हूण एक नवें घर बांदता आनी तें घर कमीच खर्चान बांदपाचो निर्णय घेतात. "शीण" ह्या कथेंत निर्मला मोरता तेन्ना घरांतलो एकलोय मनीस अप्पा म्हऱ्यांत रावना तशेंच जेन्ना बारावो दिस लागी येता तेन्ना लेगीत अप्पा एकलोच आसता कारण सगळीं जाणा कसलें ना कसलें तरी कारण सांगून थंयसरल्यान कडसरता. "अंजनीन घोवाक पळयलें हांव सांगनासलें? अप्पा घराकडेन बारावो करूंक मुखार सरतलो म्हण? म्हज्यान कांय जावपाचें ना तिची नदर तिडकीन सांगून गेली" (*आमी* पा. क्र. 72) बारावो केल्यार प्रभाकराल्या बायलेचेर काम पडटले म्हूण ती निमतां दिता पूण जेन्ना तो सांगता की बारावो भटागेर करता तेन्ना ती येता.

"गजाल एका जगूची" ह्या कथेंत एकांच घरांत वेगवेगळ्या तरेन चिंतपाची विचार सरणीं पळोवपाक मेळटा. जंय जगूच्या लग्नाचो प्रस्न आसता आनी ताच्या लग्नाची गजाल चलताली आसता अश्या

वेळार जगूकय उमळशिक लागता. "जगूक नोकरीवाली छोकरी जाय तें ताचें माध्यमवर्गाय सपन" (*आमी* पा. क्र. 76) हांगा पयली जगूक नोकरी करपी आनी शिक्षीत चली आपली बायल म्हूण जाय आसता पूण उपरांत ताची लग्न पत्रिका जूळना म्हूण तो लग्न जावपाक तयार आसता. पूण ताचो बापूय म्हाबळूदाद ताच्यो जाल्ल्योच सोयरीको नक्षत्रां पळोवन जुवळां जाल्यार ताका लग्न जावपाक दिना हें दिसता देखून तो आपल्या भावोजी वांगडा मेळून कंप्युटराच्या आदारान जल्मपत्रिका तयार करता.

"वेगळयो वाटो" ह्या कथेंत कुंदाक एक ल्हान चली जाल्ली आसता. एकदम सुंदर आनी बावली कशी. तिका ताची चली सारकी आपल्या वरी साहित्यीक, आनी बापायवरी हुशार जावची अशी दिसतालें पूण ती वेगळींच आशिल्ली ताका चल्या वरी खेळांच चड आवड आशिल्ली. चल्या वांगडा झगडप, आंब्याचेर फातर मारप अश्यो गजाली करपाक खूब आवडटाले आसता. पूण जेन्ना मनूचें लग्न जावन ताका चली जाता तेन्ना ताची चली लाली ताच्या सपनां परस वेगळीं वागता. "दीस रात वाचत पडटा आनी कितलें हट्टी म्हण सांगू?" (*आमी* पा. क्र. 118) हांगा आपल्या चलयेक एक आवय कशें तरेन आपली सपनां मेळोवपाक तेंको दिता आनी आपली वाट मेळोवपाक साथ दिता हाच्या विशी सांगला जाल्यार जेन्ना मनूची चली व्हड जाता तेन्ना ताची आनय ताका समजायता की दर एकल्याक आपली सपनां पुराय करपाक आनी आपणाक जाय तें तरेन जगपाचो हक्क आसा हाच्या विशी सांगता.

तशेंच "तो एक तिस्मारखाँ" कथेंत 'तो' आसा तो खूब तिडकीचो आसता आनी आपल्या चलयांच्या लग्नांक खूब खर्च जाता म्हूण तो बऱ्या बऱ्या चल्यांक न्हयकारता तेन्ना ताच्यो चलयो पोळून लग्न जाता तेन्ना तो तें लग्न आपणायता हें हांगा दिसता. तशेंच "वस्त्रहरण" ह्या कथेंत शांतलाच्या सोयरीकें वेळार तांगेर न्यूडस् चित्र कला आसता जाची तांका खूब लज दिसताली आसता देखून शांतलाची आई आनी घरांतले लोक तें चित्र धापतात. "शांतलान म्हळें आई, व्हडले व्हडले चित्रकार लेगीत असलीं चित्रां काडटात न्यूडस् म्हणटात तांकां. कला मगे ती! तोच नदरेन तिका पळोवंक जाय" (*आमी* पा.

क्र. 118) शांतलाची आई ह्या चित्राक नागडे उगडे चित्र अशें पळयताली आसता आनी ह्या चित्राक लागून शांतलाची सोयरीक मोडात म्हूण भियेताली आसता. तेन्ना पळोवंक आयिल्ल्या म्हवऱ्याक लेगीत तें चित्र आनडटा. त्या चित्रांचे वस्त्रहरण तांच्याच फुड्यान जाता.

"मास्तर म्हणटा" ह्या कथें तजो व्हडलो पूत आसता ताचो आपल्या मास्तराचेर खूब मोग आसता. ताचो शिक्षक जें कितें सांगता तितलेंय तो आयकतालो आसता. "व्हडल्यान म्हळ्ळे मास्तर म्हणटा सोरो पियेवप वायट" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 28) हांगा मास्तरान शिकयल्ल्यो कांय गजाली कुश्ट कितेंय वायट पळयल्यार परत परत घरां येवन सांगता की मास्तर अशें म्हणटा आनी मास्तर तशें म्हणटा तेन्ना घरांत ताची आवय आनी बापूय बाजोवन ताचेर तिडता हें सांगला.

"तश्योय गाळी!" ह्या कथेंत सोयरूक आनी मोगऱ्याक चार चलयो आसता आनी आता मोगरें परत एकदा गुरवार आसता देखून सोयरूची न्हिद लेगीत ना जाल्ली आसता. "चेडूंच जायना मूं?" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 38) सोयरूक पयलीच चार चलयो आशिल्ल्यान ताचो बापूय बाबगो ताका उतरां पावलाक गाळी घालतालो आनी देखून सोयरू आपल्या बापायक खूब भियातालो आसता आनी आता मोगरें परत गुरवार आसता देखून सोयरूक रात दिस आपल्याक चलीच जायत ह्या भंयाक न्हिद लेगीत पडनासता. आता एका फाटल्यान एक चलीच जाता म्हूण सोयरूच्या आवयन आंगवण केल्ली की चलो जाल्यार अशें करतली...तशें करतली आनी आता मोगऱ्याच्या पोटांत जाताले आपलो बापूय परत चेडू जायत जाल्यार आपल्याक गाळी मारतलो ह्या भंयाक तो वचून रानांत लिपिल्लो आसता आनी आपल्याक कोण जाला कांय चलो का चली हें कळपाची तो वाट पळयतालो आसता.

"गायंडोळ" ह्या कथेंत पंढरी वायट भुरग्याच्या छंदाक लागिल्लो आसता देखून घरांत खूब वाद जाता कारण आपलो चलो वायट छंदाक लागून सोरो आनी सिगारां पियातालो आसता पूण बायचो भंय

ताका खूब आशिल्ल्यान तो बापूय घरां येवच्या पयली घरां परता. "परत तूं गादयेर गेलास तर तुज माझ्या गळ्याची शपथ!" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 42) नारायबाब पंढरीक शपथी दिवन आनी आपूण मोरपाच्यो धमक्यो दिवन आपल्या चल्याक वायट संगतिंतल्यान भायर काडपाचो यत्न करता. हांगा लेखिकेक जाल्लो हुस्को लेखिका आपल्या कथांनी व्यक्त करता की कशें तरेन आताची पिळगी फोलगा मारतात आनी बरी संगत सोडून वायट मार्गार वातात.

"बापूय न्हय तो आमचो?" ह्या कथेंत शिरीच्या नांवा मदी बापायचें नांव लागना म्हूण ताका शाळेंत सगळें भुरगें शिरीक चाळयता तेन्ना तो घरांत येवन आपल्या आवय आनी भयणीक प्रस्नाचेर प्रस्न करता आपलो बापूय आसा जाल्यार तो खंय आसा आपल्याक पळोवपाक जाय अशें तो हट्ट धरता. तेन्ना आवय ताचेर मारता तेन्ना आवयची वेदनां दिश्टी पडटा. "म्हाका पळोवपाक जाय बापायक." (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 56) हांगा आपली आवय भुरग्यांक वाडोवपा खातीर अनैतीक संबंद दवरता हें ती आपल्या चल्याक कशीं सांगतली आशिल्ली हाच्या विशी लेखिका सांगता.

"तळमळे" ह्या कथेंत बाप्पाची चली एका म्होवाल्या बरोबर पळून वचून लग्न जाल्ली आसता.ती आपल्या आवय-बापायच्या मर्जे आड वचून लग्न जाल्ल्यान बाप्पा ताचो धबको बसलेलो आसता . बाप्पान एक पिल पोशिल्ले आसता आनी तें माजर आता गाबणें जाल्ले आसता. तो आपल्या माजराची अपुरबाय अशीं करतालो आसता की ती ताची स्वताची चली. "ताच्यो खबरी म्हाका सांगू नाका" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 61) जेन्ना ताची बायल ताका चलयेच्या यादी विशी सांगतली तेन्ना बाप्पा ते काना मनार घेय नाशिल्लो तशेंच अशें कळटा की ताची चली गुरवार आसा. माजर एक दीस खूब तळमळटा कारण ताच्या पोटांत जातालें आसता फुलूचें तळमळे पळोवन ताचे मन वळटा आनी तो आपल्या चलयें विशी चिंतपा लागता. आवय बापायचो आपल्या भुरग्यांचेर मोग खूब मोग आसता पूण कांय गजाली तांच्या मनाआड जाल्या उपरांत तांका हाचो त्रास जाता हें ह्या कथेंतल्यान कळटा.

"मोगरे कळे.....निळे निळे" ह्या कथेंत पपू हो चलो आपल्या बापाकय शाळेंतल्यान घरां परततना आपलो बापूय एका बायलें बरोबर दिसता त्या बायलेची फाट आशिल्ल्यान तो तिका आपली मम्मी म्हूण समजता. "डॅडी, तुका आनी मम्मीक हांवें येदोळ बाजारांत पळयिल्ली. मम्मी बरी तांबडीच साडी न्हेशिल्ली" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 105) तेन्ना जेन्ना पप्पू घरांत आवयक आनी बापायक विचारता तेन्ना ती आपूण न्ही म्हूण सांगता तेन्ना पप्पू आपूण डॅडीक पळयलाच म्हणपाचो हट्ट धरता आनी आपूण डॅडीक उलो लेगीत केल्लो हाच्या विशी सांगता तेन्ना बापायचो राग आनी आवयच्या मनार जाल्लो परिणाम जाल्लो दिसता. कशें तरेन आपल्या घोवाच्या विशीं तिची चिंतप बदलता हाच्या विशी ह्या कथेंत सांगला.

"सुकण्या पिला रे" ह्या कथेंत ह्या कथेंत रगल्याची आवय मेल्या उपांत ताची मावशी ताका आपल्यागेर घेवन वता आनी ताका कांयच उणें पडपाक दिना. मावशी रगल्याक सवत आवय कशी आसता हाच्या विशी सांगता, तो तें समजून घेता आनी जेन्ना ताका कळटा की आपलो बापूय परत लग्न जाला तेन्ना तो चिंतून रडपाच लागता पूण जेन्ना ताका कळटा की सवत आवय सुरगें म्हण तेन्ना ताका दिसता की सुरंगे सवत आवय वरी वागचें ना कारण तें ताका वळखतालो आसता. "सुरंगें? म्हजे दोळे लिकलिकले आवय! सुरंगे म्हणून सवती आवय जाता? " (*सपनफुलां* पा. क्र. 23) तें आपल्याक आवय वरीच करतले आनी आवय बरवीच मोग करतले कारण आपली आवय भायर पडल्या उपरांत तेंच आशिल्ले जें ताका आपल्या आवय वरी आपल्या कुशीक घेवन न्हिदिल्ले. जेन्ना आपल्या बापाय वांगडा परत घरां परततना तो मावशेंक एकाच खिणांत हात दाखोवपाचें सुद्दा विसरून वता. जी मावशी जाणी रगल्याक आवय फाटल्यान मोग आनी माया दिल्ली आसता आनी ताका कांयच उणें पडपाक दिना, तिका तो आपल्या घरा वचपाचें खोशयेन आनी आपल्या इश्टांक मेळपाच्या खोशयेन एकांच खिणांत विसरता. तेन्ना मावशेंच्या मनाचेर जाल्ली अवतीकांय दिश्टी पडटा. तिच्या हातांतले सूप लेगीत सकलय पडटा आनी तातूंतले तांदूळ सगळ्याक शिपडता कारण मावशेंक आपलें स्वताचें भुरगें

नाशिल्ले देखून हें उणावपण कणी करपाक ती रगल्याक आपल्या भुरग्यावरवी मोग करताली आनी ताका ती आपलोच भुरगो कसो मानताली हें ह्या कथेंत लेखिकेन मांडला.

ह्या तरेन दर एका घराब्यांतली वा पारीवारांतल्या मनशांचे विचारभेद पळोवंक मेळटात. आपल्या मनांत जें कितें आसा वा आपल्याक जें कितें दिसता तें ह्या कथेंच्या माद्यमांतल्यान ह्या कथेंत हाडिल्ले दिसता. स्वताचें अस्तित्व आनी आपल्या घरच्यांची विचार सरणी हाका धरुन हो उपघटक आदारिल्लो आसा.

**संदर्भ**


1. काकोडकार, मीना. *दोंगर चंवरल्ला*. सोबीत साहित्य प्रकाशन, मडगांव- गोंय, वर्स- 1979.
2. काकोडकार, मीना. *सपनफुलां*. चंद्रकांत केणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, वर्स 1990.
3. काकोडकार, मीना. *आमी*. चंद्रकांत केणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय, 2011.
4. गांवकार, भालचंद्र. *कोंकणी भास आनी साहित्य*. फोंडें- गोंय.1998 .
5. हळर्णकार, तानाजी. *कोंकणी विश्वकोशक -खंड 2*. ताळगांव- गोंय, 1997, पा.508 .नं .
6. हळर्णकार, तानाजी. *कोंकणी विश्वकोशक –खंड 1,2,3*. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव- गोंय,2004 .
7. कळेकार, रवीन्द्र. *हांव आत्मसंतुश्ट साहितीकार*. जाग प्रकाशन, जून 2005, पान क्र 13, मुलाखत मीना काकोडकार.
8. सरदेसाय, लक्ष्मणराव. *कथाशिल्प मीनाबायच्यो कथा*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ- गोंय, पान क्र 18.

## प्रकरण : पांचवें

### 5. कथेंतलीं समाजीक मुल्ल्यां

5.1. कथेंतलें समाज जिवन

5.2. बदलतीं जिवन मुल्ल्यां

5.3. ग्रामीण जिवन आनी मानसिकता

5.4. बायलांचें विश्व

5.5. बाल विश्व

# 5. कथेंतलीं समाजीक मुल्ल्यां

## 5.1. कथेंतलें समाज जिवन

"समाज म्हणल्यार लोकांचो चोंबो जांचो धर्म, संस्कृती, रिती-रीवाज आदी एकाच तरेचे आसता. ती एकेच कडेन जगतात आनी आपलें ल्हान व्हड निर्णय एकमेकांक विचरुन घेतात."[1]

समाजांत लोक एकामेका कडेन एकठांय रावतात आनी तांच्यो चाल, चलणुको, जाली, रिती मनयतात. समाजांत लोक रावतात आनी ताचें वेगवेगळें मानप आनी ना मानप आसता हें मीना काकोडकरांनी आपल्या कथांनी दाखयल्लें आसा.

मीना काकोडकारांच्या कथांनी आयिल्लो समाज म्हळयार घरगुती जिवीत, पारिवारीक घराब्यांत मनशांनी केल्लो संघर्श. जिवनांत लगपी दर एक घडणूक आनी प्रसंगाचो अभ्यास करून बरयल्ल्यो कथा आसात. तांच्या कथा संग्रहांनी कांय समाजीक नेम आनी बंदना तोडपी कथा आयल्यात. त्यो म्हळयार चलो आनी चली हांच्या भितर जावपी भेदभाव, घोव मेल्ली बायल आपल्याक सांगात जाय ह्या सोदान पुनरविवीह करपी बायल मनीस, तशेंच बायल आसून लेगीत दवरील्लो अनैतीक संबंद, घोव नासतना दुसऱ्या हेर दादल्या कडल्यान जावपी भुरगीं वा आदी सारकिल्यो कांय कथा आसपावतात जंय समाजीक रिती आनी कायदे मोडून उडोवन भायर सरिल्ल्यो कथा तांच्या साहित्यांत आयल्यात. तशेंच आदल्या काळां वेले नेम आनी विचारधारा घेवन चलपी समाजाचें दर्शन तांच्या कथांनी जाता.

लक्ष्मणराव सरदेसायाच्या मता प्रमाण "मीनाच्या कथांचें थिम्स......हें चड करून सत्य सनातन आसतात......कसल्या नाट्या बगर जिवी व्यक्तिचित्रां रेखटपाची मीनाची तांक मोटी, खंयच्याय कथेंत ती दिसून येता."[2]

ह्या कथा संग्रहांतल्या मुखेलपणांत आपले परकी, शीण, गजाल एका जगूची, भिरांत, चार वण्टी, कुंकुमार्चन ह्यो स कथा जाल्यार सपनफुलांतल्यो सुकण्या पिला रे, आडांगी, ब्लोसम फॉल्स, अशी सपनां अशी जीण, जनेलाचे हेवटेन तेवटेन, तूं चल्ली तिल्लम्मा, पप्पा तूं हांसता, पारजतां पारजतां, नवो जल्म, देवतवशीं ह्यो धा कथा तशेंच दोंगर चंवल्ला हातूंत तश्योय गाळी, बापूय न्हय तो आमचो, तळमळे, अपुरबायेचें, स्वीट ड्रीम्स, मोगरे कळे निळे निळे आनी सुकण्या पिला रे ह्या सात कथांच्या आदारान समाजीक नदरेन अभ्यास केला.

हाची देख घेतली जाल्यार 'आपले परकी' ह्या कथेंत दोन पिळगे मदली विचार सरणी पळेवपाक मेळटा. जंय आतीबायक आपली लग्न करून दिल्ली चली परकी दिसता आनी लग्न केल्ले चलयेक कुळाराच्यो गजाली कळपाक दिवप ना असो समज आसा. तशेंच लग्न करून दिल्ल्या चलयेगेर वचून रावप ना हो समज दिसता. आपल्या चलयेन कितलीय मोग- माया दाखयली तरी ती परकी आसता आनी सून कुसक्या पणांत वागून लेगीत ती आपल्या घरची आसता. ह्या कथेंत चलो आनी चली हांचो फरक केल्लो दिसता.

जाल्यार "शीण" ह्या कथेंत एकादो मनीस मेल्या उपरांत ताचो बारावो दीस वाडप जाता. बाराव्या दिसा मेल्ल्या मनशाच्यो सगळयो इत्सा पुराय जाल्यारच कावळो काकोळाक चोंच लायता ही भावना दिसता. ह्या कथेंत कावळो रोकडोच काकोळाक येवन चोंच लायता म्हूण अप्पाक वायट दिसता आनी आपल्या बायलेन आपलें चिंती नासतना काकोळीक चोंच लायली म्हूण अप्पा शीणटा. ह्यो समाजमान्य रिती लेखिका मांडटा. 'गजाल एका जगूची' ह्या कथेंत दोन वेगळे प्रवृत्तीचे मनीस दिसतात ते म्हळयार जगू आनी म्हाबळूदाद. जंय आपल्या चल्याचो वय वाडटा हाचो भान दवरीनासतना बापूय जल्म पत्रिकेचेर विश्वास दवरता आनी बऱ्यो बऱ्यो सोयरीको तोडटा. जाल्यार भावोजी रिती आड वचून नवीन तंत्राच्या आदारान एक नवी पत्रिका तयार करता. ह्या कथेंतल्यान बापायचें मत अशें "हे वाटेन लग्ना जातात थंय आसात ते वाटेन मोडटात. देखूनच हांव पत्रिका पळयले शिवाय जगूचे लग्न निकालस करचो ना." (*आमी* पा. क्र. 77) हांगा दोन सोयरीके खातीर भटणीगेर वचून राहू केतू पळयतात. हांगा लेखिका

आपलो विचार व्यक्त करता तो म्हळ्यार आमी सगळ्याच गजाली खातीर रिती रिवाजांचेर अवलंबून रावपाची गरज ना पूण कितेंय बरें करपाक आपल्या बुध्दीचो वापर करून दुसरी वाट काडू येता.

' भिरांत' ह्या कथेंत मनीस जाणटो जालो काय आपल्याक आपलीं मनशां घरा भायर घालीत काय ही भिरांत मनांत आसता. हांगा काकीबायच्या मनांतल्यान सामाजीक जीण वास्तवाची भिरांत मांडपाचो यत्न केला. ह्या कथेंत समाज जरी बदलत गेलो तरी समाजांत आपल्या जाणट्यांक सांबाळपाच्या भारतीय निती मुल्ल्यांचेर ह्या कथेंतल्यान उजवाड घाला. पुनमाक मांयच्या मनांतलो भंय करपाचो हावेस आसा हाची देख म्हणल्यार "तुमी घरांत आसात होच आमकां धीर कसो. राजू तर तुमचे बगर रावना" (*आमी* पा. क्र. 141) ह्या कथेंतल्यान आपल्या मनशांक सोडून वृध्दाश्रमांत वचपाचो भंय आनी आपल्या मनशांक सांबाळपाची धडपड हाचेर उजवाड घातिल्लो दिसता.

तशेंच "चार वण्टी" ह्या कथेंत दोन पिळग्या मदलो विचारभेद आयिल्लो दिसता. गांव आनी शारीकरणाचें चित्रण आयिल्लें दिसता. लताचें म्हणणें, "ल्हानशीच कांय जायना, आपली मठी आसची.....घर तें घर..... रांग काडटा- हाका, ताका विचारूंक नाका. टाकी उसपिता कोण्णाचें परमिशन लागना......" (*आमी* पा. क्र. 38) तांका आपलें अशें घर जाय आसता पूण आपलें स्वताचें घर बांदता आसतना ती आपलें पुर्वजाचें घर कामाक आयल्या हाच्या बद्दल खबर आसून लेगीत ती ताच्या बद्दल दुर्लक्ष करतात. हांगा नवें घर उबें जातना पोगणे घर मोडून पडटा. पिळग्या प्रमाणे साधनांचे म्हत्व पोरणें जाता ह्या समाजीक वास्तवाचें चित्रण ह्या कथेंत जाता. हांगा ती आपलें नवें घर बांदपाक पयशे खर्च करपाक तयार आसतात. आपल्या बापायन जी सपनां घेवन घर उबारिल्लें हें ती एकाच खिणांत विसरून वतात.

"कुंकुमार्चन" ह्या कथेंत समाजांत चलत आयिल्ल्यो रिती रिवाजांक कोणें आडावंक येना हाच्या बद्दल सांगला. एकादो मनीस जर आपूण ठाम रावलो आनी कांय गजाली बदलतलो हाचेर निर्णय घेतलो

जाल्यारुच कांय गजाली बदलूंक शकता. ह्या कथेंत निला आपल्या मांयक समाजीक बंदनांचो विचार करीनासतना देवाक पिंजर घाल म्हूण सांगता. "देवाक पिंजर घालात....मनशांनी घातिल्ली बंदना! जाच्या मुखार भक्तितन हात जोडटा त्या देवान कांय घाल्लीं न्हय" (*आमी* पा. क्र. 61) अशें तरेन तिका थारयता आनी देवाक पिंजर लावपाक आदार दिता.

जाल्यार "सुकण्या पिला रे" ह्या कथेंत गरिबीचें चित्रण केला. जशें रगल्याची उतरां "आयो आनीक हांव एक फावट जात्रेक गेलेली आनी तेन्ना बशींतल्यानूच गेल्ली. आयज परतून बशींतल्यान मोव शिटार बसोक मेळटलें" (*सपनफुलां* पा. क्र. 18) रगल्याची आवय मेल्या उपरांत ताची जी अवतिकाय जाता ती सांगल्या. समाजांत आयिल्ली सवती आवय. भुरगे नाशिल्ल्या बायलेच्यो वेदना मावशेच्या चित्रणांतल्यान आयल्यात.

"आडांगी" ह्या कथेंत उच्च वर्गीय ब्राह्मण समाज आनी भोवजनाचें चित्रण आयिल्लें पळोवंक मेळटा. शालगो हो उच्च वर्गीय भुरगो जाच्या घरांतल्या घरंदाज पणांतल्यान, हे दिसून येता. जाका कुश्टाल्या आजेल्यो काणयो आवडटात. ह्या काणयांनी भौसंख्याचो ताळो आसा शील अशलिलता सोडून आयिल्लें चित्रण मेळटा. कुश्टाची आजी जेन्ना काणी सांगता तेन्ना तिच्या काणयांनी 'गू' बी आयिल्लो मेळटा. मीना काकोडकरांच्या मतान "ही विनोदी कथा"[3]

घरच्या वेवसायाक धरून येवपी ही कथा "अशीं सपनां अशीं जीण" ही कथा शेती वेवसायाचेर आदारिल्ली आसा. शेती वेवसाय करून आपलें पोट भरपी कुटूंब. जंय रामुलो आनी आनंदू रामुलो शिकून व्हड जावचो म्हण सोपनां पळयतात. "आमच्या पोरांनी मळबांत उडपाचें हावेस धरूंक फावना. आमचीं पाळां मातयेंत रोमल्यात तीं तोडून उडोप सोपें न्हू रे. मळबांत उडोवंक पाकाट्यांक शक्त जायी, ना जाल्यार मळब पैस उरता आनी पांयापोंदची जमीन सुट्टा." (*सपनफुलां* पा. क्र. 37) शिकून कांय जावचें ना आनी रामुलो शिकलो जाल्यार शेतांत पांय घालचो ना हें तो जाणा आशिल्लो. सकयल्या

समाजाच्या शिक्षणा विशींची मानसिकता तातूंत शिक्षणाच्या गरजेंत भुरगीं शेतां पासून पयस वचपाचो भंय हाचेर लेखिका भर घालता.

"जनेलाचे हेवाटेन तेवाटेन" ही कथा दोन घराब्यांचेर आदारिल्ली आसा. जंय एक घराबो गरीब आनी दुसरो श्रीमंत आसता. दोगांयच्या घरान अपंगूळ भुरगीं आसतात. एकलो पांयांनी अपंगूळ आनी दुसरो मानसीक नदरेंत अपंगूळ. मानसीक नदरेंत अपंगूळ आशिल्लें भुरगें सगळो गांव भोवता. आपल्या आवयची लज लेगीत काडटा पूण ताका कोणूच कांय म्हणिनात. वयल्यान ताचें नशीब म्हूण ताका समजून ओग्गी रावतात. जाल्यार दुसऱ्या वटेन सुशिक्षीत घराणें आपल्या अपंगूळ चलयेक परक्या वरवीं वागयता आनी ताका फाटल्या कुडींत बंद करून दवरतात. परक्या लोकांक आपलें म्हूण मानतात. हांगा मनीस शिक्षित आसून लेगीत अशिक्षिता वरी वागता आनी शिकूंक नाशिल्लो मनीसूय समजीक आसता हें दिसून येता. "तूं चल्ली तिलम्मा" हांगा कामाक लागून आपलो गांव सोडून आयिल्ल्या जोडप्या बद्दल सांगला आनी दुबावाक लागून कशें तरेन संवसारांत बादा येता हाचेर उजवाड घाला. "तिल्लम्मा आनीक कोणाकय भुल्ली आसत काय, घडये आपूण तिका भुरगें दिवक शकलो ना म्हण ही पिशी कितेंय करूंक मुखार सरली आसता काय" (*सपनफुलां* पा. क्र. 53) ह्या कथेंत अनैतीक दुबाव लागून घोव गोळ दिवन आपलो जीव वोगडायता. हो लोक अशिक्षित आसलो तरी तांका बायलेचो मान व्हड आसता. भशटायिल्ले विचार लेगीत हांगा घोवाच्यान सोसूं नज जाता. एक बायल परकी दादल्या कडेन उलयली जाल्यार एकामेका वांगडा सर करपाची मानसिकता ह्या लोकां मदी आसा.

"ब्लोस्म फॉल्स" ह्या कथेंत दिसता. पूत आनी बापाय मदलें मोन्या मायेचे नातें दाखयला. जय पुतान दिल्ल्यो कोडू यादी ताच्या मनांत आसतात. पूण जेन्ना तो भायर पडटा आनी ताचे मडे घरांत आसता तेन्ना तो ताच्या म्हऱ्यांत वचना ओग्गी भायर बसून रावता देखून ताका सगळें लोक फातरा काळजाचो

म्हूण समजतात पूण तो राविल्लो, केन्ना हें लोक भायर वतले आनी आपूण आपल्या पूताक घट्ट वेंगेंत घेवन रडटलो पूण तो म्हणसर मडे व्हरपाक उखलतात आनी भायर बशिल्ले कडेन मड्यावयले एक मोगरे ताचेर पडटा आनी ताचो परमळ सगळी कडेन पातळटा तें मोगरें तो पोशांत धरता. बापूय रागार आसलो तरी ताका आपली चूक जाणवता आनी तो खूब रडटा आनी मडें उखलून व्हरतना आपलीच भुरगी म्हण बापूय माफ करता आनी आपणायता.

"पप्पा तूं हांसता" ह्या कथेंत आपलो स्वताचो निर्णय घेवपी बायल मनीस दिसता. एक मध्यम वर्गीय समाज मेळटा. त्याच बरोबर ल्हान चलयेची मानसिकता दाखयल्या. सुमीचो बापूय मेल्या उपरांत स वर्सानी ताची आवय दुसरें लग्न करपाक तयार जाता. तेन्ना तें आपल्या आवयक आडायता आनी जायते प्रस्न तें विचारता. आपली आवय जें कितें करता तें ताका सगळें वायट दिसता. तिच्या निर्णयाक घरची कोण आडखळ हाडिनात वयल्यान तिच्या मनाच्यो वेदना समजून घेवपाचो यत्न करता. हांगा घोव मेल्ल्या बायलेक लेगीत आपल्या फुडल्या जिवीताचें चिंतू येता अशें दिसता.

"पारजतां पारजतां" ह्या कथेंत दुयेंस जाल्ल्या मनशाकय कशें रितीन सामाळू येता. त्या वातावरणांत स्वताक साबांळपाक मनशाचो आदार कितलो गरजेचो ते दाखयला. केन्सरा सारकिलें दुयेस जाल्ल्या शशिक ताची घरची, इश्टां सांगात दितात तशेंच खुशाल दवरपाचो यत्न करतात त्या दुयेंसांत जावपी त्रास सोंसपाक ताची घरची ताका सांगात करतात आनी ह्या दुयेंसांत कश्ट काडून कशी ताची जिण सोंपता हें दाखयला.

जाल्यार "नवो जल्म" ह्या कथेंत एक उच्च वर्गीय ब्राम्हण समाज दाखयला जांच्या घरांत लोक कामाक आसतात पूण समाज सुदारणेंचो जेन्ना विशय येता तेन्ना ताचे बाबतीन हो घराबो खूब फाटी आसा. चलो चलये मदी भेद करपी समाजीक मानसिकता पळोवपाक मेळटा. जंय निरुपाची मांय आपल्या सूनेच्या पोटांत चलयेचो गर्भ आसा म्हूण कळ्ळयां उपरांत आपल्या पुताक सांगून त्या भुरग्याक मारुंक

लायता. ताका हरशी निरुपाक कळ्ळ्या उपरांत ताच्या अंतस्कर्णांतल्यान आवाज येता आनी ताच्या पोटांतली चली आपल्याक मारुं नाका, आपल्याक संवसार पळोवपाक जाय म्हूण सांगता.

"देवतवशीं" ह्या कथेंत उच्च वर्गीय आनी भोवजन समाज "देवयानी बांयचे वेल्या.....उदक हाडटना ताचो विस्तीद वोलो जाता आनी त्याच वोल्या कपड्यांनी तें सगळो दीस वावुरताले ते बदलून सुके कपडे घालचो फोर्स ताका कोण करनासलो, म्हाका मात कुसभर आंगाक वोलसाण दवरूक दिनासली." (*सपनफुलां* पा. क्र. 144) हाचेवयल्यान भोवसांतल्या देवयानीक विचारपी काळजी घेवपी कोण नाशिल्लो जाल्यार निवेदकेची काळजी सगळेच घेताले. हो दोन समाजा मदलो भेद दिसून येता. देवयानी ही गरीब चली. देवतवशीं खाल्लीं तेन्ना कोडुसाणेंतल्यान गोडसाण तें चाखता आनी जिणेंत जें कितें मेळ्ळा तातूंत खुशाल रावप ताका बेस बरें समजल्लें आसता. "गांयडोळ" ह्या कथेंत जेन्ना पंढरी वायट भुरग्यांच्या सांगाताक लागून वायट मार्गार वता तेन्ना समाजांत लोक कश्या तरेन उलयतात आनी आवय बापायच्या मनार जाल्ली अवतिकाय ह्या कथेंच आयिल्ली दिसता. "बापूय न्हय तो आमचो" ह्या कथेंत आपलो बापूय कोण हो प्रस्न परत परत मनांत येवपी भुरग्याची वत्ती दाखयल्या. " शिरीक बापूय ना." अशें तरेन सगळें शाळेंतले भुरगें लेगीत शिरीक खूब चाळयताले आसता. देखून तो घरा येवन आपल्या भयणीक आनी आवयक परत परत एकूच प्रस्न विचारतलो "शोभल्या, आमकां बापूय ना गो? " हांगा जर एकादो भुरगो आपल्या बापायले नांव मदी लावच्या जाग्यार आवयचे लायत जाल्यार समाजांत कशें तरेन त्या भुरग्याक पळयतात आनी प्रस्न करतात हाच्या विशी मांडला.

"तळमळे" ह्या कथेंत जेन्ना एक चली आपल्या आवय बापायच्या विरोधांत लग्न जाता तेन्ना समाजांत तें लग्न मान्य करुन घेवपाक कितलो त्रास जाता. आवय बापाक आपली चली पळून लग्न जाल्या उपरांत ताच्या मनार जाल्ली अवतीकाय जाल्ली ह्या कथेंच दिसता. आपली चली मोवाल्या बरोबर पळून वता तेन्ना तिच्या यादीच्या तळमळयांत बाप्पा सारको भरकुटून वता तेन्ना तो एक मांजर हाडटा आनी ताका आपल्या धूवे वरी मोग दिता आनी तिची अपूरबाय करता. जाल्यार "मोगरे कळे निळे निळे" ह्या कथेंत पप्पू आपल्या बापायक एका दुसऱ्या बायले बरोबर पळयता. "...खरेंच डॅडी, तूंच तो.

हांवे सारको पळयला ---" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 106) ह्या कथेंत पप्पू आपल्या बापायक दुसरें बायले वांगडा पळयता म्हण तो घरां येवन आपल्या बापायक आनी आवयक सांगता पूण बापूय तो आपूण म्हू म्हणटा. हांगा पप्पूचो बापूय अनैतीक संबंद दवरता जे समाजांच मान्य ना. एक बायल आसतना दुसऱ्या बायले वांगडा अनैतीक संबंद दवरप समाजांत मान्य ना हें ह्या कथेंत सांगला.

मीना काकोडकार हांच्या कथांनी चडांत चड जें समाजदर्शन घडयला ते चड करुन वयल्या समाजाच्या वर्गांतल्या मनशांचे आसा. सकयलो समाज तो तांच्या कथांनी कांय कडेन गरजें पुरतोच आयिल्लो आसा. तांच्या वागणूकांतल्यान, तशेंच उलोवपांतल्यान आनी कथांनी घडिल्ल्या घडणुकांतल्यान हें दिसून येता.

## 5.2. बदलती जिवन मुल्ल्यां

जशें दिस वता तशें नव्यो नव्यो वस्तु आनी नवी जगपाची पद्दती मनीस आपणायता तशेंच तरेन जसो समाज बदलता तसो मनीस लेगीत बदलता. तशेंच समाजांत जावपी बदल मनीस आपणायता. तशेंच तरेन मनशाच्या जिवनाची जीं मुल्ल्या आसात तातूंत कसो बदल जाता हें मीनाच्या कथांनी पळेवपाक मेळटा.

"मनीस स्वभावाच्या सत्याचे मीनाबायक दर्शन जाला. ताणे तिका एक व्हडलो मंत्र दिला. होच तिच्या कथांचो आत्मो. तांच्या बळग्यार मीनाबायचे तंत्र साकार जाला. त्याच तंत्रान आप जिवें स्वभावरेख तयार जाता आनी जिवें वातावरण कथासुत्रां भोवतणी पातळटात."[5]

मनशान समाजांत रावन एकामेका कडेन बरें संबंद जोडल्यात. जेन्ना मनीस आदले नेम सोडून नव्यो गजाली वा नेम आणायता तेन्ना ताचे आदले विचर बदलतात. ताका बऱ्या- वायटामदी फरक जाणवता. जें कितें बरें आसा ते तो आपणायता आनी बदलत्या जिवनाचो भाग जाता. जशें, पयली चलो- चली हाच्या भितर फरक करपाचो भेद आशिल्लो पूण आताच्या बदलत्या काळार तांका समान मानतात,

ताका समान शिक्षण दिवपाक भेदभाव करनात. हाचेवयल्यान कळटा, समाजांत सुदारणा जाता आनी नवी जिणें मुल्यां आपणायता. मनशान आपली चिंतन शक्त वापरुन नव्यो गजाली आपणावपाक जाय.

सपनफुलां ह्या कथासंग्रहांत जनेलाचे हेवाटेन, तूं चल्ली तेल्लम्मा, पप्पा तूं हांसता, नवो जल्म जाल्यार आमी संग्रहांत आमी, चार वणटी, कुंकुमार्चन, गजाल एका जगूची ह्या कथांचो नवी वा बदलती मुल्ल्या पळयतना विचार केल्लो आसा.

हाचे उदाहरण म्हळ्यार "जनेलाच्या हेवाटेन तेवाटेन" ह्या कथेंत दोन घराबे दाखयल्या एक गरीब आनी दुसरो गिरेस्त घराबो. जय गिरेस्त घरांतली मनशां आपल्या अपंगूळ चलयेक एका घराच्या फाटल्या कुडींत दवरता. तांका आपल्या धूवे वांगडा वेळ सारपाक तांका वेळ ना. जंय ती भायल्या मनशांक लागून सोशल सर्विस करतात पूण आपल्या धूवे वांगडा वेळ सारपाक ताका वेळ नासता. घरांत पार्टी आसल्यार लेगीत ताका भायर हाडिना. पयली संवसार म्हळ्यार घोव, घर आनी भुरगीं इतल्यापुरतेंच मर्यादीत आसताले. आता नोकऱ्यांक लागून लोक दुसऱ्या वाठारांत वचपाक लागल्यात. " तूं चल्ली तिल्लम्मा" ह्या कथेंत घटमाथ्यावयल्यान आयिल्ले जोडपें दिसता. जंय ती आपली स्वताची झोपडी बांदतात. आपल्या झोपडेंत दुसरो कोण येल्लो हाचो ताका भान लागता आनी तेन्ना सुबण्णाच्या मनांत आयिल्ले विचार "संद मेळटा तेन्ना, शांतम्माचो दादलो संगम्मागेर आनी संगम्माचो दादलो गंगाव्वागेर वता.......आनी आपूण कामाक वतकच आपल्या फाटल्यान अशें किते घडटा आसत काय " (*सपनफुलां* पा. क्र. 52) हांगा ताका आपल्या बायलेविशी दुबाव निर्माण जाता पूण तो तिल्लम्माक कांयच विचारीना आनी भितरल्या भितर घुस्पट्टा आनी गोळ दिवन मरता उपरांत ताचे बायलेक समाजांत विदवा म्हूण जगचे पडटा.

जाल्यार एक बायल आपल्या स्वताच्या अस्तित्वा खातीर आनी आपली जीण परत वसोवपाच्या हातून आपलो स्वाचो निर्णय घेता हे "पप्पा तूं हांसता" ह्या कथेंत दिसता. हांगा एक घोव मेल्ली बायल आपल्या जिवनांत एका सांगात्याची गरज आसा म्हूण जाणवतकच परतून लग्न जावपाक सोदता. तिका

सुलू म्हण चली आसता, ती ताका घेवन वचपाक सांदता. "....सुमी, बायल मनशेक दादल्याच्या आदाराची गरज आसता." (*सपनफुलां* पा. क्र. 77) एका बायल मनशेक दादल्याचो सांगात लागता अशें तरेन ती आपल्या चलयेक सांगपाचो यत्न करता. सुलू ल्हान आसून लेगीत तें आपल्या आजी आनी आज्याचे चिंतता आनी तांच्या वांगडा रावपाचो निर्णय घेता. घरचीं सुद्दा ताच्या निर्णया आड येनात. "कांय म्हणू नाका ताका. ताका कळ्ळां आसतलें. आजेन ओंठावयली उतरां गिळ्ळी." (*सपनफुलां* पा. क्र. 79)

तशेंच एक बायल मनीस आपल्या गर्भांतल्या भुरग्याक कशें तरेन घरच्या आड वचून सांबाळटा हें "नवो जल्म" ह्या कथेंत आयला. चली भुरगें नाका म्हणपाचे निरुपाच्या मांयन आपल्या चल्या परेशाक सांगले. "तिणें म्हणले....हाली काळार जंय दोना वयर भुरगीं जावंक दिनात, थंय चड चलयो जावंक दिल्यार कशें जातले" (*सपनफुलां* पा. क्र. 113) अशें ते आपल्या मांयक सांगता आनी गर्भपात करपाक दिना. तें आपल्या भुरग्याक मारचें ना म्हूण निर्णय घेता. चलो जाव चली तें ताका जल्माक हाडटले अशें ते थारायता आनी जियेवपाचो हक्क सगळ्यांक आसा म्हणणपाचे ते थारायता.

"आमी" ह्या सुमी ह्या चलयेक शिकपाची खूब आवड आसता तें कशेंय करुन आपल्या घरच्यांच्या आदारान आपले शिक्षण पुराय करता आनी उपरांत आपल्या भावाच्या शिक्षणांक मदत करता. ताच्या व्हडल्या भयणीक ताईक घरचें परिस्थितीक लागून आपले शिक्षण अगद्यारच सोडचे पडटा. "ताईक शिकचेली आवड आशिल्ली, पूण ताका कॉलेजांत धाडप दादूक शक्य नाशिल्ले." (*आमी* पा. क्र. 3) हो आधुनीक काळांत शिक्षणा कडेन पळोवाचो आधुनीक दृश्टीकोन दिसता. जाल्यार "आपले परकी" ह्या कथेंत आतीबाय चलो आनी चली हाच्या भितर फरक करता. चलो म्हळ्यार घरचो दिवो आनी चली म्हळ्यार परकी हो दृश्टीकोन दिसता. "तुजे मम्मीक कशीं दितलें हांव? ती आतां आमची उरुंक ना, लोकांची जाल्या." (*आमी* पा. क्र. 35) अशें ती बनूक सांगता. तिची नात बनू तिका चली आनी चलो ही एक आनी लग्न केल्ली चली परकी न्हय हाच्या विशी समजयता.

चार वण्टा ह्या कथेंत आपले स्वताचे घर बांदतना आपल्या बापायन काडिल्ले पयलीच्या घराक त्रास विसरतात आनी आपली सपनां रंगतना आपल्या बापायन बांदिल्ल्या पोरण्या घराकडेन फाट करता आनी आपल्या नव्या घराचो घर प्रवेश करतना नवें घर थांय मोडून पडटा. "कुंकुमार्चन" ह्या कथेंच माव मेल्या उपरांत मांयक कशें तरेन समाजांत केल्ल्या रिवाजांतल्यान भायर काडटा. तिका सून जगपाक शिकयता. घोव मेल्या उपरांत बायलेन देवाक दिवो पेटोवप ना वा कुमकुम लावप ना हाच्या बद्दल सांगला तेन्ना सून तिका त्या रिती आपणावपाक न्हयकारता आनी ह्यो रिती समाजांत केल्या म्हणपाचे समजायता आनी तिच्या हाताक धरुन ती कुकूम देवाक लायता.

"गजाल एका जगूची" ह्या कथेंत एकाच घरांत दोन वेगळ्यो मानसिकता धरुन जगपी मनशां दिसतात. हांगा जल्म पत्रिकेक लागून जगूचें लग्न प्रत्तेक फावट मोडटा देखून कंप्युटराच्या आदारान एक नवी जल्मपत्रिका ताच्या जल्म पत्रिकेक जूळ सारकी करता. "सरुच्या घोवान जगूक पळोवन दोळो मोडलो. जगून हांसत हात जोडलो आनी ल्हवूच म्हळ्ळे कंम्प्युटेश्वराची कृपा......" (पा. क्र. 85) ताका समजले की मनशाचे जिवन सुखी रावपाक जल्मपत्रिका जुळप म्हत्वाची नासता पूण एकामेकाक समजून घेवप म्हत्वाचे आसता.

अश्या तरेच्या घडणुकांतल्यान मनशाची मुल्ल्या बदलतात तें पळोवपाक मेळटा. जंय एका अपंगूळ चलयेक आपल्या जिणेंतली उणाकपणां समाजापासून लिपोवपाक चलयेक बंद दवरतात. जाल्यार एके कडेन सुमीच्या आवयक परत लग्न जावपाक तिच्या निर्णयाक सगळी घरची साथ दितात. हांगा वेगवेगळ्या आयामांनी चलपी मनशां दिसता.

## 5.3. ग्रामीण जिवन आनी मानसिकता

सैम हो कोंकणी लेखकांचो म्हत्वाचो घटक जावन आसा. लेखकाचो आविचो विशय आनी बऱ्या तरेन चित्रण जातले जाल्यार गांवगिऱ्या जिवनाचो आसपाव तातूंत जावपाक जाय जाल्यार तो बरो फुलता

आनी ग्रामीण जीण जगून जगून आयिल्ल्या लेखकांच्या साहित्यांत मुखेलपणांत ग्रामीण जिणेच्या मातयेचो सुगंध आसपावता.

मीना काकोडकार हांचे भुरगेंपण चड प्रमाणांत शारांत गेला पूण सुटयेंत ती जेन्ना जेन्ना गांवांत पाळोळ्या वताली तेन्ना तिका ग्रामीण जीण अणभवपाक मेळटाली अशी ती सांगता. तिणें गांवगिरी जिण लागिच्यान अणभवल्या जायत हें तांच्या कथांनी दिसून येता तशेंच तांच्या कथांनी गांवचे पारंपारिक वेवसाय आयल्यात जातूंत ती शेती वेवसाया विशी मुखेलपणांत आपल्या कथांनी भाश्य करता.

ग्रामीण जीण म्हळ्यार गांवगिऱ्या जीणेचे चित्रण. गांवांत जावपी घडणुको कथेंत येता आनी हाचेवयल्यान कथा फुलता. ज्या कथेंत गांवचें दर्शन जाता ताका ग्रामीण जीण चित्रावपी कथा म्हणटात. मीनाच्या कथांनी समाजाचें दर्शन चड प्रमाणांत जाता. कांय कथांनी तिणें गांवगिऱ्या जिणेंचे चित्रण जाल्ले पळोवपाक मेळटा. ग्रामीण जीण म्हणटना तातूंत गांवचो सैम, गांवांत रावपी लोक, तांचे राहणीमान, तांचे उलोवप, वागप, तशेंच तांच्यो मानसिकता कशी आसा हें तांच्या कथांनी मांडिल्ले आसा. तांच्या आमी, सपनफुलां आनी दोंगर चंवल्ला ह्या कथां संग्रहांत ग्रामीण जिणेचें दर्शन घडोवपी कथा अभ्यास करपाचो यत्न केला.

आमी संग्रहांत आपले परकी, शीण, एका दिसाची गजाल, ह्या दिन कथांनी गेंवगिरी जीण आसपावल्या जाल्यार सपनफुलां ह्या संग्रहांत सुकण्या पिला रे, मुक्त आयज बंद जीण, देवतवशीं, अशीं सपना अशीं जीण ह्यो पांच कथा आसपावतात.

"आपले परकी" ह्या कथेंत बनू सुटयेंच्या दिसानी आपल्या मामागेर रावपाक आयिल्ले आसता. ताका आपल्याक जाय तशें स्वतंत्र तरेन रावपाचें आसता पूण ताची आजी ताका धपकायता. आतीबायची चिंतपाची तरां गांवगिऱ्या तरेची आसता. तिका दिसताले चलयांनी ल्हानपणांतूच लग्न जावचें "चल्यांनी बरप शिकपाचें.....चलयांनी रांदूंक शिकपाचें. चले घराक उरपाचें. तें घरचें.....चलयो

परकी....चल्यांक वेगळी वागणूक...." (*आमी* पा. क्र. 32) हाच्या वयल्यान कळटा कथा गांवगिऱ्या वाठारांतली.

"शीण" ह्या कथेंत अप्पाचे घर गांवांत आसता. पूण ताच्या घरांतली सगळीं मनशां शहरांत रावतात. ताच्या बायलेचो बारावो वाडपाचो आसता आनी अश्या वेळार काम करचें पडटले म्हूण ताचो भाव आनी भावज म्हूण निमता सांगताली आसता. ताची बायल सदांच एका कावळयाक जेवण घालताली "आप्पाची नदर जनेला भायल्या आंब्या रुखाचेर गेली. तो थंय बसून आंशिल्लो. तो.....सदचो कावळो! निर्मल जेवचें पयलीं ताका सदांच वाडटाले. तो बी मातसो वेळ जाल्यार 'काव काव ' करुन बेजार करतालो....आगो ताका वाड पळोवया बेगीन पूर्वज आसतलो आमचो...." (*आमी* पा. क्र. 63) हांगा गांवांत रावपी लोकांची विचारसरणी दिसता. गांवांत रावपी लोक कशें तरेन चिंततात हें कळटा. गांवांनी घराकडेन कावळो येवन रडपाक रावलो जाल्यार तो घरचो पुर्वज आयला म्हूण मानतात आनी ताका जेवण वाडटात. हांगा गांवांतली मानसिकता दिसता कशें तरेन गांवांत मनशां वांगडा मोनजातिच्या पोटाचें चिंत्ता. "एका दिसाची गजाल" जेन्ना गाय वियेता शामी गाय वियेल्या उपरांत निवेदक तिका आपल्या पोरसांत आसरो दिता. तिका दिसता ती आपलीच बाळंत जाल्ली धूव. "बाळंटेराक आयिल्ली धूव नातवाक घेवन घरा वचूंक भायर सरची तशें दिसता." (*आमी* पा. क्र. 131) अशीं भावनां ती गायच्या बद्दल उक्तायता. ह्या कथेंत गांवचें चित्रण आयला ताची देख म्हळयार घरांतल्या पोरसूचें चित्रण , गांवांत कितेंय घडल्यार गांवचो सगळो लोक एकठांय येवन वासपूस करता. तिच्या भुरग्यापणांत तांगेर गोठो आसलो. त्या गोठ्यांत शेण निवळ करप, गोरवांक खावड घालप, दूद काडप. "....दूद काडप सामकें सोपें कशें म्हाका दिस 'हांव काडटा गे अम्मा', अशें अम्मान मागीर हांसचें आनी पानो वांकडो करुन म्हजेर दुदाची धार सोडची....." (*आमी* पा. क्र. 126) ह्या तरेचीचित्रणां आयल्यांत ह्या कथेंत गांवच्या गोठ्याचे चित्रण खूब बऱ्या तरेन आयलां.

सपनफुलां ह्या संग्रहांत आमकां गांवगिरे जिणेचें चित्रण पळेवपाक मेळटा. "सुकण्या पिला रे" कथेंत रगलो आनी ताची आवय बापूय ल्हान घरांत रावताली. ताची आवय सोंपता आनी तो एकसुरो जाता.

मावशीं येवन ताका आपल्यावांगडा व्हरता. मावशेगेर वतना दुसरें फावट तो बसीन प्रवास करता. "आयो आनी हांव एक फावट जात्रेक गेलेली आयज परतोन बशींतल्यान मोव शिटार बसोंक मेळटलें म्हण हांव खोशी जालो...." (*सपनफुलां* पा. क्र. 18) हाचेवयल्यान कळटा, तो चड चलून भोंवतालो. तसोच तो आपल्या मावशे वांगडा गड्डयांनी खेळटालो.

गांवांत शेतकामती कसो वावर करता आनी ताच्या घराचें चित्रण "अशीं सपनां अशी जीण" कथेंत आयला. गांवांत शेताचो वावप करपी समाजाचे चित्रण आयलां. जशी पिळगी वाडटा तशी तशी नवी पिळगी घरचो वेवसाय सोडून शिक्षणा कडेन चड प्रमाणांत वळटाना दिसता. घरचो वेवसाय सोडून रामुलो शिकपाक सोदता म्हूण ताच्या आज्याक वायट दिसता. ".....आयज तुयें पिपळा पेडार आख्खो उजवातींचो पुडो लायला, पूण रामुलो हातींत जोत धरतलो तेन्ना हांव पेडामुखार दोन उजवाती पुडे पेटयतलो." (*सपनफुलां* पा. क्र. 38) देवाक सांगणी करप, पिपळा पेडार वचून उजवातीचो पुडो लावप हातूंतल्यान ग्रामिण जिणेचें चित्रण जाता. जाल्यार "नवो जल्म" कथेंत मातृत्व सत्तेखाला जियेवपी कुटूंब दिसता. ह्या कथेंत घरांत झाड लायतली जाल्यार लेगीत ताका मांयक विचारुन लावचे पडटा. घड आयिल्ले केळीक सुद्दा मारुन उडयता हाच्या विशीं मांडला तशेंच ह्या कथेंच पोरसाचें चित्रण आसला तशेंच घरांत वावूरपी मनशांचे चित्रण आयला. "मुक्त आयज बंद जीण" ह्या कथेंत काकीबायचें घर गांवांत आसता. हांगा शेजारधर्म दिसता. कशें तरेन गरजेक शेजारी एकामेकाक पावतात ही भावना हांगा व्यक्त केल्ली आसा. काकीबाय सदाच्या घरांतल्यान परत आपल्या घरां आयल्या उपरांत शेजारी तिका आदार करपाक आयली. "विठून घर उकतें केलें. शेंवतून बेगिबेगिन सान्न मारली. जगूली सून च्या आनी साजो करूक घेवन आयली. आपली नासून त्या सगळ्यांनी दाखयिल्लें आपलेपण पळोवन काकीबायचें मन भरून आयले आनी त्या आपलेपणांत तिजें ऐकलेपण खंयचें खंय शेणून गेले....." (*सपनफुलां* पा. क्र. 138) गांवांत एकामेकाक आदार दिवन रावतात हें कळटा.

गांवगिरें जिणेंचें दर्शन "देवतवशीं" कथेंत घडयता. देवयानी आनी निवेदक व्हाळा पलतडी वतात. तशेंच रंजकतायेन म्हारदेवताच्यो खबरो सांगता. तशेंच आपूण कशें तरेन न्हंयत सांडिल्ले ही खबर सांगता. गांवच्यो आख्यायिका तें तिका सांगता. गोपाळदाद मरून लेगीत थंय भोवता म्हणपाचे सांगता. "नाल्ल चोरल्यार मारता तो पेट घालता." (*सपनफुलां* पा. क्र. 141) हें सांगता. खुबे काडपाच्यो खबरी दुदयाच्यो खबरी हांच्या फाटल्यो काणयो तांका खबर आशिल्ल्यो. " देवान सांगलां, केन्नाच दुदी खालो ना जाल्यार मनशाक मोनजातिचें उलोवणें समजतालें." (*सपनफुलां* पा. क्र. 142) तशेंच देवतवशीं ही सुर्याक दाखयनासतना खावपाची तवशीं जी कोडू आसतात तातूंतली गोडसाण सोदून खावपाक तें जाणा आसता. अशें तरेचे गांवच्या शेतां, न्हंय, भाटां, व्हाळ, दोंगराचें चित्रण ह्या कथेंच खोलायेन आयिल्ले आसा. "दोंगर चंवल्ला" हातूंत गांवगिऱ्या जिणेचो बोद कठोपरणांत आयिल्ले दिश्टी पडटा. जंय लेखिका आनी भानुदास नांवाचे पात्र रानांत वता आनी थंयसरली काण्णा, हुमले, बळारी हाचे वर्णन आयला. "कांटे तोपतात, हुमले चावतात, अशें आसतना जाळयेंत हात घालून काण्णां तोडून काडटा" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 15) अशें तरेन काठ्या खुठ्यांनी वचून काण्णां तोडून खावपाचो संदर्भ ह्या कथेंत आयिल्लो आसा. "तश्योय गाळी" ह्या कथें भितर दोंगराचें वर्णन आयला तशेंच ही कथा गांवगिऱ्या वाठारांतली आसा हाचो बोद मेळटा. "सकाळच्यान तो जो दोंगरार येवन बशिल्लो, तो तसोच आशिल्लो" (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 37) ह्या कथेंत दोंगर तशेंच चुलीकडेन बसून भाकरी करप सारकिले वर्णन आयला जें फकत ग्रामीण जिणेंत पळोवपाक मेळटा. "गोरवां" ह्या कथेंत एक गोराखणो कशें तरेन आपल्या गोरवांक चरोवपाक व्हरता आनी तांका मळयार व्हरून चार चोरयता हाच्या विशी सांगला. तशेंच गोठ्यांत गायेक आनी पाड्यांक बांदपाचे वर्णन आयला. गाय वियेता तेन्ना ताची कशी तरेन कूयदाद करतात हाच्या विशी ह्या कथेंत मांडला.

मीना बायच्या संग्रहांत गांवगिऱ्या जिणेचे चित्रण बऱ्या तरेन आयलां तें म्हळयार सपनफुलां दोंगर, न्हंय, व्हाळ, शेती वेवसायाचे चित्रण आयला. आमी ह्या संग्रहांत ग्रामीण जिणेची चित्रणां उणी

आयल्यात जाल्यार दोंगर चंवरल्ला ह्या संग्रहांत चडां प्रमाणांत रानां, भाटां, धालो, गांव, कांटे-खूटें हांचो सोद घेतिल्लो आसा. तशेंच गांवच्या सैमाक धरून घडणूको सांगतना त्यो प्रत्तेक्षांत आमच्या दोळयामुखार उबे जातात. गांवच्यो ल्हानांतल्यान व्हड घडणुको तांच्यावनी आपल्या कथांनी मांडल्या.

मीनाच्या कथांनी कांय कथा अश्यो आसात जातूंतली पात्रां वेगळेच तरेन चिंतात. ती आपल्या वेगळेच मानसिकतेनच्यान कथांनी प्रभाव हाडटा. दर एका कथेंत वेगळी वेगळी पात्रां आसात जाची मानसिकता वेगळी आसा. दर एकल्याची विचारधारा वेगळी आसा पूण तांच्या दिशेन दर एकलों कथेंत प्रभाव घालून वता.

**5.4. बायलांचें विश्व**

समाजांत बायलेचो आवाज चिड्डिल्लो आसता. समाजांत तशेंच घरच्या मुखार तिका सदांच आपली सपनां आनी विचार त्यागचें पडटा. आपल्या गरजो तशेंच विचार सोडून तिका दुसऱ्यांच्यो गरजो भागोवच्यो पडटा. तिची स्वाताची अशी इत्सा मारुन तिका दुसऱ्यांच्यो इत्सा पुराय करपाक यत्न करचो पडटा. फकत चूल आनी मूल हातूंतच बायल मनीस खंय तरी घुसपल्ली दिसता. पूण मीना काकोडकार हांच्या कथांनी तांच्यानी बायलेक खंय तरी न्याय दिल्लो पळोवपाक मेळटा. तांच्या कथांनी बायलेचें स्वताचे अशी अस्तित्व दिसता आनी स्वतंत्रपणान ती आपले विचार मांडटा.

सिमान द् बोवर "बायल- मनीस ही जल्मासावन बायल आसना तिका समाज घडयता."[6]

जयंती नायक "बायलेच्या मनांचे उनाळे, तिचीं सुखदिणी दुख्खां आनी दुखदिणी सुखां उतरांनी उगतावपाची वज मीनाबायेक सादल्या"[7]

मीनाच्या कथांनी दोन तरेची बायल मनीस चित्रायल्या ती म्हळयार एक अशीं बायल मनीस जी दुसऱ्यांक खातीर आःपले मन मारता आनी दुसऱ्यांक खातीर जगता जाल्यार दुसरें वाटेन अशीं बायल

चित्रायल्या जी स्वताच्या बऱ्या खातीर स्वताचें मत मांडटा आनी निर्णय घेता. बालय मनशेंची सुखा-दुखां, तिचें उमाळें, तिच्यो मानसिकता आदी सारकिले विचार हांगा मांडल्यात.

कथेंतली एक देख घेतली जाल्यार "तूं चल्ली तिल्लम्मा" कथेंत तिल्लम्मा आनी तिचो घोव काम करूंक गोंयांत आयिल्ली आसतात. तिल्लम्माचो सगळो जिव आपली खोंप बांदप हांगा तिल्लम्मा ताका इतली विश्वासी आसून लेगीत तो तिका दुबावता ताच्या दुबावाफाटली चड व्हड कारण आसना. तो आपल्या भितर घुसमटून रावता आनी निमाणें मरपाचो निर्णय घेता. हांगा सुखी संसार करपाची सपनां घेवन ती आयिल्ली खरी पूण जेन्ना सुब्बण्णा गोळ दिता तेन्ना तिची सगळी सपनां ना नपयत जाता. देखून ती खोंप सोडून वता तेन्ना आपलें सगळें उमाळें खोंपी म्हऱ्यांत व्यक्त करता आनी आपली पोचली बांदता आनी वचपाक भायर सरता तेन्ना तिका खोंप उलो मारचेल्याचो भास जाता, तिका आपल्या हातांनी तयार केल्ली खोंप सोडून वयची पडटा.

"पप्पा तूं हांसता" कथेंत सुमीची आवय दुसरें लग्न जाता. आपल्या जिवितांत परत सुख येवचे म्हण पुनर्विवाह करपी बायल मनीस ह्या कथेंत दिसता. एक बायल मनीस जेन्ना एकसुरी आसता तेन्ना तिका जिवितांत कोणाचो तरी सांगांत जाय आसता अश्या वेळार घोव मेल्या उपरांत स वर्सांनी जिवितांतली उणावपणां कमी करपाक आनी उरिल्ली वाट चलपाखातीर ती आपणांत सांगात सोदता. ती आपल्या भुरग्याक थंयच दवरुन आपल्या जिविताचें पावल मुखार घालतना दिसता. घोव मेल्ल्या बायलेक लेगीत आपल्या जिवीतांत फुडें सरपाक हक्क आसता देखून हांगा तिच्या घरच्यांक तिच्या एकसुऱ्यापणाची जाणिव जाल्ली आसता म्हूण ती तिका तिच्या निर्णयांत साथ दिता.

"सुकण्या पिला रे" ह्या कथेंत रगल्याची आवय मेल्या उपरांत ताका ताची मावशीं आपल्यागेर घेवन वता. ती ताका कांयच उणें पडपाक दिना. आपल्याक भुरगी ना म्हूण ती ताचेर उपाट मोग करता. ताका न्हावयता, जाय तसलें जेवण दिता, ताची खूब आपुरबाय करता तशेंच ताका काणयो सांगता. ती ताका कांयच उणे पडपाक दिना अशें आसून लेगीत जेन्ना रगल्याचो बापूय येता तेन्ना रगलो बापायवांगडा

वचपाक तयार जाता. आपल्याक भुगीं ना हें ती आपल्या जिणेतलें उणाकपण मानता एका बायलेक भुगें जावप म्हळ्यार लग्न जाल्ल्या बायलेची जिण पुराय जावप "मावशे गे त्या सुकण्या पिलाचे मावशेक आनी पिलां नासली? ना रे ती पाड पडिल्ली कर्मकट्टी" (*सपनफुलां* पा. क्र. 21) हांगा ताच्या मावशेक भुरगीं नाशिल्ल्यान ती स्वताक वांज समजताली.

जाल्यार "जनेलाच्या हेवाटेन तेवाटेन" ह्या कथेंत एक अपंगूळ चली आपली व्यथा मांडटना दिसता. तिचे मन कशें तरेन दुखान भरला हाचें ती वर्णन करता. आपूण अपंगूळ आसा म्हण आपली आवय आपल्याक घरां आयिल्ल्या मनशां म्हऱ्यांत व्हरना. "एक फावट हांव मम्माल्यो इश्टीणी आमगेर आयिल्ल्यो आसतना हॉलांत पावलें म्हाका पळोवन सगळी एकदम गप्प जाली.....मम्मी आयाक तापयताली. लोकांहुजीर म्हाका हॉलांत येवंक कशें दिले काय म्हण तापताली..." (*सपनफुलां* पा. क्र. 43) हांगा निवेदक अपंगूळ आशिल्ल्यान ताका घरांतल्या एका फाचल्या कुडींत बंद करुन दवरतात. ताका आपलें उमाळें व्यक्त करपाक आयाच्या शिवाय आनी कोण नासता. ताका पोलयो जाला हें ताणें स्वता मुद्दम करुंक ना पूण ताच्या नशिबांत आसा हाच्या विशी ह्या कथेंत मांडला. आपूण एक बायल आसून दुसऱ्या बायलेचें अस्तित्व सांबाळपाक निरुपा यत्न करता. तें जल्मासावन भिवकुड आसता उपरांच ताचें लग्न जाता. "उपरांत मांयक आवडना म्हूण निरुपान नोकरी सोडली. घोवाक आवडटा म्हूण धोंपरामेरेन पावपी केंस कापून बॉबकट केलो. भोवतणचीं मनशां बदल्लीं, निरुपा मात तेंच उल्लें....भिजूड!" (*सपनफुलां* 1 पा. क्र. 10) ह्या कथेंत निरुपा आपल्या मांयक आनी घोवाक जाय त्या परीन वागताले. तांचे एकूय उतर भायर पडपाक तें दिनाशिल्ले, आपलें मन आपली सपनां मारुन दुसऱ्यांक खातीर जगप खूब कठीण कार्य आसता पूण तरी सुद्दा निरुपा तांका जाय तशें रावताले. जेन्ना निरुपाच्या गर्भांत चली आसा म्हणपाचे ताच्या मांयक आनी घोवाक कळटा तेन्ना ती ताका मारपाक सोदतात पूण पयल्याच फावट निरुपा आपल्या भुरग्याखातीर आवाज उठयतना दिसता. हांगा दोन वेगळ्या तरेच्यो बायलो लेखिकेन चित्रायल्ल्यो आसा.

जाल्यार "चंदनाचो रुख" कथेंत जायूक शिवपाक खूब आवड आसता. उपरांत ताचे लग्न जाता, तें लग्ना उपरांत फुडले शिक्षण पुराय करपाचे आसता पूण ताका लग्ना उपरांत रोकडीच दोन भुरगीं जाता आनी तें आपल्या संवसारांत इतलें रिगता, तें शिक्षणाचें सुद्दा विसरुन वता. ताणें शिकपाचो प्रस्न काडल्यार ताच्या घरची म्हणटात "म्हाका नोकरेची गरज ना." (*सपनफुलां* पा. क्र. 125) हांगा ताचो घोव जोडटा तितले पुरो म्हणपी ताच्या घरांची वृत्ती दिसता. देखून ताका आपली सपनां चिड्डून उडोवची पडटात आनी आपल्या आवडींचेर उदक उडोवचें पडटा. एक बायल मनीस जी दुसऱ्यांक खातीर आपली सपनां मारता जिची जीण त्या चंदनाच्या रुखावरी उगत्यार पडटा जिचो गंध उडून गेल्लो आसता.

काकीबाय आपूण दुर्येती पडली जाल्यार आपलें कोण करतलो हाचो हुस्को सदांच आसता. तिणे सदाक ल्हानाचो व्हड करपाक खूब त्रास घेतिल्ले आसता पूण सदा खंय तरी तिका फकत आपल्या कामापूर्तोच वापरतालो आसता तेन्ना ती परत आपल्या घरां येता आपली शेजाऱ्या आसा तितलीच पूरो म्हणपाची मानसिकता व्यक्त करता. तशेंच मोती आशिल्लो जो तिजेर उपाट मोग करतालो अशें तरेन ती आपल्या घरा परत येता हें दिसता. "देवतवशीं" ह्या कथेंत दोन तरांच्यो बायलो चित्रायल्या. देवयानी हाणें आपली पुराय जिण गांवगिऱ्या वाठारांत सारिल्ली आसता आनी ताका जिवितांत कसलेंय त्रास, कश्ट, दुख आयल्यार तें कशें तरेन आपणावचें आनी ताका तोंड दिवचे हें ताका ल्हानपणासावन खबर आसता. "सूख सोदून काडचेली तांक आशिल्ली देवयानीक म्हजेवरी सुखा फाटल्यान धांवत रावचेली गरज खंय आसली? " (*सपनफुलां* पा. क्र. 147) निवेदक आपल्या जिणेंतली सुखां सोदित वेगवेगळे कडेन भोवता. इतले शिकून लेगीत ती खोशी नासता.

जाल्यार "आमी" ह्या कथेंत सुमीची देख घेतली जाल्यार आपले शिक्षण पुराय करुन आपल्या भावाच्या शिक्षणा खातीर सुमी ही चली लग्न जावपाचो प्रस्न लेगीत घेना कारण तांच्या घरची परिस्थिती खूब गरीब आसता. तांची आवय लोकांच्यो गोजड्यो शिवून तांका वयर काडटाली आसता अशें वेळार सुमी हें एकलीच चली आपल्या भावंडा परस धीट काळजाची आसता. जें आपल्या उतरांर थाम

आसता. तें आपलो भाव दोतोर जायसर ताच्या शिक्षणाचो भार घेता. अशें तरेन आपल्या निर्णयाचेर थान आनी धीट रावपी चली ह्या कथेंच चित्रायल्या. "आपले परकी" ह्या कथेंत आतीबायक आपली खाश्या चली लग्न जाल्या उपरांत परकी दिसपाक लागता. तिची मानसिकता अशीं आसता, चलयो ह्यो परकी आसता ती लोकाल्या घराक वतात. आतीबाय आपल्या नाती कडेन बनू कडेन उलयतना सुद्दा तिच्या तोंडांतल्यान लग्नाची गजाल येताली. "बनू, सकयल देंव. पडशी जाल्यार दोंको मोडटालो. मागीर खंय खपचें ना पापणी." (*आमी* पा. क्र. 33) बनू जेन्ना पेरीचेर चडटाले तेन्ना तिणें ताका म्हणचे, पडून दोको मोडात जाल्यार कोण लग्न करचो ना. "....ही प्रकाशमामाल्या भुरग्यांक, पूण प्रकाशमामागेर भुरगीं खंय आसात" (*आमी* पा. क्र. 33) आपल्या चल्याच्या जावंक नाशिल्ल्या भुरग्यांक खातीर खेळणी सांबाळून दवरता पूण धूवेच्या चलयेक कांय दिना. जेन्ना ती आपल्या धूवेगेर रावपाक वता तेन्ना तिका आपली चूक समजता.

"कुंकूमार्चन" ह्या कथेंत सवाशिण मोरप ही श्रेश्ठ मानता पूण एकाद्या बालयेचो घोव पयली मोरप म्हळयार वायट अशें मानतात. बायलेन खूब तेंप हांतरूणार पडून लेगीत मागीर मेल्यार श्रेश्ठ मानतात. " आयाव मरण येवंक भाग्य लागता....रांडाव जीण म्हळयार खंयच्याय जल्माचें पातक" (*आमी* पा. क्र. 52) घोव मेल्ल्या बायलेक निमणे संसार म्हण निमणो कुंकूम लावप, साडी न्हेसप आदी. एक दिस जेन्ना निलाची आवय जेन्ना दिवो लावपाक न्हाता आनी देवाऱ्यांत वता तेन्ना तिचे हाथ थरथरता तेन्ना निला तिच्या हाताक धरता आनी ताका आलाशिरो दिता आनी तिका समजायता. "वेगळयो वाटो" ह्या कथेंत तिन वेगळ्या तरेन चिंतपी विचारधारा दिसता. कुंदाक जेन्ना चली जाता तेन्ना तिका आपली चली आपल्यावरी साहित्यीक जावचे अशें दिसताले पूण तिका खेळांत चड आवड आशिल्ली आनी जशें कुंदाक दिसताले ताच्या विचारांतच्यान तें वेगळेच आशिल्ले. मनूक जेन्ना चली जाता लली तेन्ना ताका तें आपल्यावरी खेळांत हुशार जावचें अशें दिसताले पूण ताका शिक्षणांत, वाचपाक आनी कविता बरोवपाक खूब आवड आशिल्ली. हांगा धूव आसून लेगीत एक बायल दुसऱ्या बायलेक समजून घेवपाचो यत्न करता. हांगा ती समजून घेतात आनी आपणायता आनी मुखार सरता.

"भिरांत" ह्या कथेंत सून आपल्या मांयच्या मनांतलो भंय कसो पयस करता हाच्या विशी सांगला. आपल्या कडेन कसलीय वस्त पडून फुटली जाल्यार आपली सून आनी चलो आपल्याक वृध्दाश्रमांत घालतली ही मानसिकता तिच्या मनांत येता पूण तिची सून खूब मायेस्त आसता ती तिका समजायता आनी बऱ्या तरेन रावता. हांगा दोन बायलो एकामेकाच्या मनांक समजून घेता आनी सूनापल्या मांयक कशें तरेन सावरुन घेता हाच्या विशी चित्रायला. "तश्योय गाळी" ह्या कथेंत एका गर्भेस्त बायलेची जीण उकतायल्या. जत्तूंत मोगरू ही सोयरुली बालय गुरवार आसता तिका पयली सगळी चेडवांच आसता देखून तिका आपल्याक परत भुरगें चलीच जायत ह्या भयांत जगपी बायलेची अवस्था चित्रायल्या. "बापूय न्हय तो आमचो" ह्या कथेंत मोगरें आपल्या चल्याक बापूय कोण हें सांगपाक अनमनताना दिसता. जय मोगऱ्या कडेन ताच्या चल्याक दिवपाक जाप नासता.

## 5.5. बाल विश्व

भुरगीं ही नाजूक आनी मोवाळ आसता. सारकी फुलां वरवी. तांचेर जें संस्कार जातात त्याच वरवी तांची वागणूक आसता. जरी तांका ल्हानपणांत सावनूच जर बरी जीण आनी बरें संस्कार घरच्यांकडल्यान मेळ्ळे जाल्यारच तांची वाड बरी जाता.

मीना काकोडकरांच्या कथानी ल्हान भुरग्यांच्या मनांत जे प्रस्न आसात हाचेर उजवाड घाला. घरांत आनी घरच्या भोंवतणी जें लोक आसात. तांचे मदी वेगळेपण वळखून प्रस्न पडपी आनी तें प्रस्न उगतेपणी घरच्यांक विचारपी शालगो दिसता. जाल्यार आवयच्या लग्नाचो विशय आयकून सूमीच्या मनाचेर जो प्रभाव पडला ताचेवल्यान तें तिका खूब प्रस्न विचारता आनी आवयच्या निर्णयाचेर दुखी जावन रडटा.

घराब्याचे प्रस्न तशेंच ल्हान व्हड प्रस्न आनी भुरग्यांची मानसीकतेक धरुन आयिल्ल्यो कथा आसात. सपनफुलां ह्या संग्रहांत पांच कथा आसात त्यो म्हळ्यार सुकण्या पिला रें, आंडांगी, अशीं सपना अशीं

जीण, पप्पा तूं हांसता, वळख, आनी आमी ह्या कथा संग्रहांत दोना कथा आसात आपले परकी, आनी वेगळ्यो वाटो.

"सुकण्या पिला रे" कथेंत रगल्याची आवय मेल्या उपरांत रगलो एकसुरो जाता. आवयची उब ताका बापायकडल्यान मेळना. तेन्ना ताचे शेजाऱ्याच्या सुरग्यांच्या खांक्यात ताका आवयची उब आनी माया मेळटा. ताची मावशी येवन ताका आपल्यागेर व्हरता आनी तिवूय ताची खूब अपूरबाय करता. पूण ताका आपल्या मावशेच्या आनी आवयच्या मोगामदी वेगळेपण दिसता. सुरगें ताची माया करता तें ताका आपल्या आवयवरी दिसता. कारण सुरग्यांच्या आनी आवयच्या कापडाक एकेच तरेचो धुंवराचो वास मारतालो. पूण मावशेच्या कपड्यांक फुलांचो वास येतालो, मावळी ताका सवती आवय विशीं सांगता तेन्ना तो तें मान्य करता पूण जेन्ना ताका कळटा की ताच्या बापायन दुसरें लग्न केला तेन्ना ताच्या दोळ्यांनी दुखां येतात. जेन्ना ताका कळटा सुरगें ताची सवती आवय तेन्ना तो खोशी जाता. "बाप्पा उलयतां उलयतां हांवे बोलसांत हात घातलो. हाताक मावशेन दिल्ली पिपीरमिटां लागली आनी म्हाका सट्ट कुरुन उगडास जालो..... आंब्या-रुखां कडेन पावतर फाटल्यान पळोवन मावशेक हात हालोवंक हांव इसरुन गेल्लो." (सपनफुलां पा. क्र. 25) मावशेक हात हालोवपाक विसरलो म्हणपाचे ताका याद जाता आनी कांय खिणाक तो खंती जाता. आपले घर तें आपलें घर आसता दुसऱ्यान कितलीय माया आनी आपुलकी दिली सुद्दा जाल्यार ती सदाकाळ उरना.

जाल्यार शालगो आपल्या इश्ट कुश्टां वांगडा ताच्या घरांत वता, ताच्या आजेच्यो काणयो आयकता. आपल्या घरांत ज्यो काणयो सांगतात तो त्या दोनूय काणयामदी वेगळेपणा सोदून काडटा. आपले आजेक वेगवेगळे प्रश्न विचारता. ".....कृश्णाची सांगू? तिय हांव जाणां, कसली सांगू तर? बरीऽ बुरशी शी सांग गे, बुरशी? कृशटाली आजी काय बरी सांगता जाणां गू बी आसता तातूंत घे." (*सपनफुलां* पा. क्र. 28) म्हण तो तिका सांगता. उपरांत कृश्टाल्या आजयें वरी तांच्या काणयांनी कित्याक गू येना

असो प्रस्न करता. तो आपल्या आजयेक बुरश्यो काणयो सांगपाक लायता. आनी उपरांत तो आजयेक हुंदरांच्या धोली कडेन व्हरता आनी तातूंत हात घालपाक लायता आनी आंडार्गापणां करुन सगळ्याक सोदपा लायता. ताची आवय ताका काळखाच्या धोलींत बंद करता. तो आपली आजी आनी कृश्टाच्या आजयेच्या काणया मदी फरक करता.

तशेंच "अशी सपनां अशी जीण" ह्या कथेंत रामुल्याक खूब शिकून व्हड मनीस जावचो आसता. तो शिकपाक लेगीत हुशार आसता. पूण जेन्ना जेन्ना घरांत तो शिकपाची गजाल काडटालो तेन्ना तेन्ना ताचो आजो सदांच आपले तोंड मदी घालतालो जाका लागून रामुलो निराश जातालो. पूण जेन्ना ताचो बापूय पडून ताचे कमर मोडटा आनी तो घरांत उरता तेन्ना "आबो रडो नाका. हांव आसा न्हीं तूं कांय भियेवनाका. बापायक वेंग मारुन ताणें म्हळ्ळे. ताची उतरां आयकून आनंदूक हड्डे फोडून रडपाक आयले." (*सपनफुलां* पा. क्र. 39) तेन्ना तो खांदार जोत घेवन शेतांत वता आनी ल्हान रामुल्याची सपनां सगळी ना जावन वतात आनी ल्हान वयाच्या पिरायेचेर ताका आपल्या घरच्यांची जापसादारकी सांबाळची पडटा. ताच्या ल्हान मनाचेर पुराय घर चलोवपाचो हुस्को आसता. देखून आपणे घेतिल्लो निर्णय सांबाळपाक ताका जोत हातांत घेवचे पडटा.

तशेंच "अशी सपनां अशी जीण" ह्या कथेंत रामुल्याक खूब शिकून व्हड मनीस जावचो आसता. तो शिकपाक लेगीत हुशार आसता. पूण जेन्ना जेन्ना घरांत तो शिकपाची गजाल काडटालो तेन्ना तेन्ना ताचो आजो सदांच आपले तोंड मदी घालतालो जाका लागून रामुलो निराश जातालो. पूण जेन्ना ताचो बापूय पडून ताचे कमर मोडटा आनी तो घरांत उरता तेन्ना "आबो रडो नाका. हांव आसा न्हीं तूं कांय भियेवनाका. बापायक वेंग मारुन ताणें म्हळ्ळे. ताची उतरां आयकून आनंदूक हड्डे फोडून रडपाक आयले." (*सपनफुलां* पा. क्र. 39) तेन्ना तो खांदार जोत घेवन शेतांत वता आनी ल्हान रामुल्याची सपनां सगळी ना जावन वतात आनी ल्हान वयाच्या पिरायेचेर ताका आपल्या घरच्यांची जापसावदारकी सांबाळची पडटा. ताच्या ल्हान मनाचेर पुराय घर चलोवपाचो हुस्को आसता. देखून आपणे घेतिल्लो निर्णय सांबाळपाक ताका जोत हातांत घेवचे पडटा.

जाल्यार "जनेलाचे हेवाटेन तेवाटेन" ह्या कथेंतल्या अपगूळ चलयेक दिसता, आपल्या आनी आपल्या भावाच्या मदी घरांत भेदभाव करतात. आपल्याक एका घरच्या फाटल्या कुडींत बंद करुन दवरतात पूण भावाक मेकळीकेन भोवपाक दितातत. भावाच्या वाडदिसाक व्हडली पार्टी करतात तशेंच ताच्या वाडदिसाक लोक येतात जाल्यार आपल्या वाडदिसाक फकत मम्मी, डॅडी आनी भाव आसता आनी लोक बी कोण नासता, एकाच कुडींत मनयतात. तशेंच ताची आवय फकत दिसांतल्यान एक फावट येवन ताका पळयता आनी वता. तिका ताच्या बद्दल मातूय माया ना, ती आपलें कर्तव्य म्हूण करता आनी तांका ताका समाजा मुखार व्हरपाक लज दिसता कारण ते अपंगूळ आसा म्हूण. देखून तें म्हणटा आपूण मुद्दम अशें जावंक ना आपली ही दशा पोलयोक लागून जाल्या.

जेन्ना सुमीची आवय लग्न जावन आपलो संवसार परत करपाक मुखार पावल घालता तेन्ना ह्या गजालीचो खर परिणाम सुमीच्या मनाचेर जाल्लो दिसता. ताका आपल्या आवय बरोबर तिच्या नव्या घरांत वचपाचें नासता. "आपल्याक किदें दिसता तें सुमीक कळना जालें. ताका मम्मी जाय आशिल्ली पूण तिचें नवें घर नवी मनशां नाका आशिल्ली......आजो.....आजी.....पप्पा सगळी हांगा आसात. तांका सोडून कशें वचप. " (*सपनफुलां* पा. क्र. 80) हांगा बापूय मेला म्हूण ताका बापायची नाती सोडून आवय वांगडा वचप मान्य नासता. ताका आपली मनशां सोडून नवीं नातीं आनी नवी मनशां नाका आसता हाका लागून तें आपल्या आवय वांगडा वचपाक न्हयकारता. कांय खिणाक ताका दिसता की आपली आवय आपल्याक सोडून वचची ना पूण ती वता. आवय आसून लेगीत ताका आवय कडल्यान पयस जावचे पडटा.

तशेंच लतूची आवय ताका सोडून गेल्ली आसता. ताका दिसता आपली आवय मोवाळ आनी मायाळू म्हूण कारण जें तरेन ताच्या बापायन ताच्या मनांत आवयचें चित्रण चित्रायल्ले आसता त्याच प्रमाण ती खूब सुंदर दिसपी आनी आपल्या बायेचेर खूब मोग आनी माया करपी आसता. ज्या तरेची आवयचे रुप ताच्या मनांत बसयल्ले आसता त्या तरेचे रुप तें आपल्या मनांत चित्रायता आनी तिची काणी हजारांनी परत आयकपाक सोदता.

ल्हान बनूची आजी चलो आनी चली हाच्या भितर भेदभाव करता. बनू तिका वेगवेगळे प्रस्न करता आनी तिच्य। कडल्यान जापेची अपेक्षा करता पूण ताका जाप मेळना. चली आनी चलो ही समान आसता तांका एकेच तरेन वाडयतात. जेन्ना ताच्या आजयेचो पांय मोडटा तेन्ना ती बनूगेर वता तेन्ना बनूचे प्रस्न आनी आपल्या धूवेची वागणूक पळेवन ती बदलता आनी अशें तरेन बनू आपल्या आजयेच्या मनांतलो भेदभाव पयस करता.

मनू जेन्ना ल्हान आसता तें आपल्या आवयच्या विचारापरस वेगळे आसता. तें खेवपी, उडपी, मस्ते अशें आसता. तें आपणाक जाय त्या तरेन जगता. तशेंच आता मनूचे चली लाली जाता. जाका कविता बरोवप तशेंच वाचनाची गोडी आसता, तें हट्टी स्वभावाचे आसता. आपल्या स्वताच्या इत्छे प्रमाण वागता आनी उपरांत मनूक कळटा दुसरो जे तरेन आसा ताका त्याच तरेन आपणावपाक जाय.

ह्या कथांनी आयिल्ल्या प्रमाण कांय भुरगी आपल्या मनांतले उमाळे घरच्या परीस्थितीक लागून चिड्डून दवरतात आनी घर चलोवपाचो प्रस्न घेवन मुखार वचपी बालमन दिसता. जाल्यार आपणांक ल्हान पिरायेचेर आवय सोडून घरच्यां वांगडा रावपाचो संघर्श केल्लो पळोवपाक मेळटा. आपल्याक आवयवरी मोग करपी आपल्या घरांत आवय जावन आयला हें खुशालकायेन आपल्या मावशेक हात हालोवपाक विसरपी भुरग्याची वेदनां पळोवपाक मेळटा.

हांगा भुरग्यांचे प्रस्न तांच्यो मानसिकता. तांच्यानी केल्लो संघर्श आनी तांचे विचार कथेंत घडिल्ल्या घडणुकांच्या आदारान पळोवंक मेळटा. भुरगीं ल्हान आसली तरी तांका कांय गजालीं जाणवता आनी जबऱ्या वायट गजालींचो बोध जाता.

घरांत जाणटी आसप म्हळयार कांय गजालिंची जाणिव जावप. घरांत जाणटी मनशां आसप म्हळयार सगळ्यांत श्रेश्ठ मानतात. तशेंच जाणट्यांनी सांगिल्ली गजाल मानप आनी तांची गजाल भायर उडोवप ना म्हळयार सम्मानी गजाल जावन आसा. तशेंच जाणट्याल्यांचे सांगणे आयकप हाका आमच्या

भारतीय संस्कृतीन म्हत्वचो मान फाव जाला. जाणट्याल्यांक वायट तरेन सम्मानीत करप म्हणल्यार उरफाटें त्या मनशाचेर वायट विग्न येवप अशें मानतात. जाणट्यांचे वेग वेगळे विचार मीना बायच्या कथांनी आसपावतात. लक्ष्मणराव सरदेसाय "तिची संवेदना कलात्मक जाल्यानूच ती निर्मितीक्षम जाल्या सादी संवेदना तित्र आसली म्हण भागना ......ह्या गुणांक लागून मीनाच्या कथांनी दर्जो येता."[4]

जाणटे हे समाजाचो म्हत्वाचो घटक जावंन आसा वा तांका समाजाचो मार्गदर्शक असो मानतात. तांका भुरग्यांक बरें कितें आनी वायट कितें हाचो अनुभव तांका हेरापरस चड आसता. आपणे जे त्रास कडल्यात ते तांच्यानी काडचे म्हय म्हूण तांचे ती सदांच बरें चिंतात पुण जेन्ना जाणट्या मनशाचि पीराय वाडटा तांच्या मनांत वोग वेगळे तशेच आपल्या बरोबरची मनशां आपणाक सोडून गेली तशेंच आपणाक कितेंय जायत जाल्यार आपल्या फाटल्यान आपली भुरगीं शिकली जाल्यार घरचो वेवसाय सांबाळपी ना ह्या तरेचे प्रश्न मांडिल्ले आसात. मीना काकोडकार हांच्यो कथा चड करुन घरचो वेवसाय सांबाळपी आनी सुखा दुख्खांचेर आदारिल्ल्यो आसता. तांच्या कथांनी जाणटे मनीस आपल्यो भावना उगतायतना दिसता. जाणट्यांचे प्रस्न उक्तावपी सपनफुलां ह्या संग्रहांत मीनाच्यो दोन कथा आसात त्यो म्हळ्यार अशी सपनां अशी जीण, मुक्त आयज बंद जीण, तशेंच आमी संग्रहांत चार कथा आसात त्यो आपले परकी, कुंकूमार्चन, शीण आनी भिरांत.

हाची देख म्हळ्यार शेवगो आपलो शेतांचो धंदो करुन आपले आनी आपल्या कुटूंबाचें पोट भरतालो. ताच्या उपरांत तोच धंदो ताच्या पुतान फुडें व्हेलो. पूण ताच्या नातवाक ताचो बापूय ताका शिकोवन व्हड मनीस करपाक सोदतालो. देखून शेवग्याक सदांच एक विचार खातालो तो म्हळ्यार जर आपलो नातू खुब शिकलो जाल्यार तो शेतांत पांय घालपाक विट्टलो. तशेंच शेताचें रीण फारीक करपाचो भार ताच्या माथ्यार आशिल्लो. ताचे म्हणणे "शेतकामत्याची भुरगी कितली मळबांत उडली जाल्यार तांचे मूळ जमनींतूच उरता." (अशी सपनां अशी पा. क्र. 47) शेवगो म्हणटा मनशान शिकपाक जायपूण फकत वाचपाक आनी बरोवपा इतलेंच. ताका आपले शेत दुसऱ्यांच्या हातान दिवपाचें नासता. देखून

तो देवाक सांगता आपलो नातू शेतांत पांय दवरीत जाल्यार आपूण दोन पुडें उजवाती लायतलो म्हूण. जेन्ना रामुल्याचो बापूय भेंड मोडून घरांत उरता आनी घरांत जोपकार कोण नासता अश्यो वेळार रामुल्यार आज्याच्या आदारान खांदार नांगर घेवन शेतांत पांय दवरचो पडटा. तेन्ना शेवग्याक नातवाचें मन मारपाक बरें दिसना हाच्या बद्दल ह्या कथेंत मांडला.

"मुक्त आयज बंद जीण" कथेंत काकीबाय सदाक आपल्या चल्या वरवी वाडयता पूण व्हडलो जावन होच सदा काकीबायक आनी तिणें केल्ले उपकार विसरुन वता आनी आपल्या आवयबापायक आपले कडेन व्हरता आनी काकीबायक एकलीच सांडता. तिका तो पत्र लेगीत बरयना आनी अचकीत तो तिका पत्र बरयता आनी आपूण व्हरपाक येता म्हणपाचे सांगता. तेन्ना काकीबायक समजता, सदाची आवय बरी ना, तिचे आंग धरील्ले आनी आपल्या बायलेक तिची खासतीक काडची पडटा म्हूण सदान काकीबायक हाडिल्ली. हे तिका उपरांत जाणवता. तेन्ना ती थोडे दीस थंय रावता आनी तिचे सगळे करता आनी मागीर ती सदाक आपल्याक घरां पावपाक सांगता. ह्या खिणांक तिका जो सदाचेर विश्वास आशिल्लो, सदा आपल्याक पळयतलो हो सगळो विश्वास ना जाता आनी ती आपली सगळी जिण आपल्या शेजाऱ्यांक आनी मोनजाची वांगडा सारपाचो निर्णय घेता. ती आपणाक केन्नाच सोजचिना हें तिका खबर आसता.

आतीबाय आपूण ज्या तरेन ल्हानाची व्हड जाल्या त्याच तरेन आपल्या भुरग्यांक ल्हान-व्हड करता. तशेंच चलो- चली हाच्या मदी फरक करप ह्या मानसिकतेन जगता. आपूण ज्या तरेन चिंतता त्याच तरेन समाज चलता अशें तिका सदांच दिसचे. हांगा बनू तिका वेगवेगळे प्रस्न करीत रावता तेन्ना तिका दिसता आपूण ल्हान आसतना आपल्या मनांत असलें प्रस्न केन्नाच आयले ना. तिका चलयो सदांच परकी घराच्यो म्हूण दिसताले. जेन्ना ती बरी ना जाता तेन्ना तिका तिची धूव आपलेगेर घेवन वता. ती थंय सुशेगात रावता. तिची मानसिकता आसली ती बदलता आनी जसो समाज बदलता तशी मनशांन बदलपाक जाय हें तिका कळून येता. तशेंच चली आनी चलो हातूंत तिका चड फरक दिसना, दोगांयकूय एक समान वाडोवपा जाय आनी शिक्षण दिवपाक जाय.

जाल्यार निलाचो मांव मेल्या उपरांत आपलो घोव आपल्या पयली भायर पडलो हाचे तिका खूब दुख आसता. तेन्ना निला तिका समजायता, सगळ्याक वच, कारण जाचो वेळ येता ताका वचचेच पडटा. कांय दीस गेल्या उपरांत एक दीस आपूण देवाऱ्यान दिवो पेटोवपाक म्हूण वता आनी उपरांत तिच्या लक्षांत येता आपल्याक घोव ना तेन्ना तिजे हात थरथरपाक लागतात. ह्या वेळार तिची सून तिका धीर दिता आनी तिज्या हाताक धरुन दिवो लायता. ह्या कथेंत स्त्रीवादी विचार दिश्टी पडटा. तशेंच एका विदवा बायलेक समाजांत कशें तरेन वागयतात हाच्या विशी सांगिल्ले आसा.

तशेंच "शीण" ह्या कथेंत अप्पाक आपल्या बायलेचेर शीण आसता. आपल्याक एकल्याक सोडून ती गेली म्हूण. ताका आपल्या भावाची प्रभाकराची आनी ताच्या बायलेची वागणूक आवडना. ती काम करचें पडटले म्हूण एक एक निमता दित आसता. अप्पा आपलें कडेन जाता त्या प्रमाणे आपल्या बायलेचो बारावो करता. गांवांत येवन रावचें पडटले आनी आपल्या बायलेक रांदचे कुडीत रानचे पडटले म्हण ती कुस काडटाली. तो सगळे जाणा जावन लेगीत ओग्गी सगळें सोसतालो आसता कारण मरच्या पयली ताच्या बायलेन ताका सांगलेले आसता, शीण हो आपल्या मनशांचेर करचो आसता ना परकी मनशांचेर.

"भिरांत" ह्या कथेंत काकीबायाक आपल्याक वृध्दाश्रमांत घालीत म्हण तिच्या मनांत एक भंय निर्माण जाल्लो आसता. कारण तिच्या शेजाऱ्याक तांच्या भुरग्यांनी आपल्या आवयक वृध्दाश्रमांत व्हरुन दवरलेली आसता. देखून आपल्या घरच्यांचो आपल्या प्रती मोग कमी जाला अशें तिका दिसता. पूण तिची सून तिका समजायता तेन्ना तिका समाधान मेळटा. जाणटी जाल्या उपरांत मनशाक आपल्या घरा वटेन चड ओड आसता. तांका आपल्या पासून पयस दवरुन लेगीत तांका आपल्या भुरग्यांचो आनी घरचो हुस्को सतायता देखून तांका घरांतूच सांबाळून दवरप म्हत्वाचे थारता.

"दोंगर चंवल्ला" कथेंत एका भुरग्यांची आपुलकाय दिसता. जय भानुदास नांवाच्या चल्याक निवेदकाक कडेन एक आपूलकी निर्माण जाता. तो तिका काके काके करुन जायत्यो गजाली सांगतालो

तशेंच तो तिका आपल्या बरोबर दोंगरार व्हरता, तिका काण्णां काडून दिता. तिचें कसलेंय काम आसले जाल्यार तो आपूण मुजरत तें काम करतालो तशेंच आख्खो दीस तिच्या फाटल्यान काके काके करुन सरभोवतणी भोवतालो. हांगा एक भुरगो आनी ताची माया व्यक्त केल्ली आसा. "मास्तर म्हणटा" ह्या कथेंत एका ल्हान शाळेंत वचपी भुरग्याची वृत्ती चित्रायल्या. "मास्तर अशें म्हणटा.....मास्तर तशें म्हणटा....." (*दोंगर चंवल्ला* पा. क्र. 25) हांगा भुरगीं कशें तरेन आपल्या घरच्यांचे वा हेर कोणाचें चड प्रमाणांत आयकनासतना आपल्या मास्तर वा शिक्षकाचेर आपलो पुराय विश्वास दवरता आनी शिक्षक जें कितें सांगता तें सगळें सारके आनी शिक्षक सांगता त्या प्रमाणें वागता हें सांगिल्ले आसा.

ह्या कथांचेर नियाळ दवरुन जाणट्यांचे प्रस्न निर्माण केल्या आनी वेगवेगळे विशय हाताळ्यात. तशेंच विदवे बायलेची वेदनां दिसता. जाल्यार कथेंत जाणट्या मनशांक वृध्दाश्रमांत दवरपाचो हुस्को आनी भंय मनांत दवरुन जगपी जाणट्या मनशांची भावना मांडल्या. तशेंच आपल्या फाटल्यान आपलो वेवसाय मुखार व्हरपाचो हुस्को तांच्या कथांनी दिसता.

**संदर्भ**


1. काकोडकार, मीना. *दोंगर चंवरल्ला*. सोबीत साहित्य प्रकाशन, मडगांव- गोंय, वर्स- 1979.
2. काकोडकार, मीना. *सपनफुलां*. चंद्रकांत केणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, वर्स 1990.
3. काकोडकार, मीना. *आमी*. चंद्रकांत केणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, 2011.
4. –प्रा सरदेसाय, लक्ष्मणराव. *कथाशिल्प मीनाबायच्यो कथा*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ- गोंय पान क्र 18.
5. सरदेसाय, मनोहरराय. *A history of Konkani literature*. साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली 2000, पा. क्र 199.

6. केळेकार, रवींन्द्र. *हांव आत्मसंतुश्ट साहितीकार*. जाग प्रकाशन, जून 2005, पान क्र 13, मुलाखत मीना काकोडकार.

7. प्रा सरदेसाय, लक्ष्मणराव. *कथाशिल्प कथाशिल्प, मीना बायच्यो कथा*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ- गोंय, पान क्र 13-14.

8. www.brainyquote.com/words/80/society221265.html

# प्रकरण : सवें

समारोप आनी निश्कर्श

आदारावळ

## समारोप आनी निश्कर्श

साहित्या म्हणटा आसतना साहित्या भितर वेगवेगळें उप प्रकार आसपावतात तें म्हळ्यार कादंबरी, कथा, नाटक, तियात्र वा आदी. तातूंतलोच एक खाशेंले रुप येवन येवपी प्रकार म्हळ्यार कथा. कथाकार मीना काकोडकार हांचे कोंकणीं साहित्या मळार मोलादीक योगदान आसा. तिणें कोंकणी मळार आपलें खाशेंली वळख जोदल्या. कोंकणी कथेंच्या मळार जायत्यो बायल लेखिका आसात, तातूंतलीच जेश्ठ लेखिका म्हळ्यार मीना काकोडकार. तांच्यानी कोंकणी कथेंत खाशेली सुवात निर्माण केल्ली आसा. ताचे खाशेलपण म्हळ्यार तांच्यानी ल्हान ल्हान घटना वा घडणुको घेवंन तातूंतल्यान संघर्श निर्माण केला. सर्व सामान्य मनशाक त्यो सादारण घडणुको दिसता आसूये म्हूण तांच्यो घडणुको काळजाक कांटे तोपिल्ल्यावरी तोपतात. काळजाक हात घालपी वा काळजाक स्पर्श करपी घडणुको निर्माण करपाची तांक मीना काकोडकार हांच्या मदी आसा हें तिच्या कथेंतल्यान वाचप्याक जाणवता.

मीनाच्या कथांनी चित्रीत पात्रां आमच्याच वांगडा वावूरतात अशीं दिसतात. तांच्यानी आपल्या कथांनी जी पात्रां हाडल्यात त्या पात्रांची नांवा सादी आसात देखीक- सुमी, रगलो, शेवगो आदी जी वाचतना सामान्य कशीं दिसतात. तशेंच तांच्या कांय कथेनी पात्रांची नांवां साम्य आसा हें तांच्यो कथा वाचल्या उपरांत कळटा. कथेंत तांच्यानी पात्रांची सुख-दुखां, विचार, उमाळे, तांचे आगळे- वेगळे विचार आदी मीना आमच्या मुखार वेगवेगळ्या तरेन दवरपाचो यत्न करता. तांच्या कथेंतल्या पात्रांचो संवाद आनी भास इतल्या साद्या रितीन लेखिकेन हाडिल्ली आसा, वाचप्याक दिसता आपूण प्रत्यक्षांत तांच्या मुखार संवाद सादता. तांची जी भास आसा ती गांवगिरी भास आसा देखून वाचकाक वाचपाक सोपें जाता आनी भास समजता. तशेंच तांच्या तोंडातलें संवाद मोटवे आनी सोपे आसात.

मीनाचें एक खाशेलपण म्हळ्यार कथा चड निवेदनांतल्यान न्हय पूण संवादांतल्यान फुडें गेल्ली दिसता. हाची देख म्हळ्यार तांचो आमी हो कथासंग्रह जावंन आसा. तशेंच खंयचोच एक व्हड प्रसंग घेवन तो मोटव्या आंकारान वा उण्या उतरांनी सांगप हो गूण तांच्या कडेन आसा म्हणपाचे जाणवता. मोजक्याच

उतरांनी कशें तरेन सांगप आनी वाचकवर्गाक आपल्यो कथा वाचपाक आकर्शित करप हे तांका बेस बरें येता. तांच्या कथांनी कोंकणी भाशेवांगडाच जायत्या इंग्लिश उतरांचो वापर केल्लो पळोवपाक मेळटा. तांच्या कथेंचे समाजदर्शनाचे नदरेन अभ्यास करतना अशें जाणवता, तांच्या कथेंत दोन तरांची मनशां आयल्यात एक अशी मनशां जी काळा प्रणाण आपल्याक बदलता जाल्यार दुसरें वाटेन मनशांची वागणूक कितलीय सुदारपाचो यत्न केलो सुद्दा जाल्यार तांची वागणूक बदलना ती तश्याक तशींच उरता. समाजीक नदरेन पळोवपाक गेल्यार कांय मनशां नवो बदल सोपेंपणी आपणावपाक सोदतात जाल्यार दुसरें तरेची मनशां बदल आपणावपाक तयार नासतात पूण ती ताचो विरोध करतात.

तांचे तिनूय कथासंग्रह जर घेलते जाल्यार तांच्या सपनफुलां कथासंग्रहांत चड प्रमाणांत वास्तवता दिसता, आमी कथासंग्रहांत अंधविश्वासचे दर्शन जाला जाल्यार तांच्या दोंगर चंवल्ला ह्या कथा संग्रहांत ग्रामीण जिणेंचो बोध जाता. कसल्याय गजालींचेर अतिविश्वास दवरप ना हें दिसता पूण गडत तिनसना ही कथा वास्तवतेपासून मातशी पयस गेल्ली दिसती. मीनाबायच्यो कथा काळाप्रमाण बदलत्यो दिसतात. गांवगिरी जिण तांच्या कथेंत एक वेगळीच गुणवत्ता हाडटा. तशेंच गोंयचो सैम वा लेखिका सैमाकडेन खूब लागी आसा अशें दिसता कारण गोंयची सैमीक वर्णना तांच्या कथेंनी चड प्रमाणांत आयिल्ली आसात.

ती आपल्या कथांनी समाजाचे भेद दाखयता. जंय ती मध्यमवर्गिय आनी भौजन समाज आपल्या कथाना चित्रायता. समाजांत मनशाक घालून दवरिल्ल्या बंदनांचे वर्णन तांच्या कथेनी आयला. जंय एक शेतकऱ्याचो चलो शेतकार जावंक जाय, ताणें हाचे फुडलें चिंतप नासता हें दाखयला जाल्यार मनशाच्या जिवीतांतल्या मुल्यांचो बदल जातना दिसता. देखीक जनेलाचे हेवाटेन तेवाटेन कथेंत निवेदकाची आवय- बापूय आपल्या चलयेक माया दिनासतना तांका सोशल सर्विस म्हत्वाचो आसता. तांच्या कथानी आर्थीक स्थिती बद्दल चड भाश्य केल्ले दिश्टी पडना पूण कांय मोजक्योच अश्यो कथा आसपावतात जातूंत आर्थिक स्थितीचें दर्शन घडटा. आर्थिक स्थिती ही समाजदर्शनाचो म्हत्वाचो वांटो जावंन आसा ज्यो कांय कथानी वेगवेगल्या आयामानी आयिल्ल्यो दिसतात. परिस्थितीत बळी पडपी

देखून आपलो गांव सोडून गोंय येवन कामाक रावपी मनीस तांच्या कथांनी चड प्रमाणांत आयिल्लो दिसता.

मीनाच्या कथांनी पात्रां पारिवारीक वा घराब्याक जुळून आयिल्ली दिसतात ह्योच तांच्या कथेंचो प्राण म्हणू येता. दिसपट्ट्या जिणेंत घडपी ल्हान घडणूको घेवन तातूंतल्यान कथा रचपाची तांक तांच्या कडेन आसा हे दिसता. तशेंच तांच्या कथांनी आपल्या कुटूंबाक धरुन एकवटान रावपी मनशां दिसतात. हांगा एकाच घरांत रावपी एका परस अदीक पिळग्यांचो बोध घेवपाक मेळटा. तांच्या कथेंनी स्त्री-पुरुश संबंद ज्या तरेन आयला ताची मान मर्यादा दवरुन तांच्यानी ह्या विशयाचेर भाश्य केल्ले दिसता. तांच्या कथांनी बायलेच्या आंतरीक दुखाचेर खोलायेन विचार केल्लो दिसता. एक बायल मनीस आपल्या मनांतले उमाळें कशें तरेन व्यक्त करता हाचें चित्रण तांच्या कथांनी आयला हाची देख म्हळ्यार काकीबाय वा आतिबाय सारकिली पात्रां. तांच्यानी बायलेचे वर्गीकरण दोन तरांनी केल्ले आसा, एक म्हळ्यार समाजांत बंड करपी बायल मनीस जाल्यार दुसरें वाटेन पुरोगामी विचारांची बायल मनीस आयिल्ली दिसता. तांच्या कथांनी आयिल्ली पात्रां चड प्रमाणांत उच्चवर्गिय आनी भौजन समाजांतली आसा.

तांच्यो कथा वाचतना समाजीक भेद जाणवता. बायल्यांच्या मनार जावपी आंतरीक दुखां वांगडाच तांच्यानी दादल्यांच्या दुखांचो सोद आपल्या कथांनी बेस बऱ्या तरेन मांडिल्लो आसा. तांच्या कथांनी बाल मनाचेर भर दिल्ली आसा जंय ल्हान आसून लेगीत परिस्थितीक बळी पडिल्ल्या कारणाक तांका वायट परिस्थितीक तोंड दिवचे पडटा. आपल्या प्रस्नांची जाप कशें तरेन बालमन सोदून काडटात हे तांच्या कथांनी बेस बऱ्या तरेन चित्रायला. मीनान जाणट्या मनशांक आपूण जाणटो जाला हाची जाणिव करुन दिवपाक कांय प्रस्न हाडल्यात जें वास्तवाक धरुन आसात. वाचप्यांचे मन ओडून घेवपी सर्वसामान्य मनशांचे उमाळे तांच्यानी दाखयल्यात. भुरग्यांचो बरो फुडार घडयतलो जाल्यार तांकां कांय गजाली जाणट्यांकडेन दवरल्या उपरांत ती शिकतात देखून तांका जाणट्यांकडेन दवरुंस जाय हें तांच्यो

कथा वाचल्या उपरांत सिध्द जाता. मीना काकोडकार ही आपल्या कल्पनेंतल्यान वास्तवतायेंच्यो घडणूको घडयता घडये तांच्या मनांत वेगवेगळ्या घडणुकांचो भांडार आसा जायत.

तांच्यो कथा चड प्रमाणांत संघर्शात्मक आसतात. वाचकांच्या मनांत जिणेची दिशा घडोवन वता. तांच्यानी आपल्या जिवितांत जें कितें पळयला वा अणभवला तें तांच्या कथांनी पडबिंबीत जाता. मध्यमवर्गीय समाजांच्या जिणेंची सुखां-दुखां, तांची परिस्थिती आनी उमाळे हाचेर तांच्या कथांनी कठोरपणांत भाश्य केल्ले आसा. मीनाच्या कथांनी काळाप्रमाण बदल घडत आसा हाची जाणिव तांचे कथासंग्रह वाचल्या उपरांत कळटा. तशेंच तांच्यो कथा अश्या तरेन आसा एकदां वाचपाक लागले म्हणटकच वाचून शें दिसता पूण तांच्यानी कथांक कांय अशीं नांवां दिल्यात ती पळोवन कथा वाचूनशी दिसना, ती प्रभावीत दिसना.

# आदारावळ

## कोंकणी


1. डॉ. कानोळकार, बाळकृष्णजी. *'क्ष' समिक्षेतलो*. त्रिमुती प्रकाशन, साखळी-गोंय, 2008.
2. (सं) कुंकळकार ज्योती. *कथा,करंड*. ज्योती कुंकळकार, सुखनिवास तिवेर, माशेल - गोंय, पयली उजवाडावणी 2011.
3. कोळंबकार शीला. *कथाशील*. गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी- गोंय, 2007.
4. केणी, चंद्रकांत. *साहित्य स्वाध्याय*. गोवा कोंकणी अकादमी 243, पाटो कॉलनी, पणजी- गोंय, 2007.
5. तडकोडकार, प्रियदर्शनी. *कोंकणी साहित्य मात्जिरी (नदर आनी नियाळ)* . केदार प्रकाशन गृह, पणजी तिसवाडी- गोंय, पयली आवृत्ती 2005.
6. नायक, शिला. *ओली सांज*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय, ऑगस्ट 1973.
7. नायक, जयंती. *लोकबिंब*. गोवा कोंकणी अकादमी, पणजी- गोंय, 1988.
8. (सं) नायक, पुंडलीक. *कोंकणी लघुकथा*. नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, 1998.
9. बस्तोडकार, माधव. *लक्ष्यवेध*. संजना पब्लिकेशन्स, सांगे- गोंय, मे 2011.
10. बुडकुले, किरण. *अक्षर सरिता*. बिम्ब धर्म- लक्ष्मी, सांत लॉरेन्स, आगशी- गोंय, जुलाय 2009.
11. वेरेंकार, श्याम, सरदेसाय, माधवी, म्हाळशी, कमलाकार. *(सं) कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृती*. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव- गोंय, 2003.
12. सरदेसाय, लक्षमणराव. कथा *शिल्प*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय, 1977.


## हिन्दी

13. कुनार, मिथिलेश. *जनजातीय समाज मे समाजिक संरचना एंव जनजीतियाँ*. राज पब्लिशींग हाउस, 2009.

14. गौड, संजय. *आधुनिक महिला ए और समाज, उत्पीडन, अत्याचार एव अधिकार*. बुक एन्कलेव, जयपूर- भारत, 2006.

15. भनोट, सुमन. *समाजिक रूप से कुसमायोपित बालक, अवधारणां, पध्चान एवं उपकार*. कनिष्क पब्लिशर्स, डिस्ट्रीब्यूटस, नई दिल्ली, 2009.

16. डॉ. मिश्रा. *श्रविस्तव प्रमिला बाल विकास एंव शक्षित संदार्शिक*. कनिष्क डिस्ट्रीब्यूटस, नई- दिल्ली, 2009.

**इंग्लिश**

17. Darty, William. *A international encyclopedia of social sciences (2nd edition)*. United states of America, 2008.

18. Beauvour, simon. *De Second Sex*, London vintagebook, 2009.

19. Deka, Meeta. *Womens Agency And Social Change*. SAGE Publications, Singapore, 2013.

20. Dr Satyapal, Rahul. *Indian Society Structure and change VOL-1*. shubi publicatons, Gurgon india, First edition, 2006.

**नेमाळी**

21. कुळागर 1 अंक सेप्टेंबर 1997, 12 अंक डिसेंबर 1980, अंक फेब्रवारी 1984, 12 अंक डिसेंबर 1985, 1 अंक जानेवारी 1986, 12 अंक 1986, 4 अंक दिवाळी 2007, 2 अंक दिवाळी 2008

22. बिम्ब दिवाळी 2012, डिसेंबर 2013, जुलाय 2014, जून 2013.

## संकेत थळां


23. https://books.katha.org>
24. https://m.timesofinidia.com
25. https://www.uou.ac.in
26. https://www.shivajicollege.ac.in
27. https://en.m.wikipedia.org
28. https://dictionary.cambridge.org
29. https://www.newworldencyclopedia.org
30. https://www.humanrightscareers.com

परिशिश्ट 1 : लेखिका – मीना काकोडकार हांची चित्रां









परिशिश्ट 2 : मीना काकोडकार हांचे कथा संग्रह





**परिशिश्ट 3 : लेखिका मीना काकोडकार हांची 27 जानेवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत**

## मुलाखत

**1. तुमच्या विशीं थोडक्यांत सांगात.**

- म्हजो जल्म काणकोण पाळोळ्यां गांवांत जालो आनी म्हज्या आवय आनी बापूय दोगांय कलाकार म्हळ्यार जाता. आवय म्हजी त्या काळापासून मासीकानी बरयताली आनी सदांच म्हाका काणयो रचून सांगताली. बापूय कलाकार आशिल्लो, इंजिन्यर आशिल्लो आनी चित्रां बरी काडटालो. तांच्यानी म्हाका सैमाविशीं तो काणकोणा सकाळी म्हाका रानानीं वतालो. थंय शेवणी निकतीच चिंव चिंवताली, बळाऱ्यो उडटाल्यो, माकोड तेन्नाच जागे जावन उड्यो मारताले. काणकोण सैमाची खाळ तशीं. म्हजी आवय जी आशिल्ली बापायची आवय ती चिकण मात्येच्यो ल्हान मुर्त्यो करताली. म्हाका वाचपाची खूब आवड आशिल्ली. म्हज्या बापायन म्हाका खूब पुस्तकां हाडून दिल्ली. म्हाका म्हज्या कुटुंबांत सदांच प्रोत्साहन दिला. तांच्यानी केन्नाच म्हाका हांव चली म्हूण बंदना घाली नात. म्हाका पयली सावन काणयो आसकूपाक आवडटाल्यो. म्हजी आवय तशीच आमगेर एक काम करपी बायल आशिल्ली तीणें सदांच म्हाका काणयो सांगच्यो आनी ह्याच काणयांच्या आवडीन हांवेन कथा बरोवपाक सुरवात केली. हांव लेखकच न्हय तर कलेच्या श्रेत्रांत म्हाका चित्रां काडपाकूय खूब आवड आसा. म्हज्या आवयलचें नांव हिराबाय गायतोंडे आनी बापायचें नांव दुर्गा गायतोंडे. म्हाका हांवेन बरोवपाची सुरवात निबंधांतल्यान सूरवात केल्ली उपरांत कथा, कादंबरी तशेंच भुरग्यांक खातीर साहित्य बरयले.

**2. तुमच्या शिक्षणां विशी खोडक्यांत सांगात.**

- हांवेन पयली तें चवथी मेरेनचें शिक्षण मुस्टिफंड शाळेंत घेतले. ताच्या उपरांत पांचवी तें सातवी मेरेनचें कस्तुर्बा मातुसरी हांगा ह्या शाळेंत जाले. उपरांत फुडलें शिकप म्हजें पिपल्स गर्ल्स हायस्कूल पणजे शाळेंत जाले. मुखार एस. एस. सी मेरेनचे शिक्षण न्यू ईरा स्कूलांत जाले. उपरांत तेंप हांवे धेंपें कॉलेजींत शिकले आनी बी एस सी ही पदवी मुंबयच्या विल्सन कॉलेजींतल्यान घेतली तशेंच चित्रकलेची आवड म्बूण हांवेन फायन आर्टसाचें शिक्षण घेतलां.

**3. तुमकां कथा बरोवपाक कित्याक आवडटा ?**

- हांवेन जशें सागली, म्हाका काणयो आयकूपा खूब आवडटाले. म्हजी आवय म्हाका सदांच काणयो सांगताली. सुरवातेक हांवेन निबंध बरयल्लो तो निबंध सगळ्यांक आमगेर आवडलेलो तेन्ना सगळ्यांनी म्हजी खूब तोखणाय केल्ली त्या प्रोत्साहानांत्ल्यान म्हज्या आवयच्यो तश्योच आमगेर वावर करपाक येवपी तशेंच म्हाका [illegible] णयो आयकून आयकून उपरांत म्हाका दिसले की हांव काणयोय बरोवपाक शकता तेन्ना हांव कथेच्या मळार भितर सरले.

**4. तुमी कथा बरोवपाक विशय कशें हाडटात ?**

- अशें आसता, जिवितांत प्रवास म्हत्वाचो आसता. ह्याच प्रवासाच्या अंतरगात कांय गजाली तूवें अणभविल्ल्यो आसतात. त्यो मागीर कसल्योय गजाली आसानात. पूण ह्याच प्रवाच्या अंतरगात पळयिल्ल्या कांय गजालींचे चित्रण आपोआप तुज्या तकलेंत बसतात आनी उपरांत तातूंतल्योच दोन वा तीन गजाली घेवन कथा बरयतना आपल्या कल्पना शक्तीच्या आदारान कांय गजाली चिंतप जाता आनी ताका कथेचें रुप दिवप जाता.

**5. तुमी बरोवपाक कशीं सुरवात केली वा तुमची सुरवात ?**

- सगळ्यांत पयली हांवेन कविता बरोवपाक सुरवात केल्ली. उपरांत राष्ट्रमताचे सर्तित म्हजी कविता छापून आयली, त्या पयली ती गोमंतक दिसाळ्यांत पयल्यात खेपें छापून आयिल्ली

तातूंतल्यान एक प्रेरणा कशी मेळ्ळी. तशेंत हांवेंन उपरांत आमच्या पाळोळ्या गांवचेर लेक बरयलो तो म्हजो कोंकणींत बरयिल्ल्यो पयलोच लेख आशिल्लो.

**6. तुमच्या दोंगर चंवल्ला ह्या कथासंग्रहांत चडा प्रमाण ग्रामीण जिणेंचे चित्रण जाला ताच्या विशीं सांगात.**

- तशें सांगचे जाल्यार म्हजो जल्मूच गांवात जाला. आनी म्हाका सैम,जनावरां तशेंत एकामेका वांगडा नातें समजून घेवपाक आवडटा. पाळोळ्या गांवांत सर भोवतणी बापाय वांगडा रानांत भोविल्ल्या कारणाक हें विशय सवकळीचें जाल्यात देखून तांचे कडेन म्हाका बेगीन जूळपाक जाता.

**7. तुमी सपनफुलां ह्या कथासंग्रहाक सपनफुलां हे नांव कित्याक दिले ?**

- सपनफुलां ह्या कथासंग्रहाक सपनफुलां नांव दिवपाचे कारण म्हळयार म्हजी सपनां जी म्हज्या मनबुद्दीन वा तकलेंत सपनां फुलयतात. देखून सपनफुलां.

**8. तुमच्या तिल्लम्मा ह्या कथेंत एकादो दादलो जर परक्याच्या घरा गेलो जाल्यार घोवाच्या मनांत दुबाव कित्याक आयिल्लो दिसता ?**

- जें घाटमाथ्याया वयल्यान आयिल्ले लोक आसतात तें खंय तरी आपलो गांव सोडून दुसऱ्या गांवांत कामाक म्हूण येतात पूण अश्या लोकांची अशी मानसिक्ता आसता, आपल्या बायलेन दुसऱ्या दादल्या बरोबर उलोवचे न्हय वा दुसरो दादलो आपल्यागेर आयलो जाल्यार तांचो कितें तरी संबंद आसा. हो दुबाव तांच्या तकलेंत आसाता पूण तें कांयच विचारीनात आनी उपरांत बरें- वायट करतात.

**9. तुमच्या कथांनी मुखेलपणांत बदलत्या समाजाचें चित्रण आयला ताचेर तुमचें मत कितें?**

- समाज हो बदलत आसता. जशें तरेन समाज बदलता तशें तशें समाज परिवर्तन जाता. आनी ह्याच बदलत्या समाजाचें चित्रण मागीर आमच्या साहित्यांत येता.

**10.वस्त्रहरण ह्या कथेंत तुमकां खऱ्यानीच अशें दिसता, न्युड्स चित्रकला घरांत लावप ही वायट गजाल वा त्या खातीर सोयरीको मोडटात ?**

- ना. तशें कांय नासता पूण हांका जेन्ना एका चल्याचें वा चलयेचें लग्न जायना तेन्ना घरांतल्या मनशांची मानसिक्ता कितें आसता हाचो विचार करपी ही कथा आसा. जी विनोदी स्वरुपाची आसा.